जाळां

ऍँटनी बारकूर

8059
Short Stories
Dev
ANT

मासां

KONKANI BHAS ANI SANSKRITI PRATHISTAN (R)
World Konkani Centre, Lobo Prabhu Nagar, Konkani Gaon, Shakthinagar, Mangaluru, 575 016.
8059
Short stories
DEV
Anet

मासां

कथा पुंजो

एँटनी बारकूर

कविता पब्लिकेशन्स

'Masam' is a collection of Konkani short stories by Antony Barkur (Antony Prakash D'Souza) in Devnagari script. Published by Melvyn Rodrigues for Kavita Publications, 403, Venus Prime, Kadri Kambla Road, Pinto Lane, Bejai, Mangalore - 575004. Printed at Brilliant Printers Pvt. Ltd., Bangalore.

© Antony Barkur

First Edition: 2019

Cover Design: Kishoo Barkur

Pages: xiv+90, Paper: 80 gsm, N.S. maplitho, Size: demy 1/8, Font: Shree Lipi (Nagari).

Price: Rs 200/-

'Kavita Publications' is the Publication House of Kavita Trust®, a trust for the promotion and promulgation of Konkani Poetry. 'Masam' is its 30th publication.

काळजाशिरो कांपोंवच्यो काणयों

कितलीं वरसां जालीं, उडास ना. ऍंटनिविशीं इल्लिशी खबर आसल्ली, पूण वळक नातल्ली. हुश्यार भुरगो, धावेंत आसताना दोतोर्नेंत रॅंक जोडलां. स्वताच्ये तांकीन, एंजिनियरिंगाक सीट आपणावन, एंजिनियर जावन उंचल्या सॉफ्टवेर संस्थ्यांत कामाक लागला. मागीर तो म्हयन्याक कितलें जोडता म्हणून एक फावटीं पाद्रीन इगरजेंत सांगल्लो जोप!

म्हजो ईश्ट प्रवीण कारवालोच्या उडुपिच्या जेस व्हील मास्टर्स दफ्तरांत ह्या ऍंटनीन, ताका आनी एरीक सोन्साक बरयिल्लें एक कागत तांणी म्हाका वाचूंक दिल्लें, कित्या पासत म्हण उगडास येना. बोवश्या तें कागत बरयिल्ली शयली तांका रुचल्ली. पूण हांव मात त्या कागदाच्ये शयलेक, वापरल्ल्ये भाशेक पिसवाल्लों. एक किटाळ ताचे थंय हांवे पळेल्लें. आनी ह्याच म्हज्या इश्टांक सांगून ऍंटनिची वळक केली. उलोवंक सुरू केलें. कितें वाचताय? कित्याक बरयनांय? वाचतलो खरें, पूण आपूण बरोवंक सकतां म्हण ताका तवळ परयांत गोमोंक नातलें. बरय म्हळें. पयिल्ली एक कविता, हेर कविंच्या सुरवातेबरींच, गांव, तेंय ताचो जुंवो, बरोवन म्हाका धाडल्ली ती मेल्विन रोड्रीगसाक धाडून दिली, मेल्विनाची वळक करून दिली, आनी मेल्विन तवळ कविताकुळार शिंखळ दायजी जाळीजाग्यार चलयतालो, थंय पर्गट केली. ताणें सराग कविता बरोवंक सुरू केलें.

उपरांत एक दीस कांय जुंव्यार हांव आनी तो उलोवन आसताना, हांवें ताका ताच्या भोंवाराक दाकोवन, मारग, उदक नातल्ल्या, जुंव्याच्या तवळचे परिगतेंत, चडताव जुंवो सोडून, पेंटेंत ठिकाणो सोधून, वस्ती नासतां पणगील सोडल्ल्या त्या जायत्या घरांनी कितल्यो काणयों लिपून आसातगाय म्हण सवाल केल्लें आनी तो चिंतूंक पडल्लो. आनी ताणे ताची पयिल्ली काणी बरोवन म्हाका धाडल्ली आनी ती 'राकणो' पत्राचेर पर्गट जाल्ली, आनी 'राकणो' साहित्य स्पर्ध्यांत पयलें इनाम आपणावंक पावली. ताणें सराग काणयों बरोवंक सुरू केलें.

हांवय कांय मिश्यां इड्यानींच हासलों. हांवय एक तुंडू कवी आनी काण्यांगार म्हळ्ळ्या घमंडान. एका किटाळाक इल्लें वारें घालन कांय एक चूड पेटयली, भळिरे म्हण हांव खुश. पूण हांवें पेटोवन सोडल्ली चूड न्हय, बगर रॉकेट म्हणून म्हाका तवळ कुसकुटाचो सुलूस लेगून नासलो. आनी हो सराग बरयत गेलो आनी इतल्ये उंचायेक पावलो, की हांव ताची वाडावळ, आपणायिल्ली उंचाय, विज्मीत जावन पळेत रावल्लेकडेंच उरलों.

ताच्यो कविता, अतव्योच. बोव सलीसायेन आपल्या भोंवाराक, घडच्या घडितांक सुक्षिमायेन स्पंदन दीवंक तो सकता. जांव तो गांवटी जुंवो या आपूण कामाबाबतीं तवळ तवळ वचून येवन आसचीं सिंगापूर, यू.के., आमेरिकाचीं म्हाशहेरां, एक्येच

ताकडेर तो तुकता आनी सुक्षीम अभिवेक्तेची कविता गुंतूंक पावता. दोळ्यां मुकारच म्हळ्ळेपरीं कोसळोन अंतरल्लो दफ्तरा सांगाती, इगरजे पाक्यार जाळ वोळचो सालवो, तरने प्रायेर मरण पावल्लो शेजारी, घरचें सुणें, या राण्येच्या गांवांतलीं ट्यूलीप फुलां, सक्कडय ताच्यो कविता जातात. देकूनच ताचो फुडलद कवितापेळोच, 'काट तुटचो वेळ' कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी थावन पुरस्कार आपणायता.

आनी ताच्या काणयांचो संसारच वेगळो. आपणाच्या संसारांत आसच्या संगतींक, आपल्या भोंवारांत घडच्या घडितांक, मनशांक आनी मोनजांतींक, आपल्या अनभोगांक, आनी जिविताच्या संकीर्णतेंक तो बोव लागशिल्यान देकता आनी आपणाभितर वोडून घेता, जगोवन दवरता आनी वेळ येताना, आपूरबायेच्या काण्येरुपार परगट करता. वयल्ये दिश्टीक बोव सोंप्यो म्हण दिसच्या गजालिंचीं संकीर्णता, तो बोव सलीसायेन आपल्या काणयेंच्या ठरावणेंत लिपोवंक सकता. ताच्या काणयांनी लिपल्ले संकेत आनी लिपती मार्मीकता, पारकितल्यांक मात दिसतात. आनी ह्याच ताच्ये तांकीन, ताच्यो काणयो आपल्या सोंप्या निरूपणांतय, जिण्येच्या संघर्शांची संकीर्णता, हेळकेविणेंच उघडून वेतात आनी वाचप्याचेर चरून वाडतात. आनी ह्याच पासत ताच्या काणयांचे किरदार, कितलो तेंप जाल्यारय वाचप्याक सोडून वचूंक आयकनांत. जिण्येंत आसल्ल्यो धोशी पावनातल्ल्याक हाच्या किरदारांच्यो धोशी तकलेक चडतात.

अशें धोसच्यो ताच्यो काणयों, थोड्योच तरय, कोंकणी काणयांच्या संसारांत आपलेंच एक वेगळें घराणें बांधून हाडतात. ताच्या जुंव्याचे वेवेगळे बण, या ताच्या कॉरपोरेट, आयटी संसारांतले सोफिस्टिकेटेड जण, तो इतल्ये जोगासाणेन पिंत्रायता की वाचपीय त्या संसारांत मिसळता. हांव कितें सांगून आसां म्हण समजजे तर, हांवे ताच्यो काणयों, एकेक वोळीन वोळ भोगचेबरीं, वाचप्यान भोगजे. तवळ मात कळता.

तो आनी ताचो जुंवो. त्या जुंव्याच्ये वोंट्येंत हात घालन आपल्यो काणयों तो भायर हाडता. आनी अशें करताना, जुंव्या वयल्या लोकांच्या सोंप्ये जिण्येशयलेचीं सोभीत कुसां तो वाचप्या मुकार दवरता. जुंव्याच्ये सोभीत भाशेक आनी उतरांक तो आसल्लेबरींच, तांच्या आवाजां समेत आपल्या काणयांनी जगयता. बोवशा मंगळुरी कोंकणेंत गांवची कोंकणी भास ह्या नमुन्यार कोणेंय वापरल्ली हांव नेणां. पूण अशें बरोवन दिल्ले तेन्नां ती भासच सारकी न्हय म्हण वोद्दुवोरांट उटोवन काडन उडयिल्ल्या या उतरां बदलून पर्गट केल्ल्या सवाय बुद्रंत तुंड्ड संपादकांक आनी आपलें बरप पर्गट केल्लेंच तांचो व्हड उपकार म्हण ह्ये जुलुमेक खाल्तीमान घाल्ल्या पाप गांवकार बरोवप्यांक जाणां.

ह्या पेळ्यांत जमयिल्ल्यो तेरा काणयों वेवेगळ्या ठरावणेंच्यो, वेवेगळ्या संदर्भांनी, संसाराच्या वेवेगळ्या जाग्यांनी बरयिल्ल्यो. एकेक काणी वाचताना, एकेक नमुन्याचीं भोगणां, एकेक नमुन्याचे अनभोग उघडतात, काळजाशीर वोडतात, चिंतूंक करतात

आनी लांब काळाक धोसूंक लागतात. देकून हांगासर ह्या काणयांविशीं हांव कितेंच सांगूंक वचून वाचप्यांच्ये मतींत खंयच्याय थरांची pre conceived notions दीवंक आशेना. पूण म्हाका बोव चड आंवडलेल्या, कोंकणी काणयांविशीं हांवें उलयताना, एच. एम. पेरनालाची 'रॅबीस', मेल्विन रोड्रीगसाच्यो 'वजें' आनी 'जुजेच्या पेरांची काणी' जिक्र करचेसवें केदळाय उलोंवच्या एँटनिच्या दोन काणयांविशीं सांगजायीच पडता.

खंयसरगी एक वॉट्सप पंगडांत एक कोण स्वघोशीत कोंकणी पंडीत फलाण्या थोड्या कोंकणी काणयेगारांचीं नांवां सांगून हे मात कोंकणेंतले म्हान काणयांगार म्हण आपलीच राजवटकी चलोवन आसल्लो. हांव केन्नांय ह्या वॉट्सप पंगडांनी तरकाक बिल्कूल देंवना. पूण हांगा म्हाका रावूंक जालें ना. हांवे सांगलें, ताणें सांगल्लीं नांवां दुबाव नासतां कोंकणेचे म्हान काणयांगारच. ताचेविशीं दुसरें उतर ना. पूण ते मात्र म्हणूंक, एक, ताका कोणेंय ही ऑथोरिटी दीवंक ना, दोन, ताचें गिन्यान खंडीत पावना, तिसरें, ताणें तांकां सोडन हेरांक वाचूंक ना. कोंकणेंत म्हणताना, फकत मंगळुरी कोंकणी मात्र येता? गोंयांत, केरळांत बरयनांत? एँटनी बारकूराची एकच काणी पुरो, 'काकूस' ताका कोंकणेच्या उंचल्या काणयांगारांच्ये पंक्तेर तांच्या सांगाताच उबो करुंक.

'काकूस' आनी 'मासां', म्हाका बोव चड आंवडलेल्यो, फाट सोडीनासतां धोसून आसच्यो काणयों. तांतूनय 'काकूस'... कितल्ये नाजूकायेन तो जुंव्या वयल्या नादिसत्या अमूर्त संकश्टांक उतरांनी बदलता. येदोळ त्याविशीं चिंतिनातल्ल्यांक बडोवन जागयता.

आपूण वाडून आयिल्ल्या भोंवारा भायर एका वेगळ्याच जाग्यार, वयल्याभायर एक समस्सो म्हण हेरां सरवांनी चिंतूकच नातल्ल्यां मधें, एक संकश्ट जास्मिनाचेर कसो वाडून रावता आनी तो फुड करच्या ताच्या निरंतर झुजांत तो संकश्ट कसलीं वेवेगळीं रुपां बदलता, आनी आकरेक तरी तें जिकलें म्हण चिंताना, एक म्हासकेस कसो ताका ग्रासून सोडता म्हण दाकोंवची ही काणी, आपल्या भोंवाराक एँटनीन दिंवच्या सुक्षीम संवेदनांची, ताच्ये नाजूक नद्रेची गवाय जाता. एक काणयेगार जावन ताची तांक, ताची दिगाय कितली ती वाचप्याक कळयता. एक काणी अव्वल जावंक असल्योच संगती कारण जातात. ह्यो वोळी पळेया:

काकसाचीं दारां कोसळून पडून आपूण, फक्का मुकार, विणगींच उबीं तशें भोगलें जास्मिनाक. घोवाचें तोंड काकसाच्या फोंडाच्याकी चड हळशीक दिसलें ताका.

ताणें फ्लश केलें. विणल्लीं स्वपणां, गांवांत रांवचो निर्धार, घोवा आनी भुरग्यां संगीं प्रसन्न जिणी... सर्व काकसाच्या फोंडांत पडून, म्हेळीं जावन, व्हाळून वेतालीं..

'मासां' काणयेंतली ही सुक्षीम नदर [observation] पळेया...

तोपलें धांकीत सांगलागली ती. तोपलें मेजार दवरन, शिता मडकी उगती केली तिणें.

शिताच्ये मडकेंतल्यान उटल्ली ऊब, मांयच्या मुस्करार मांडली. मांयच्या कपलार मांडल्ल्यो मिरियो स्पष्ठ दिसल्यो म्हाका. मांयन कुर्पणेक लागल्ले शिताकण मडकेंत झडयले

'धग' आयलेवारच लिखल्ली एक संकीर्ण काणी. आमच्या समाजांत गुपतीं चरून आसच्या, पूण कोणय वोळकून मांदून घेवंक तयार नासच्या 'खास सयऱ्यांथावन नेणत्या भुरग्यांचेर चलच्या लंयगीक शोषणाच्ये' पिडेक बोव व्हरते थिरासाणेन आनी नाजूकायेन आपडता.

'चरतलो' आनी 'घाण' हेर काणयां परस इल्ल्यो चडीतच अमूर्त. तांतल्या तांतूं मघाणफ वाचून काडताना, बाय आनी संजीवा मदल्या बांधाक समजूंक सकनासतां, नांव दीवंक पावनासतां, वाचपीय कथानायका तितलोच घुस्पडता आनी चडपडता. 'चरतलो' आकरेकय एक मिस्तेर जावनच उरता. मागीर ह्या पेळ्यांतल्यो हेर काणयोंय असल्याच सुक्षीम नद्रेन विणल्ले, अनभोगांक फ्रेम बसोवन पिंत्रायिल्ले जिण्ये रेकोर्ड्स तें स्पश्ट जाता.

जिविताक पोटलून धरून जियेतले मात्र अशें बरोवंक सकतात आनी जिविताक त्याच तीव्रतेन भोगतल्यांक मात्र असल्यो काणयों काळजाशिरांनी कांप उटोवंक सकतात.

तुमकां कशें भोगत म्हाका खबर ना. पूण ह्यो काणयों वाचून तुमकां जांवचो खासगी अनभोग, तुमकांच तुमची वळक करून दीवंक पावतीत, अशें हांव चिंतां.

देव बरें करूं.

–किशू, बारकूर **02/08/2019**

बरोवप्याचीं दोन उतरां

'काणी – मनशा भोगणांची खोंकली' अशें एक व्याख्यान हांवें लिखललें सुमार धा वरसां आदीं. म्हजी 'काकूस' काणी 'धाकड्याच्यो काणयो' (राकणो प्रकाशन) पुंज्यांत पर्गट जाल्ली आनी तांणी काण्ये विश्यांत एक वाक्यें दी म्हण विचारलल्या वेळार हांवें अशें बरयिल्लें.

व्हय काणी अशीच. मनशा भोगणां उतरांवक एक साधन. व्यक्ती आनी समाजाची अभिव्यक्ती. खंयचेंगी एक घडीत या एक चिंतप मनशा भोगणांनी मोळन समाजाच्या आनी मनशा कालेतीच्या कॅनवासार एक चित्रण जाताना रुता जाता.

हांवें बरोवंक सुरू केल्लें कवितेद्वारीं. तांतली एक सादी कविता आसल्ली – 'गुड्या वयलें फूल'. हीच कविता हांवें उपरांत एक काणी जावन लिखली. तीच म्हजी पयली काणी. (ती ह्या पुंज्यांत ना). ही सुमार धा–बारा वरसां पयलेंची गजाल.

ताच्या उपरांत म्हज्या गांवाच्या म्हणजे कुदऱ्याच्या (जुंव्याच्या) पाटथळार या हांवें कामां निमतीं गेल्ल्या देशांच्या या जाग्यांच्या पाटथळार, हांवें देखल्ल्या या भोगल्ल्या विषयांची शीर धरून, तांकां मनशाच्या गुणांचो लेप काडून, तांतूं लिपून आसचीं सवालां सोधून, तांकां काणयांचें रूप दीवंक सुरू केलें. थोडे विशय तात्कालीक आनी थोडे ल्हानपणा थावन धोसून आसलले. ह्या सरवांक एक मूर्त रूप दीवंक काणी म्हजें माध्यम जालें. तशें म्हणताना ह्या पुस्तकांतल्यो सर्व काणयो काल्पनीक. हांवें साक्स जाल्लीं थोडीं घडितां थंय हांगां रिगल्यारी, तीं घडितां काणयेंत मोळताना, तीं पुरतीं बदलून वेगळींच घडितां जाल्यांत. तरी ह्ये प्रक्रिये निमतीं म्हाका मनशा मती भितर तिळूंक आनी त्या मारीफात म्हाकाच इल्लें चड जाणां जावंक साध्य जालां. अशें काणयो म्हजी अभिव्यक्ती.

बरोवंक सुरू करन, फाटल्या बारा वरसांनी फकत बारा तेरा काणयों म्हण सांगताना बरयिल्लें मस्त उणें जालें म्हण म्हाकाच कांत्ता. थोड्यो काणयो म्हज्ये भितर म्हयन्यांगटल्यान घोळ्ळ्यात. एक्ये काणयेचें अंत्य कशें करचें कळनासताना च्यार वरसां उपरांत सोंपयल्या. थोड्यो काणयो एका हफत्या भितर उदेवन बरोवन काडल्ल्योय आसात. अशें बरयिल्ल्यो थोड्योच काणयो आनी तांतुंच म्हाका थोडें तरी समाधान मेळ्ळां.

काणये शेतांत चलूंक सुरू केल्ल्या थावन आज म्हणसर हात धरन, मुकार लोटून आनी केन्ना केन्ना हळू चिमटो काडन, म्हाका हांगा म्हणसर वोडन हाडल्लें किशून. तो म्हज्या काणयांचो पयलो वाचपी. ताणें दिल्ल्या कांय थोड्या सुचनांनी म्हाका जाल्लो उपकार भोव व्हड. तशेंच ह्या बुकाचें मुखपान पिंत्रायिल्लेंय ताणेंच. म्हज्ये काणयेंच्या पात्रांक तो वळकता. तीच वळक एक अर्थाभरीत पिंतूर जावन उदेल्या. हें पिंतूर ताणें डिजिटल माध्यमांत केलां. सबार दिसांची म्हिनत. अशें सबारांक कळीत नातल्लो 'कलाकार किशू' तुमकां हांगा भेटता.

ह्या बुकांत 'मासां' म्हण एक काणी आसा. पयले फावटीं बरयताना हाचें अंत्य वेगळेंच आसल्लें. किशूचें फर्माण आयलें "काणयांनी चिंतूंक करिजे. ह्ये काणयेचें अंत्य समा ना. बदली". पूण करचें कितें? – तें सांगलें ना. चिंतून चिंतून कशें पुणी वेगळेंच एक 'क्लैमाक्स' बरयलें आनी तीच काणी पत्रार पर्गट जाली. पूण संपादन करूक ह्या पुस्तकाच्या प्रकाशकाक दिताना, चुकामुकीं पयलेंची काणींच दिली. अशेंच पुस्तक छाप्याक गेल्लें तर व्हड चूक घडती. ही चूक सोधून काडल्लीय किशून. तशेंच ह्या पुस्तकाचें प्रस्तावनयी ताणेंच बरयलां. म्हज्या काणयांच्या पात्रांक आपणाचे करन बरयिल्ल्या भोव अर्थाभरीत उतरांक ताका देव बरें करू.

"तुज्या काणयांचो एक बूक करयां" अशें वितोरी कार्कळान सांगललें जैपूर लिटफेस्टा वेळार – कांय २०१४ इस्वेंत. पूण ह्ये दिशेन हांवें पयलें मेट काडल्लें मात्र २०१७ इस्वेंत. आसल्ल्यो सर्व काणयो सांगाता घालन वितोरीक धाडन दिल्यो. ताका काणयो इल्ल्यो उण्यो दिसल्यो. देकून थोड्यो काणयो बरोवन, निमाणें ह्या २०१९ व्या वरसाच्ये आकेरीक म्हजो काणयां पुंजो तुमचे हातीं आसा.

अशें सुमार पांच वरसांचें साधन ह्या वरसा संपूर्ण जाता. वेळ इल्लो लांब जालो. आसूं. हो पुस्तक देवनागरी लिपिंतयी पर्गट जावन आसा. एका पुस्तकांत दोन लिपी आसून सबार बूक पर्गट जाल्यात. पूण एकच पुस्तक, एकाच वेळार दोन लिपिंनी पर्गट जांवचें भारी उणें म्हण चिंत्तां. असलो एक वेगळो प्रयोग करुकं किशू, वितोरी आनी मेल्विन रोड्रीगसान सांगात दिला. वितोरीन कानडी लिपींत संपादन केलां तर, सगळो बूक देवनागरीक लिप्यांतर करून संपादन केल्लो मेल्विन रोड्रीगसान. हें भारिकसाणेचें काम विशेस म्हिनतेन केल्ल्या मेल्विनाक हांव ऋणी.

म्हज्यो काणयो 'राकणो', 'उजवाड', 'दायज', 'किटाळ', 'नमान बाळोक जेजू', 'आरसो' – ह्या पत्रांनी आनी जाळीजाग्यांनी पर्गट केल्ल्या सर्व संपादकांक म्हजे नमान.

देवनागरी लिपियेंत हो पुस्तक छापून, गोंयांत उगताडाक हाडूंक सहकार दिल्ल्या कविता ट्रस्टाक हांव ऋणी.

म्हज्यो काणयो म्हज्या जिण्ये अनभोगांक एक अभिव्यक्ती. वेवेगळ्या काळार आनी वेवेगळ्या संदर्भार उटच्या सवालांक जवाब सोदचें आयद. म्हज्ये दिष्टीन मनशा मना भितर पळेंवचें एक प्रयत्न. ह्यो काणयो भोगणांची खोंकलीय व्हय. अनभोगा खोंकलीय व्हय. खोंकली काडल्या उपरांत केन्ना गळो सुडाळ जाता आनी केन्ना जीव अस्वस्थयी जाता. ह्यो काणयो वाचून काडतच तुमकांय तशेंच जांव – अशें हांव आशेतां.

– ऍंटनी बारकूर

95919 06906
antonydesouza@yahoo.com

अर्पण

म्हज्ये जिणयेंतल्या
जास्मिनांक

एँटनी बारकूर

भितरल्या पानांनी

1.	मळपी	1 - 6
2.	काकूस	7 - 16
3.	स्किड	17 - 24
4.	मासां	25 - 34
5.	ओकाल	35 - 40
6.	घाण	41 - 46
7.	चरतलो	47 - 52
8.	टी ब्रेक	53 - 56
9.	जू म्हजें इष्टीण	57 - 62
10.	गांच	63 - 66
11.	पेंड आनी बूक	67 - 72
12.	धवे मोचे	73 - 78
13.	धग	79 - 87

मळपी

त्या दिसांनी माग्गीबाय भारीच खुशेन आसल्ली.

एक्ये देगेन घरांत नवो मनीस येंवच्यार आसल्लो. लंडन थावन सुनेचें फोन आयिल्लें – "मांय म्हाका आतां तीन म्हयने. आन्येक च्यार म्हयने सोडन हांव आनी सिप्री गांवाक येतांव. बांळतेर गांवांतच करयां म्हण चिंतलां आमी".

माग्गीबायेक त्या दीस थावन पांय धरणीर नातल्लेच. शेजारा–सामारा येवंक आसच्या नातुगी या नाती विश्यांत उलोवणेंच उलोवणें. त्या घरांत भुरगीं खेळन मस्त तेंप जाल्लो, कांय उण्यार उणे वीस पंचवीस वरसां, निमाण्या पुताची प्राय.

भुरग्याक म्हण माळ्यार आसल्लें पाळणें देंवोवन, आचारीक आपोवन पॉलीश करयिल्लें. गजगो, धुंवरेक धुंप हें पुरा पंडितालागीं थावन हाडून दवरल्लें. केदळा सून येतगी, केदळा बाळंत जायतगी, केदळा बाळशाक खेळयनगी म्हण आतुरीत जाल्ली.

आन्येके देगेन घराचें काम सुरू केल्लें. माग्गीबाय आनी संतानाबाचें घर नळ्यांचें तरी मस्त वरसां रिपेरी पळेनासतां पोरनें पोरनें दिसतालें. न्हंय तडीचें घर तें. लागीं लागीं पन्नास वरसांच्या त्या घराचें कडपाकें बागवाल्लें, रिपां सुंरबेल्लीं, कोगुळगुत्ती मालवाल्ली, नळे निसराल्ले, धरणीर फूट पडल्ली. तांबडी काव धवसाट जाल्ली. चुन्याच्यो कापट्यो निकळून पडताल्यो. तें न्हय आसतां घराक मुकल्यान वणती नातल्ल्यो. पोरन्या काळाचें उगतें उगतें घर.

पूत दोगी बरेपणाक पावतच तांणी घर रिपेरी करिजे म्हण काम आरंभ केल्लें. घर मोडन नवें बांदा म्हळ्ळ्या सबारांच्या सुचनाक कान दीनासतां, आसल्लें घरच नवीकृत करूंक पुतांनी निचेव केल्ल्या तेदळा म्हाल्गड्यांचें घर उरलें म्हळ्ळें समाधान माग्गीबायेक आनी संतानाबाक जाल्लें. तिणे काजार जावन रिगल्लें घर, भुरगीं ल्हान व्हड जाल्लें घर, कष्ठा सुखांची निशानी जाल्लें घर उरल्लें माग्गीबायेक देवाचो उपकार म्हण भोगल्लें. ना तर आज काल नळ्या घरां खंय उरतात?

देकून माग्गीबाय खुद रावून काम चलयताली. वणतींक आसल्लो चुन्याचो गारो तासून काडन नव्यान सिमेटी गारो केल्लो. चावडे सकयली चौकी इल्ली मुकार घेवन, लांबायेकी रूंद जनेलां दवरन, मधें एक बोगीचें बागील दवरची वेवस्ता केल्ली.

उगती चावडी बंध जांवचें पळेताना माग्गीबायेक इल्लें बांधून घाल्ल्याबरीं दिसतालें तरी, मागीर संवय पडतली म्हण समाधान करन घेताली. आज काल गांवार चोर चड जाताना उगतें घर खंयच्या काळाक तरी अपायच म्हण तिका गोमल्लें.

धरणीक सेरामीक टैल्स बसोंवचें काम एक उरल्लें.

हाचे वयर माग्गीबायेची पाडी केंपी गेल्ल्या म्हयन्या पुनवेक हांबेल्ली. संतानाबान गायेक पाड्याक वरन हाडल्लें.

इंजेक्षनाक वरचें म्हळ्यार माग्गीबायेक जायनातल्लें. पयलें एक दोन फावटीं गौरी गायेक इंजेक्षन दीवन हाडल्लें. एकाच प्रयत्नांत गाय गाब जाल्ली. पूण तीं इंजेक्षनांची वासरां वांचनातल्लीं. त्या उपरांत सुब्रायागेल्या पाड्या लागीं वरचें म्हण तिणें चिंतल्लें. वासरां उरल्यार गायेची संतत उरता. ना तर गाय म्हातारी जावन मरतच आन्येक हाडीजे. माग्गीबायेन तशें केल्ल्यान आज गौरी मेल्यारी केंपी आसल्ली.

गाय ह्ये पुनवेक परत्यान हांबेवंक नातल्ली. गाय गाब जाल्लें नख्खी जाल्लें. सुनेन कुळारा वचून बांळतेर सोंपोवन येंवच्या वेळाक समा जावन केंपी दूद दींवक सुरू करतली. नवें घर, घरांत नवें बाळशें, बाळशाक घरच्या गायेचें दूद – संतोस सगळो आपल्या घरा येवन रावला तशें भोगतालें माग्गीबायेक.

म्हयने पाशार जाल्ले. घराचें काम सोंपल्लें. म्हातार्‍ये बरीं आसल्लें घर आतां नव्या व्हकले बरीं सजतालें. पुताच्ये वळकिचो कोणगी एकल्या पेंयटरान आपुरबायेचो पेंयट काडल्लो – सगळ्या घराची सोभाय दोडती करतालो. टैल्स घाल्ली धर्ण, उजळचें मोप, साफ वणती पळेवन गांवकार फुगारताना माग्गीबाय आपणाकच फुगारल्ल्या बरीं खुशी जाताली.

मेयांत घराचें काम मुगदालें म्हणताना जुनांत पूत आनी सून आयिल्लीं. आयिल्ल्ये सुनेक ताळतार दवरन तशें जोगासण केल्ली माग्गीबायेन – तेला तुपाचें खावोवन, खायना तर भेश्टावन.

तेवशीन केंपीक पेंड, कुंडो दोन मुटी चडच पडतालो. मेयांत जिवें तण मेळनातल्लें तरी खंयच्या खंयच्या तळ्या देगेन वचून तण सवरन हाडताली.

आमगेर दोदोन गुरवारी म्हण सांगून हासताली माग्गीबाय. एकेक फावटीं फुलचे जीव पळेवन रावताली. "बायम्माचो संभ्रम पळेया" म्हण शेजारचीं हिंद्वांगेलीं सांगतालीं.

सातव्या म्हयन्यांत गुरवारीक धाडचें कार्‍यें जाल्लें. पुताक सांगून सुनेक भांगराचो नेकलेस करून घालयिल्लो माग्गीबायेन. कितें चिंतुंनगी गुरवारीक धाडून दिताना रडल्ली. "पळेया..... बेसांव..." इतलें सांगल्लें मात्र आयकाल्लें.

पूत फाटीं लंडनाक गेल्लो. आगोस्त म्हयनो आयिल्लो. माग्गीबायेचे कळवळे सांगचे न्हय... अगोस्ताचो पुष्य पावस खंय तरी धरलो तर रांवचो न्हय तो. तें न्हय आसतां माग्गी बायेचें र आसचो जागो इल्लो तग्ग सुवात. हरयेका वरसा एक तरी आवर चुकनातल्लें.

खंत तरी आवर आयिल्ल्या तवळच सून बाळंत जालें तर आपणे कशेंबा पळेवंक वेचें म्हळ्ळी व्हड चिंता जाल्ली तिका. पूण हवामान बदल्ल्या वर्विंगी या तिच्या मागण्यानगी त्या वरसा पावस चड नातल्लो. एका सोमारा खबर आयिल्ली – बाळंत जालां, चेडो भुरगो म्हण. आपलीं थोडीं पोरनीं कापडां पिंजून बाळश्याक फाळियो करन, संतानाबाक गाब गायेची खबर घेवंक सांगून ती आस्पत्रेक धांवल्ली.

आस्पत्रेंत बाळश्याक हातीं घेवन दोळे भर पळेले तिणें. बाळशें जांबायो काडतालें. "वेग्गी त्या आमायगेर थावन ह्या आमायगेर योरे बाळा. तुका केंपिचें दुद्दू दितां. व्हयरे बाबा.... तुकाचरे.... आनी कोणायकी ना... जायतगी. आतां ताती कर हां"

सासुमांयचो संभ्रम पळेवन सून पुरासणेंतय हांसतालें.

सप्तेंबरांत भुरग्याक पाळण्यांत दवरलें. थोड्या दिसांच्ये सुटियेर पूत परत आयिल्लो. पुताक कामाक फाटीं वचूंक आसल्ल्यान पाळण्यांत दवरन दोन दिसांनींच बांळती बाळश्याक आपोवन हाडल्लें. त्या दीस माग्गीबाय सिंतिमेंताळ जाल्ली – 'कितलेश्या वरसांनी ह्या घरांत बाळशें रडलें' म्हण सुने तेवशीन देकताना, सुनेक आपणें आवय जाल्लें सार्थक जालें म्हण भोगल्लें.

पूण कितेंगी त्ये सांजेर धग चड जाल्ल्यान आनी करेंट नातल्ल्यान बाळशें सळ करन रडतालें. तेवशीन गोट्यांत गाय बसताली, उटताली. गाय वेगींच वासरूं घालता म्हण कळल्ल्या माग्गीबायेन संतानाबाक धाडून पल्तडी जुंव्या थावन पिली कोबू हाडन दवरल्लो – वासरूं घालतच वार वेगीं पडूंक.

वासराक निदांवक तण हांत्रून, गायेकयी पालो हांत्रिल्लो. गायो सयत व़ासरूं घालताना उगतो जागो पसंद करीनांत तें जाणा आसल्ल्ये माग्गीबायेन गोट्याक एक मडल आड दवरलें. फुडलद गायेचे कष्ठ पळेवंक जायनासतां भितर गेली माग्गीबाय. संतानाबाक गायेचेर एक नदर दवरुकं सांगून रांदच्या कामार पडली.

काळोक पडलो म्हणताना झोडवारें सुरू जाल्लें. पावस शिरांधारींनी वोतूंक लागलो. माग्गीबायेक कावजेणी सुरू जाल्ली. गाय उटताली बसताली शिवाय वासरूं घालनातल्ली. दात्तेराक आपोव्यां म्हळ्यार त्या पावसांत वेचें साध्य नातल्लें.

घड्येक एक फावटीं रडचें बाळशें, गोट्यांत कष्टुंची गाय म्हण रातभर दोळ्यांक नीदच पडलीना तिका.

सकाळ जाताना तिका इल्ली नीद पडल्ली. संतानाबान गाय वासरूं घाल्ली खबर दिताना, पुरासाण भोगताली तरी, सुडसुडें उटली. गायेची वार पडल्ल्या तक्षण पळेवन, वार

पुरची गर्ज आसल्ली. गायेन वार खेली तर नातवाक दूद मेळचें ना म्हण गोट्यांत राक्ते रावली माग्गीबाय.

पावस रावूंक नातल्लो तरी वारें रावल्लें. दोनी बांळतेर बऱ्यान जाल्ल्याक देवाक अर्गां दिलीं तिणें. ह्या फावटीं दूद विचारल्ल्या शेजाराच्यांक ना म्हण सांगल्लें तिणें.

"म्हज्या नातवाक आनी सुनेक पावल्यारच व्हड" म्हणताली ती. गायेन दिंवचें दोन तीन लीटर दूद बाळशें खंय पियेता म्हण हासतालीं शेजारचीं.

"ताका जावन उरल्यार आमकां जालें. तें न्हय आसतां बाळश्याक पळेवंक येतल्यांक एक घोंट च्या करीजायगी नाका" म्हण तांचें तोंड धांपयिल्लें तिणें.

पावस वोतुनच आसल्लो. दोनपार जावन येताना घरा मुकल्या नंयत उदक भरून आयलें. "काळ बदल्ला" म्हणाली माग्गीबाय शेजारच्या कुष्टू पुजारी कडे "ना तर सप्टेंबरांत हो कसलो पावस गी. आनी दोन दीस सोडल्यार मोंती फेस्त. हें पळेल्यार आवर येंवचे बरीं आसा."

आनी सांजेर आवर आयलेंच, सरोप आयिल्ल्या बरीं. दोनपार वरेक नंयत आसल्लें उदक, केदळा हितलांत रिगलेंगी, केदळा आगंणांत चडलेंगी, आवराची ल्हान ल्हारां घरच्या मेटांक मारतालीं.

माग्गीबायेक भिरांत सुरू जाल्ली. घरची भिरांत नातल्ली तिका. इतल्या वरसांनी कितलीं आवरां आयल्यारी घरचीं सात मेटलां चडन वयर येंवक नातल्लीं. नंय तडिच्या हेर घरां बरींच हें घर सयत उबार पंचांगार बांदल्लें. तिका चिंता लागल्ली गोट्याची.

एदोळ वरेक गोट्यांत उदक पावूंक नातल्लें. उदका देंवतेचो वेळ जाल्ले निमती आवर चडचो वेगयी निंवल्लो. पूण चंद्रेम उदेताना परत उदकाची भरती सुरू जाता. आवर चडलें तर?

"पुता" म्हणाली ती "कितें करचेंरे आतां? आवर आनिकी चडल्यार गोट्यांत उदक भर्तामुरे. वासरू घाल्ली गाय, तरनें वासरूं, म्हाका अंतू तकलीच चलते ना."

पूत आवराचे फोटे काडतालो डिजिटल कॅमरांत – लंडनांतल्या ताच्या सांगात्यांक दाकोवंक.

"काय जायना मांय. तूं वोगो राव पळेंयां" इतलें सांगून तो बायलेच्या कुडांत रिगलो – आवर पळेवन कळीत नातल्ल्या बायलेक धयर दींवक.

तें बावडें सगळें शेर्मेल्लें.

इल्ल्या वेळान वचून घोवालागीं बसली माग्गीबाय. "अळेने सायबा. रातीक आवर

चडल्यार गायेक हाडन चावडेर बांदीजे. इल्लिशी दोरी आनी टॉर्च तयार दवरी."

"एक उतर तांकांय सांगून कितें करचेंगी विचार सायबिणी" जागयलागलो संतानाब.

"हांतूं विचारचें कितें? पयलें आमी तेंच करतल्यांव न्हय?"

संतानाब चड उलोंवक वचूंक ना. गायेचेर तिका आसचो मोग ताका कांय नवो न्हय. तो उटून गायेक बांदूंक कय्याळ हाडूंक गेलो.

माग्गीबाय उटून वासराक बांदच्या कय्याळाक भोंवारीं रेवडावंक म्हण भाणशिरें तलास करुकं भितर गेली – नवीच दरग दोरी वासराच्या गळ्याक अडचुनजो म्हण तिचो हुस्को. कुजनांत खंयचींय वस्तुरां समा मेळ्ळींनांत तिका.

सुनेलागीं एक फाळी विचाऱ्यां म्हण तांच्या रुमा कुशीन गेली. भितर बसून घोव बायल कितेंगी उलयतालीं.

"अळेगो" आपयलागली सुनेक "म्हाका वासराक बांदूंक एक फाळी जाय आसल्ली. एक चडतीक आसल्यार दितायगी."

बागील काडून सून भायर आयलें.

"ह्या पावसांत भुरग्याकच फाळियो नांतमू मांय. धुल्ल्यो सुकुंकय नांत. फाल्यां पळेयां. जायनांगी?." माग्गीबायेक कितें सांगचेंगी कळ्ळें ना. थंयच वणतीक वणकून बसली. कितेंगी सांगूंक म्हण गेली पूण उतरां भितरच उरलीं. भायर वोतून आसच्या पावसाक पळेत रावली ती.

काळोक जाल्लो. भरतेचो वेळ जाल्ल्यान उदक परत चडूंक सुरू जाल्लें. अमोरी करन भायर तिळ्ळ्यार उदक दोन मेटलां वरेक पावल्लें. गोट्यांत गाय हांबेताली.

माग्गीबाय पुता लागीं धांवली. "अळेरे, गोट्यांत उदक भरलें म्हण दिसता. पप्पाक घेवन इल्लें गायेक हाडन मुकल्ये चौकेंत बांदरे. काळोकांत ताका एकल्याक जायना."

पुताच्या तोंडार विचित्र हासो उदेल्यो "कालें म्हणताय मांय तूं. गायेक चौकेरगी? तुका मांड्डो समा आसामू. पोयरच घर सगळें समा केलां."

"पयलें आमी तशेंच करतल्यांव न्हयरे. उडास नांगी तुका. आज एक रातीं सुधार्सून घेया. फाल्यां दुसरी कितें तरी वेवस्ता करयां" परात्तिलागली ती.

"तूं इल्लें वोगो रावतायगी. गाय हांगा हाडची नाका. गाये सांगाता निदचे दीस गेले. तें न्हय आसतां घरांत ल्हान बाळशें आसा. गायेचें मूत, शेण सक्कड हांगा पडून किमसां जाल्यार?" कडक्क सांगलागलो तो "एक रातीं उदकांत रावल्यार गायेक कांय जायना".

माग्गीबाय मोनी जाल्ली. थंयच कुस्काली ती. थंड टैल्स तिका उज्याबरीं भोगूंक लागले. परत वारें सुरू जालें. खंयगी एक माड परताल्लो आवाज जालो. दुसरे घड्ये करेंट गेलें.

फॅन रावलें म्हणताना बाळशें उटलें. बाळश्याच्या रडण्यांत वासराच्यो क्षीण बोबो कोणाकी आयकल्यो नांत.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं, बाळशें रडच्या आवाजाक, पूत उटून भायर येताना आवर नयंत पडल्लें.

माग्गीबायेच्ये जिण्येचो एक वांटोशी आसल्ली गाय, शेळ चडून मरून पडल्ली. वासरूं गळ्याक दोरी अंरदून मेल्लें. रातीक कानांत वारें रिगल्लेंच वासरान उडकाणां घाल्लीं जायजे. उडल्लें वासरूं उदकांत पडल्लें.

"आमी घर रिपेरी करुकं नातल्लें तर, आज म्हजी गाय, वासरूं उरतीं."

गायेक पुरुकं फोंड काडूंक आयिल्ल्या दिवरांच्या कुष्ठुकडे सांगून माग्गीबाय दुकां गळयताली. रडच्या नातवाचेर तिचें गुमानच नातल्लें.

आवरान सोडन गेल्ली मळपी आंगणभर मांडल्ली.

2006

*मळपी= मळकें, चिखोल, मळ.

काकूस

जास्मिनान कुडती घेवन सोण्णाचेर बळान धाडायलें... सोण्णाची शीर फुटली आनी किरकुसो भायर उसळ्ळो. धाडायतां धाडायतां ताका सकाळीं फुडें काकसांत आसताना जाल्लें घडीतच मतीक येतालें. सोण्ण सारकें कुसूंक नातल्लें. रुकाची कुडती सोडन लोंकडाची कुडती घेतली ताणें.

सकाळींचीं कांय स या साडे स जातीत. हरशें गेल्ल्याबरीं काकसाक गेल्लें तें. दीस उदेल्या उपरांत काकसाक वेचें म्हळ्यार जायनातल्लें ताका. ह्या जुंव्यां वयलो काकूस म्हळ्यार कितें सांगचें? घरा फाटल्या उदका तोडांत एक खांबो पूरन, दोनयी भोंवारी च्यार वोळल्लीं मडलां आड बांदून तयार केल्लो ल्हानसो घूड. ताका एक मडलांचेंच बागील. ती बरी दाटच आसल्ली तरी ताका उजवाडाचें सारकें जायनातल्लें. पूण पोटांत दाब येनासतां, काकसाक वचून कितें फायदो.

आज मात्र कित्याकगी ते फाटीं कोणगी रावून आसा तशें भोगलें ताका. घरा फाटीं आसचें रेबेलागेलें घर. फक्का सकाळीं फुडेंच कालवां काडूंक वेतालो... ताणें येंवचें दोनपारांच. फक्काची आवय जास्मिना गेल्यांबरींच सूंब वोळचें काम करताली. ती कांय सोण्णा मेजूंक आयल्या दिसता म्हण चिंतून समाधान करन घेतलें ताणें. आनी कोण येतात ह्या भितरल्या तोडाक...

जास्मीन काजार जावन आयिल्ल्या दुसऱ्या दिसा ताच्या घोवान बांदल्लो काकूस तो. ताच्या पयलें सक्कडयी तोडांतच काम चलयतालीं. तांगेर आसल्लीं तरी कोण, पूत आनी म्हातारीं आवय बापय. तांकां दुसरो काकूस कांय गरजयी नातल्लो. तितलें कित्याक जास्मिनाचो मांव आतां जाल्यारी तोडाकच वेतालो. ताका तेंत बसल्यार बांदल्ले बांदल्ले बरीं जाता खंय.

घरांत जास्मिनाचो घोव न्हय आसतां दुसरे दोग पूत आसल्ले. ते बोंबय लोटे धुंवक गेल्ले. दोन वरसांनी केदना तरी आयल्यार तांकांय कांय काकूस जाय म्हण नातल्लें. ल्हानपणा थावन चलून आयिल्ली रिवाज तेय मुखारशिताले.

जास्मीन हेम्माडिचें. गुड्या गांव. घरा तितलीं कांय अनकूल न्हय तरी मऱ्यादिचें घर आसल्लें. दरबस्त मेळच्या मुऱ्या फातरांनी जास्मिनाच्या बापायन एक सारको काकूस बांदल्लो. पयिल्ल्या दिसा घोवा लागीं आपणाक काकसाक वचजे म्हण विचारताना ताणें तोडा देगेन बोट दाकयिल्लें. जास्मिनान समजूंक नातल्ल्याबरीं ताकाच पळयलें.

“कालें पळेताय. तोडाच्या तकलेर इल्ली कळी वाडल्या. ताच्या फाटीं बस. हांगा

सकडांनी तशेंच" म्हणताना जास्मिनाक उमाळून आयिल्लें. कुत्त करन थंयच बसलें तें... "जायत... तूं तोडाक वचून यो. हांव एक घडी शेजारा वचून येतां" म्हण सांगून तो चलतच रावलो.

जास्मीन बसलें, बसुनच उरलें. सासूमांयन आपयलें "जेस्सी... पॅज जालागो. यो. जेव"

"म्हाका नाका मांय" दाट्ट ताळ्यान म्हणालें तें.

"कहलेंगो, जेविनायगी" हातीं दोय घेवन भायर आयली ती.

"कितें कुळाराची खंतगी. सक्कड संवय जाता पऱ्यांत मात्र. मागीर समा जाता. यो जेव."

तिका पाप कितें कळीत हाची खंत?

"हो खंय गेला?"

"शेजारा" जिवाच्यो वोडी सांबाळीत सांगलें ताणे.

"सुरू जालेंगी हाचें गांव भोंवूंक. त्या फक्का सांगाता हाकाय पट्टांगां मारचेंच काम. आज कांय तो फक्का कालवां काडूंक वचूंक ना दिसता..." पुरपुरत्त भितर गेली ती.

"मांय" जगले वयलें उटून भितर गेलें तें "आमकां एक काकूस बांदूंक जायना? म्हाका तोडाक वचूंक समा जायना."

"काकूस खंय पुता? तें पूरा व्हडल्यांगेलें. ह्या तग्ग जुंव्यार काकूस म्हळ्यार पंचांगाकच जाय धा वीस हजार. तुमचे बरीं गुडो जाल्यार उण्यार जायत. ताकाच आमकां तोडच गत" सांगीत्त गेली ती पेज वाटलेंत वाडन घेयत... "तूं जेविनायगी?"

"ना" मोटवी जाप दीवन भायर आयलें तें. तिचे लागीं उलोवन कांय फायदो नातल्लो. पोटांत मुरडूंक सुरू जालें परत. लांब स्वास घेतलो. इल्लेशें समाधानशें जालें ताका. घोवाचीच वाट राकत्त रावलें तें. चेडवांक जीव तडवून घेंवचो कांय नवो न्हय – अशें चिंतीत सोप्यार बसलें. चल्ल्यार जिवांत आकांत चड.

कसोय आदान दवरचो वेळ जाताना, पोटांतलें वयर गेल्लेबरीं जालें. इल्लेशें सुडाळ जालें. वचून सासूक कुमक करच्यार पडलें. त्या दिसा सांजे म्हणसर कशें सोसलेंगी ताणें तेंच जाणा. इल्ल्या वेळाक म्हण गेल्लो घोव सांज जाताना आयिल्लो –फक्का सांगाता बळपाक गेल्लो खंय– मस्त मासळी घेवून आयिल्लो.

"जेस्सी, घे... माळी सुटी कर. तुका गम्मत आज. बरी माळी मेळ्ळ्या" दरबारान सांगालो तो.

आवाज आयकून आवय भायर आयली. “खंय बळवटी गेल्लोयरे. तें पळय... कालें म्हण सांगना. जेवंकच ना.”

जास्मीन उट्टून भितर गेलें.

“कालें जालें तुका” भितर येते विचारलें ताणें.

“जांवचें कालें. तुमच्या गांवांत एक काकूस गत ना. सकाळीं थावन जीव गेल्लेबरीं आसा म्हाका. तूं आतां आयलाय.” रडकुन्या ताळ्यान सांगलागलें तें “म्हाका गोत्तुना. कालें मुणी कर. म्हाका गोत्तुना.”

“अय्यय्या... कालें तुवें. रावल्ल्या पांयार काकूस म्हळ्यार खंय वयचें. आज एक दीस तडवून घे. फाल्यां कितें तरी करयां” कितें करचें म्हण नेणासताना भायर गेलो तो.

तसो तयार जाल्लो तो काकूस. जास्मिनाच्या घोवान शेजारच्या फक्काक सांगाता घेवन बांदल्लो. एक आब्यांचें केबें तोडांत पूरन, माळ्या वयलीं दोन फोळीं आड घालन, भोंवारीं ती बांदून, उपरांत मडलांचेंच एक दार तयार जाताना सांज जाल्ली.

घोवाक आनी कुमकेक आयिल्ल्या फक्काक जास्मिनाची सरबरायच सरबराय. लिंब्या रोस, च्या म्हणून, तेच्या मडलांक दोरी बांदूंक, कोयती हाडन दींवक म्हण सगळो दीस सांगाताच रावलें तें. फक्का बरो हुशार कामागार... ताची कामाची चलाकी, हास्कुरें तोंड – जास्मिनाक विसवासाचो जालो तो.

“जालें जेस्सिबाये. हांव वयतां” म्हण फक्का चलताना, जास्मिनान ताचो उपकार बावुडलो.

“मस्त उपकार जालो तुजो”

“आसूं आसूं. शेजारी न्हयगी तूं” हासून चल्लो तो.

त्या दीस थावन समाधानान आसल्लें जास्मीन. हळतान घोव कोणागेर कामाक या गाद्या कामाक वेताना हेवशीन जास्मीन सुंब वोळूंक शिकून, सासूमांयक आधार जातालें. ताका हें घर, गांव ताचोच म्हण भोगूंक लागलो.

तशें आसल्लें समाधान आज सकाळीं भिगडल्लें. काकसा फाटीं आवाज आयकल्या उपरांत. सोण्णां धाडयताना सयत ताका ताचोच जोप. पूरा ‘आपणाचें चिंतप’ म्हण समजून समाधान करन घेवंक प्रेतन केलें.

दोनपार जावून येतालो तरी आनिकी पन्नासालागीं सोण्णां धाडावंक आसल्लीं. आतां धाडावन जांवचें न्हय म्हण चिंतल्ल्या ताणें, सोण्णा धाडांवचें रावोवन कातो धुवंक

धरलो. सुकती जाल्ल्यान तोडांत चड उदक नातल्लें. कसोगी कातो धुवन काडन सुकोवंक गेलें तें. माडांच्या काट्यार, बारीक तण आसल्ल्याकडे, मडलांचेर, रेंव नातल्ल्या जाग्यांनी... तें अशें कातो सुकयत आयलें.

"कालें जेस्सिबाये, जालेंगी आयचें काम?" फक्काचो ताळो आयकून तें तेवशीन घुंवलें.

ताच्या आंगार एक ल्हान मुंडू सोडल्यार दुसरें कांय नातल्लें. कालवां काडूंक गेल्लो फक्का घरा वेते आसल्लो दिसता. बरो दढंग जीव ताचो. आपल्या चिंतपा भायर ताचे दोळे एक खिण फक्काचेर रावले.

"आनिकी पन्नास साट सोण्णा आसात सायबा... सोमारा सांतेक सुमार पेंडियो जायजे. फाल्यां जालें आनी. आतां रांदूंक आसा. कडियेकयी थीर ना आनिकी. उपरांत दोन वांवां सुंब वोळिजे" तें अरध्या मनानशें उलयलें "तुका कांय कालवां मेळ्ळींगी?"

"कांय सुख ना जेस्सिबाये. वेतानांच तडव आज. उदका आगोरी जाल्लें. तशें म्हणताना बुडूंकी जायना. जिवांती कांय समा ना आयलेवार" आंगा वयलो घाम पुशीत्त म्हणालो तो.

"च्यार कालवां आसात. जायगी तुका? हीं आनी खंय विकचीं?" विचारनासतां कालवां दिलीं ताणें.

"तुमकां?"

"म्हाका सदांय एकच, कालवां खावन पुरो पुरो जालां" आपलो इल्लो सुटल्लो मुंडू, समा बांदीत्त सांगलागलो तो. "तुमगेर कितें तरी बरें रांदल्ल्या तवळ आपय. सदांचें नाका . म्हाका."

"देव बरें करूं तुका" निरमळ हासलें तें.

त्या उपरांतले सुमार दीस अशेच कांय घडीत नासताना गेले.

त्या दीस आमास जाल्ल्यान सकाळींच तोडभर उदक आसल्लें. काकसाक गेल्ले कडे परत उदकाचो आवाज आयकलो ताका. पयलें कांय पिडतोळ म्हेळें खावंक आयल्यात दिसता म्हण चिंतलें ताणें. तरी समाधान नासताना वेग्गीं भायर आयलें.

फक्का कुरल्यो धरचें अड्टें घेवन कितेंगी सोदतालो.

"हो फक्कागी" क्षीण हासो हासलें तें "कितें... इतले सकाळीं सकाळीं."

"आमास न्हयगी. आतां कुरल्यो बरयो मासाळ आसतात. कुरल्यो धरुकं माणको पुणी मेळतागी म्हण पळेते आसां" बडी हालयीत्त म्हणालो तो.

"हांगा काल्याक सोदताय तूं. काकूस आसामू..." तोंड हिवळावन सांगलागलें जास्मीन. ताणें जुंव्यार येतर पिडतोळ खांवचें सोडल्लें.

"तो सुद्धाचार पूरा आमकां नाबा. येतां..." खंयगी कितेंगी दिसलें जायजे तेवशीन धांवलो तो.

जास्मिनाक परत असमाधान भोगूंक सुरू जाल्लें. कित्याकगी फक्काचें उलोवणें आयलेवार इल्लें बदल्लेलेबरीं भोगूंक सुरू जालें ताका. तें भोगप दीस सरतां सरतां घट जाते गेलें. आयलेवार ताची दीश्ट इल्ली सारकी नातल्ली न्हयगी – चिंतूंक लागलें तें. वयर उबारन बांदल्लें कापड सकयल देंवोवन, उरल्लो कातो सुकोंवक लागलें तें.

कातो सुकोवन हितलांत थोडीं मडलां कातरन वोळूंक भिजोवन जाताना सुर्यो मात्यार येवन जाल्लो. तोंडलांवक कितेंगी आनीकी थीर नातल्लें. घोव कितें पेंटेक वेतागी या कांय सुक्या मासळेची कडी करचिगी म्हण चिंतीत घरा आयल्यार, फक्का जगलेर बसून बिडी वोडतालो, जास्मिनाच्या घोवा सांगाता.

उब्देस भोगल्यारी उलयलें तें. "कालें सायबा. आज कामाक वचनांयगी?"

"ना जेस्सिबाये" म्हण दांत दाकयले ताणे. तो आनी मुकार उलोंवच्या पयलेंच घोवालागीं गेलें तें "कालें तूं... पेंटेक पुणी वेतायगी, माळी हाडूंक?"

"पेंटेक काल्याक. फक्कान कुरल्यो हाडन दिल्यात" आन्येक बिडी पेटयीत्त सांगलें ताणें... अपणाचें काम आनी जेंवचें मात्र म्हळ्ळ्या जिनसार.

"कुरल्योगी?"

फक्का उमेदीन उट्टून, धांपल्ली कुत्ताळी उकलीलागलो... कुत्ताळे पोंदा बाल्देंत पांच स कुरल्यो आसल्ल्यो. बाल्दी हालल्लीच त्यो परत चरूंक लागल्यो.

"पळे जेस्सिबाये, बरयो मासाळ कुरल्यो. सकाळीं सांगल्लेंमू तुका हांवें, कुरल्यो धरुकं वेतां म्हण. च्यार चडच मेळ्ळ्यो. तुमकां तरी जायत म्हण..."

"नाका आसल्लें. हांव तेंडलीं घालन आंबट करयां म्हण आसल्लीं, ना तरी सुकी माळी आसल्ली..."

"अय्यो... तेंडलींच घाल. तेंडल्यां सांगाता कुरल्यो बरयो जातात. म्हाका जीव."

आतां घोव जीव जाल्लो "व्हय व्हय... तशेंच कर. फक्का – दोनपारां घरा तुज्या मांयन रांदल्लें, कुरल्यो–सुकें खा. सांजेर आमगेल्या कडियेची रूच पळय. जेस्सिची कडी बरी जाता"

आतां पुरतें फसल्लें तें. चुकोवन घेंवक गेल्यार चडीत शिरकल्लें.

जास्मीन सरारां भितर गेलें आनी नारल कांतूंक बसलें.

मतींत हजार चिंतनां चलून आसल्लीं. भायर थावन घोवाचो ताळो आयकलो "हांव अशेंच वचून येतां." भोवशा गांव भोंवूंक भायर सरलो दिसता. जेवणाक समा जावन येता. नारल कांतचो मुखारसिलो ताणें.

आळेन वाटून, रगडो धुतेर, कुरल्यांचो उगडास जालो. तांचे दांगे मोडचें काम जेस्सीक बारी त्रासाचें. एक फावटीं प्रेतन करन कुरलेन चाबल्या उपरांत, तें काम ताणे घोवाक सोडल्लें. घोव तांतूं हेळल्लो तरी आज कांय उपकाराक पडचो न्हय. तें कोयती घेवन गेलें. कोयतेच्ये बोंचींत कुरल्यांक कोचावन, दांगे मोडले आनी नितळ केले. कडी तयार जाली तरी, रूच पळेंवचें मन जावना ताका. अंदाजान मीट घालें आनी घोवाक राकूंक पडलें.

सांजेर जास्मिनाच्या घोवान सांगल्लेबरीं फक्का जेवणाक आयिल्लो. सांजेर पेंटे थावन दोगी सांगाता घरा आयिल्ले. हळत सोऱ्याची मूर मारताली. फक्का इल्लें चडच हासून उलयतालो. कशेंगी मन घट करन वाडलें ताणे.

"जेस्सिबाये, तुज्या हाताची रूच म्हळ्यारी..." फक्का वारें घालतालो.

घोवाक परत चाळवालें...

"अळे, फक्काक कडी बरी जाली खंय... आनी इल्ली वाडने... तूं दाक्षेण करनाकारे फक्का... भूक थांबता पऱ्यांत जेव..." उमेदीन सांगलें घोवान. हरशें पियेनातल्लो तो. फक्का सांगाता कांय इल्लो पियेवन आयिल्ल्या तवळ ताचीं उतरां भारीच जोर.

"हे हे... हेंय म्हजेंच घर आसल्ल्याबरीं न्हयगी सायबा?" जास्मिनाचेर दोळे जोकून सांगलें ताणें.

"हांव कडी हाडतां" नीब काडन, जास्मीन भितर गेलें. ताका कडियेंतल्यो कुरल्यो आंगभर चरल्ल्याबरीं भोगलें. कुंडल्यांत आसल्ल्यो पूरा कुरल्यो तोपल्यांत घाल्यो आनी भायर दवरन आयलें. भितर येवन शिताक इल्लो लोणच्या खोळ घालन दोन उंडी जेवलें तें. कुरल्यां कडियेचेर ताका कांठाळो आयिल्लो.

तें जेवन भायर येताना दोगी दादले भायर जगलेर बिडी वोडीत्त बसल्ले. इल्ल्या वेळान फक्का उटलो "रात दाट जाली. तुमी निदा... हांवयी घरा वेतां." लुंगी उकलन वयर बांदीत सांगलें ताणें "जेस्सी बाये, तुजें जेवण बरें जालें. आन्येक फावटीं कुरल्यो धरल्यार पूरा तुकाच दितां."

ताची दीश्ट आपल्या हरद्यार खेळता तें स्पष्ठ आसल्लें.

जास्मिनान पालंव सारको केलो आनी घोवा तेवशीन चोयलें. तो धुंवर सोडच्यांत मग्न आसल्लो.

"जायत, भितर इल्लें काम आसा" मोटवी जाप दिली आनी भितर गेलें. ताका बरें करन न्हायजे म्हण भोगलें आनी तुवालो घेवन न्हाणिये तेवशीन गेलें.

फाटीं येताना घोव तेदळाच मांद्री सोडोवन निदल्लो. तें लागीं येवन निदल्लेंच हेवशीन घुंवलो, ताचें काम तिरसिलें आनी निदलो. सोऱ्याचें आमाल जायजे, इल्ल्या वेळान हळत घोरेंवक लागलो. जास्मिनाची मत मात्र स्थिमितार नातल्ली. आंगांतली सकत सगळी वोडन काडल्लेबरीं भोगलें ताका.

पूण कितेंय कोणाकडेय सांगच्या बरीं नातल्लें. हीच काणी आनी कितले दीस... घोवाक उटोवन सांग्यां म्हण चिंतलें ताणे. पूण वोगेच रावलें. रातीचो काळोक खांवक येतालो. भायर पातळ चांदने पडल्लें. जनेला थावन दिसच्या एकोड्या नेकेत्राक तें पळेत्त रावलें.

कुळाराचो उगडास आयलो ताका. बापायच्या खुस्तार आसल्ली ती भद्रती घोवा खुस्तार नातल्ली. एका थराचो... लेकाक आसा, कामाक ना म्हणच्या तसलो बेजवाब्दार घोव. ताची कितेंय चूक बोट उकलन दाकोंवच्या बरीं नातल्ली तरी जास्मिनाक समाधान नातल्लें.

जनेला थावन दिसचें एकोडें नेकेत्र एका खिणाक मायाग जाल्लेशें भोगलें ताका.

तें धड करन उट्टून बसलें. भायर पळेताना, जनेलालागीं रावून फक्त भितर तिळून आसल्लो.

जास्मिनाच्या आंगार शिरशिरो धांवलो. ताणें घोवाक धोंकळावन उटयलें. फुरपुरात उट्टून भायर गेलो तो. जास्मीन हुस्कारूंक लागलें. मांय मांव जगलेर निदल्लीं... आवाजाक एक फावटीं उटलीं आनी घुंवून निदलीं.

इल्ल्या वेळान घोव फाटीं आयलो.

"तूं एक काल्याक रडताय सायबिणी. पाप ताका सांजेर पियेल्लें इल्लें चड जालें खंय. घरा वेची वाट चुकून आमच्या हितलांत पावलो. ताका हाताक धरन घरा सोडन आयलों. यो यो... निदे"

दुसऱ्या दीस जास्मीन कुळारा गेलें. ताका घोवागेर फाटीं येंवचें असाध्य तशें भोगलें. पूण सारिपुरी कुळारा रांवचेंय जांवचें न्हय.

ह्या येमकोंडा थावन सुटूंक आसच्यो दोन वाटो. एक ताणें, त्या फक्कान, मरता म्हणासर हांवें कुळारा रावजे या दुसरेकडे घर बांदिजे. व्हय घर बांदिजे. पूण घर बांदूंक दुडू खंयचो हाडचो. सुंब वोळन या बेसाय करन घरदार केल्लेबरीं ना. घोव एकलो आसा – मन जाल्यार कितें पुणी जोडलें. ना तर ना.

आपणेंच कितें तरी करिजे. ताचो निचेव बळ जालो.

थोड्या तेंपान, थंय हांगा खबर काडन, तें आया कामाक म्हण बोंबय गेलें.

*****

सुमार स वरसां उपरांत आज परत जास्मीन घरा आसल्लें. घराचो सुरूप आतां सगळोच तब्दील जाल्लो. तब्दील केल्लो. पयलें बोंबयच्या, उपरांत दोन वरसांच्या कुवेयटच्ये जोडीन. पाकें नळ्याचेंच आसल्लें तरी धरणीक मारबल घाल्ले. उगत्या घरा मुकार जगलेक आतां दळी आयिल्ली. पंचांगाक कालिकी बांदयिल्ली पावसाळ्या दिसांनी, आवरावेळीं घराक मार बसूंक नजो म्हण... आनी घराभितरच काकूस.

जिण्येक एका थराची भद्रती लाभल्लेबरीं भोगलें जास्मिनाक. मांव सरल्लो पूण ताचो फरक कांय दिसनातल्लो. मांय हरशेंचेबरीं आपल्या कामांत मग्न आसताली.

जास्मिनाचो घोव तरी आतां इल्लो जिवान फुगून बरोच दिसतालो. ताणें आतां कामाक वेचें रावयिल्लें. जास्मिनान नोव–धा मुडे तांदूळ जांवचे तितले गादे मोलाक घेतल्ले. तो त्या गाद्याचें काम पळेवन घेतालो.

अशें जिण्येक एक थिरासणशी भोगल्ल्यान जास्मिनान आनी कामाक वेचें न्हय म्हण चिंतल्लें. काजार जावन सुमार साडे स वरसां जाल्लीं आनी एदोळ म्हणासर तांणी कुटम बांदूक नातल्लें.

इतल्याक पूरा कारण, बरयाक आनी पाडाक, तो काकूस आनी फक्का.

जास्मिनाक हासूंक आयलें.

विषण्ण हासो.

जिण्येंतलीं स वरसां घोळून गेल्लीं सांगाताच थोडें बरेपणयी जाल्लें. आतां परत जिणी जियेंवचो वेळ.

फक्काय आतां काजार जावून, दोगां भुरग्यांचो बापय जाल्लो. वाटेर मेळल्लो... मस्त भागलासो दिसतालो. भोवशा कुटमाची जवाबदारी आनी जोडिचे कष्ठ आसतले चिंतलें जास्मिनान. ताका पळेताना आपणाक पयलेंचेबरीं कावजेणी भोगूंक नातल्ली उगडासाक

आयली. जावंक पुरो इतल्या वरसांचो अंतर ... जांवक पुरो या जिण्येक मेळ्ळी थिरासाण.

एक लांब श्वास सोडून घरच्ये नितळायेक लागलें. घर नवेंच जाल्लें तरी घरांत एक शिस्त नातल्ली तें पयल्या दिश्टिनच दिसतालें – जास्मिनाच्या गैर हाज्रेची रुजवात तशें.

नितळाय करून बसताना सांज जाल्ली. जास्मिनाचो घोव आज वेग्गीं घरा आयिल्लो. जास्मिनानयी तांचें कूड इल्लें बरेंच करन सजयिल्लें. कुवैट थावन हाडल्लो रूम फ्रेशनर आपल्या रूमाक मात्र इल्लोसो मारल्लो.

उमाळ्यांनी तें रात जांवचें राकून आसल्लें. एक आपल्या घोवा संगीं एकसुरपणीं खरचूंक, आन्येक ह्या फावटीं आपणें फाटीं वेचें न्हय म्हण केल्लो निरधार ताका कळोंवक.

ह्या साडे स वरसांनी, हरयेक फावटीं तें फाटीं वेताना ल्हान जांवचें ताच्या घोवाचें तोंड चिंतून ताचें काळीज मोवाळ्ळें. तरी आनी मुकार तशें जांवचें ना. घरांत एक बाळ आयलें तर, मागीर संतोसच संतोस.

त्ये रातीं वेगळाचारान थकल्ले दोन जीव सांगाता मेळ्ळे. जास्मिनाक पयल्या राती प्रास हीच रात जर पयली रात जाल्ली तर कितली बरी आसती म्हण दिसली.

घोवाच्ये वेंगेंत कोवळून निदल्ल्या जास्मिनान घोवाक धोंकळायलें "अळेने, तुजे लागीं एक सांगिजे म्हाका"

"कालें?"

"हांव सगळो दीस तुजे कडे सांगिजे म्हण राकते आसल्लीं. तूं मेळुंकच नांय."

"हांवगी... पेंटेंत इल्लो वेळ जालो."

"खंय गेल्लोय... हांव आयल्यां तरी तुका पेंटेरच मन"

"तशें न्हय सायबिणी" ताका पोटलून म्हणालो तो "म्हाका गोत्तुगी, सांजेर येताना निरोध हाडुंकच उगडास ना. घरा लाग्गीं येताना फक्कान विचारलें – कालें सायबा... आज गम्मतगी? बायल आयल्या... तयारी करनच आयल्या दिसता... – म्हाका तेदळाच उगडास जालो. मागीर करचें कालें? हांवें ताचेकडेच एक विचारलें. एक विचारल्यार ताणें च्यार दिलीं. मागीर ताचेकडे इल्लो वेळ उलयत बसलों. थंयच वेळ जालो"

जास्मिनाक एकाच्छाणें हरद्याक खोटायिल्ल्याबरीं जालें. "तुवें फक्कालागीं विचारन हाडलेयगी ते?"

"आनी कालें करचें? हांगा थावन पेंटेक वचून येंवक जातागी? तें न्हय आसतां, तूं इतल्या दिसा उपरांत मेळ्ळांय." ताणें जास्मिनाक परत आरायलें.

"फक्का विचारतालो – कालेंरे तुमकां, कालें भुरगीं गिरगीं करची आयड्या आसागी ना? आनिकी अशेंचगी? कितले दीस म्हण?"

जास्मिनाचें तोंड आपणा तेवशीन घुंवडावन विचारीलागलो तो "व्हय, आमी केंदळा भुरगीं करचें? फक्का म्हणतालो – चड वेळ केल्यार मागीर कष्ठ खंय. तो तुका रावूंक सांग म्हणतालो. म्हाका – तुवें जोडीना तर खरचाक कितें करचेंच म्हळ्ळो हुस्को. तूं कितें म्हणताय?"

तें सट्ट उटून बसलें. तकली घुंवळ आयिल्ले बरीं भोगतालें ताका. सांजेर जेवल्लें सक्कड उमाळून आयिल्लेशें जालें आनी तें काकसाक धांवलें.

ताणें बळान वोंकारे काडले तरी वोंकूंक जालें ना. सगळ्या जिवांत अस्कत अस्कत भोगलें ताका आनी तें वॉश बॅशिनाक धरून हळतार सकयल कोसाळ्ळें आनी कसकसून रडूंक लागलें.

काकसाचीं दारां कोसळून पडून आपूण, फक्का मुकार, विणगिंच उबीं तशें भोगलें जास्मिनाक. घोवाचें तोंड काकसाच्या फोंडाच्याकी चड हळशीक दिसलें ताका.

ताणें फ्लश केलें.

विणल्लीं स्वपणां, गांवांत रांवचो निरधार, घोवा आनी भुरग्यां संगीं प्रसन्न जिणी... सर्व काकसाच्या फोंडांत पडून, म्हेळीं जावन, व्हाळून वेतालीं...

2007

(कुडती = मोटवो सोंटो. किरकुसो = सुंब वोळूंक कुसत घाल्ल्या सोण्णांतलो कातो काडल्या उपरांत उरचो चिखोल. तोड = नंयचें उदक पोरसूं भितर येंवक खोंडल्लो बारीक व्हाळ. आगोरी = नंयंत उदकाक भरती येंवचो वेळ. पिडतोळ = शेवट्याबरीच दिसची नंय आनी तोडांनी आसची मासळी. कुत्ताळी = मासळी धरूंक वापरची बारीक वाश्यांनी केल्ली साहेत. कळी = नंय तडीर वाडचें एका थराचें तण. जगल = सोपो, चावडी. बळपू = मासळी धरुकं वापरची मडलाच्या तरन्या चुडेंतिची साहेत. केबें = रुकाच्या दोन फांट्यांचो वांटो. आंबाट : मोगें, तेंडलीं तसल्या रांद्वये भरशीं दाळ घालन करची कडी. रगडो = आळेन वाटूंक वापरचें वान आनी घाटणो.)

स्किड

एकाच्चाणें हांवें ब्रेक मारली... म्हजें कार मुकार आयिल्ल्या ट्रकाक मारचें मारचें चुकलें. "फक इट. लुक औट मॅन" म्हजे लागीं बसल्लें कॅरन खिळंच मारून बोबाटलें "आर यू ऑलरैट?"

"सोरी...सोरी..." म्हळें हांवें कार सांबाळीत्त... म्हजी बायल जाल्लें तर "ये जेजू" म्हणते आसल्लें कोण्णा. हांवें दीग श्वास काडलो.

म्हजें काजार नोवेंबरांत जाल्लें. जानेरांत कामाक भरती जातां म्हण बेंगळूर ऑफिसाक गेल्यार, मॅनेजर म्हाकाच राकून आसल्लो. "ये..ये..." म्हाका पळयतच ताणें आपयलें. "तुका बिस्नेस ट्रिप्पार एका म्हयन्याक यू.के. वचूंक आसा." म्हाका आंगार शेळें उदक वोतल्ले बरीं जालें.

"उण्यार उणें एक म्हयनो, काम मुखार गेल्यार तीन म्हयने म्हणसर जांवक पुरो. तुजो पासपोर्ट ऑफिसांत दी. ऑल दी बेस्ट" म्हज्ये जापीक सयत राकनासतां सांगात्त आसल्लो तो. काजार जावन समा दोन म्हयने सयत जांवक नांत आनी हाणें भोंवूंक वच म्हणताना, कितें सांगचें म्हण कळूंक ना म्हाका. काजार जाल्या उपरांत दोन वरसां तरी सांगाताच रावजे म्हळ्ळ्या म्हज्या वरसांच्ये आशेक वाळय धरुकं लागल्ली.

बायलेची सारकी वळक सयत जांवक ना म्हळ्ळी खंत एक कडे तर आन्येके देगेन वचून आयल्यार थोडे पयशे जातात म्हळ्ळी आलोचन. कांय ना तर काजाराक काडल्लें रीण तरी फारीक जाता. "फाल्यां सांगतां" म्हण मॅनेजराकडे इल्लो वेळ घेतलो.

सांजेर घरा फोन केलो. घरा सकडांय संतोसतालीं. "तुजी बायल लक्की सायबा" म्हण वाक्मूल ताचेर. हांवें म्हजें रजार सांगल्यार जास्मीन "चड म्हळ्यार तीन म्हयनेमू? इल्लो साक्रिफीस केल्यार आमकांच बरें नैंगी? घडयेन वेतात तीन म्हयने" म्हणताना म्हाका चिक्क जाल्लें. तें 'वेचें नाका' म्हणता म्हण हांव चिंतून आसल्लों.

पूण ताणे राजांव उलयताना म्हाका तांतूं कांय चूक दिसूंक ना. ताणें नाका म्हळ्यार हांव कांय वेचें रद्द करतोंगी म्हणचें दुसरेंच सवाल.

हांव यू.के. पावलों. जानेर जाल्ल्यान कठीण हिंवाळे दीस. बेंगळूर थावन वेताना चप्पल घालन विमानार चडल्लों. लंडन एरपोर्टांत थंडियेक पांयांचीं बोटां वांकडीं जाल्लीं. लगेज उगती करन मोचे शिरकावन घेतां म्हणासर संसार पुरो जाल्लो. खंयच्या माट पडल्ल्या गांवाक आयलोंबा म्हण चिंतीत होटेलाक पावलों. बायलेच्ये उबेंत सारीजे जाल्ले दीस, हाडां खांवच्या थंडांत खर्चताले. ब्रेंटवूड त्या गांवाचें नांव. लंडनाची गडदी जांव, आंवसर जांव नातल्लें, नव्या तशें पोरन्या बांदपांनी सोभचें ल्हान सोभीत शहर- म्हाका निस्तेज लागलें.

भोवश्या एका म्हयन्या उपरांत जायजे... तो दीस वीकेंड. फेब्रेर म्हयनो जाल्यान कठीण

थंड नातल्लें, कांय साताट डिग्री जायत. त्या दीस विशेस म्हणच्या बरीं इल्लें वोतयी आसल्लें.

सुमार धा वोरार आमी पेंटेक एक भोंवडी मारयां म्हण भायर सरल्यांव.

"सोभीत दीस न्हयगी" म्हणालो आमचो शेजारी रस्सेल. "या, या. नैस डे" म्हळें हांवें.

"नैस डे मात्ती. थंडान आमचो जीव वेता. हांकां नैस डे" आमच्यांतलो एकलो घुणगुणूंक लागलो.

आमी पेंटेक गेल्यांव. वोत फांकल्ल्यानगी कितेंगी लोक इल्लो चडच आसल्लो. "आमच्या गांवांत वोत धर्माक मेळतामू सायबा..." एकलो टिपिकल इडियन डैलोग मारतालो. आमी तांकां हांकां पळेत, आमच्या भितरच कमेंट मारीत भोंवल्यांव.

थंय म्हाका भेटल्लें कॅरन... खंयच्यागी एका जिम्माचें एजेंट जावन. खंयचेंगी एक ऑफर आसल्लें... एका म्हयन्याक. करुकं कितेंच काम नातल्ल्यान वेळ पाशार करुकं म्हण हांव थंय भरती जालों... थोड्या मट्टाक कॅरनाच्ये सोभाये मुकार दाक्षेणेक पडलों म्हणचेंय व्हय. "आतां पुणी नैस डे म्हण्येत. न्हयरे?" इष्टान कोंकताना हांव फकत हासलों. अशें जाल्ली आमची वळक सळावळ जाल्ली आनी आज काराच्या सिटी पऱ्यांत पावल्ली.

ग्रीन सिग्नल आयलें जायजे, म्हज्या मुकार आसल्ली लॉरी हळू मुकार सरुकं लागली. ह्या फावटीं कितेंगी गिमे दीस वेग्गीं मुगदाल्ले. नोवेंबर तरी हींव पडूंक सुरू जाल्लें. ब्रेक बळान घाली तर कार निसरतालें. हींव पडल्ल्या रस्त्यार ड्रैविंग करूक म्हाका माहेत नातल्ल्यान हळतार कार सोडतालों.

कॅरनान म्हजो हात थापडलो – "ड्रैव करिजेगी हांवें ?"

"नाका, तुका ह्या काराक इनशुरेन्स नामू. मागीर? पोलिसांनी धरल्यार जाली गत" हांवें नाखुशी दाकयली "सोरी नाका."

"ओ.के बी केरफुल" भुजां उडोवन परत रस्तो पळेवंक लागलें कॅरन. ताका दुसरे फावटीं भेटल्लो उगडास आयलो म्हाका.

जिम्माक भरती जाल्लें म्हाका भारी बरें जाल्लें. थंड दीस जाल्ल्यान वेग्गीं काळोक जातालो. पांच वोरांक काम मुगदून घरा येताना, पुरतो काळोक. त्या वेळार दुकानांय धांपतालीं सांजेचो वेळ पाशार करचें व्हड कष्टांचें जाल्लें. इल्लें एक्सरसैज करन, इल्लें उपेवन, इल्लें सवान्ना, जाकुज्जी म्हणताना एक देड वोर पाशार जातालें.

थय परत म्हाका कॅरन भेटल्लें. त्या दीस हासतें उडतें आसल्लें चेडूं हांगा दुसरेंच दिसतालें. हांव सवान्नांत धगाक बसून जिवांतलो घाम देंवोवन आसताना तेंय भितर सरल्लें.

"हेय कसो आसाय?" मस्त वळक आसल्ल्या बरीं विचारीलागलें. "फैन फैन" म्हळें हांवें.

“कशें जाता जिम्म?”

“मस्त बरें जाता. बरो टैमपास.”

“तर तुवें म्हाका ट्रीट दीजे”

“वै नॉट” हासलों हांव.

उपरांत तें दोळे धांपून धग घेंवक लागलें. म्हजी दीश्ट ताच्या आंगार चरली. स्विम्मिंग ड्रेस घालन आसल्लें तें. भरल्लो तरनो जीव, बारीक पेंकट. खत नातल्ली गोरी कात, धगाक आनी इल्ली तांबडी जाल्ली. आंगार उदेवन येंवचे घामा थेंबे पळेताना म्हाका गांवांत सोडन आयिल्ल्ये बायलेचो उगडास धोशीलागलो. कोनशार जळचे इंगळे तांबडे जावन उजळताले. म्हाका धग चड जाल्ले बरीं भोगलें. हांव थंय थावन उटून चल्लों.

तेवशीन ऑफीसांत परत परिगत बदलताली. हांवें इंगलँडांत आनी थोडे म्हयने रावजे म्हण सांगल्लें हांगाच्या मॅनेजरान. ना म्हणचेबरीं नातल्लें. हांवें बायलेक इगलँड आपोंवची तयाराय केली.

पूण म्हज्ये बायलेची आलोचन दुसरीच आसल्ली. ताणें फॅशन डिसायनाचो कोर्स घेतल्लो हांव हेवशीन आयिल्ल्या वेळार. ताची परीक्षा लागीं येताली. ताणें आपूण दोन म्हयने सोडन येतां म्हणताना, म्हका परत निराशा जाल्ली. ताका म्हजी गर्ज ना – अशें भोगप म्हाका, नाका नाका म्हळ्यारी येंवक लागलें.

म्हजीं चिंतनां रावोंवक म्हणच्याबरीं सैरनाचो आवाज सुरू जालो. कोण मेलोगाय म्हण शिराप घालीत हांवें गाडी रस्त्याच्ये देगेर रावयली एँब्यूलॅन्स वचूंक जागो सोडून.

“ह्या माट पडल्ल्या रस्त्यार हें आन्येक” म्हण गाळी येटतालें कॅरन. इल्ल्या वेळान म्हजेशीं पळेलागलें “सो... कितें प्लॅन सांजेक. खंय व्हरताय म्हाका?” म्हणालें आसड्यो हालोवन.

“तुवेंच सांगीजे. पयलें बरया कडे डिन्नर. उपरांत नैट क्लब.” हांवें अंदाजान गरी घाली – जास्मिनाक बूद शिकोंवक म्हळ्ळेबरीं. “जायतगी? खंयचें क्लब बरें आसा हांगा?”

“जंपिंग जॅक्स ... पूण इल्लें पयस आसा. ड्रैव करचें कष्ठमू आज”

म्हाका परत फाटलो उगडास जालो... “नो प्रोब्लेम. लेट्स गो.”

एँब्यूलॅन्स पाशार जालें. हांवें परत कार धांवडांवक सुरू केलें.

*****

जास्मिनाची परीक्षा सोंपली. विज़ा तयार जाल्ली. तितल्यार ताच्या भावाक सैरीक पळेंवचें काम सुरू जाल्लें. ‘एकलेंच भयण नासतां सैरीक घट करूंक जाता...?’ – जास्मीन आनी थोडे दीस गांवांत उरलें. हांगा पयशिल्या गांवांत एकसुरों जाल्ल्या म्हाका दिसान दीस एका थराची निराशा भोगूंक सुरू जाल्ली. ताका म्हजे सांगाता जियेजे

म्हण ना म्हळ्ळें चिंतप, दीस वेतां वेतां म्हजे थंय गूंड जातालें. काजार जाल्ल्ये सुरवेर चेडवांक कुळाराचो हुसको चड म्हळ्ळें जाणा तरी मन आयकानातल्लें.

त्या वेळार जिम्मांत या पेंटेंत कॅरनाची भेट अपरूप जाताली. तें जांव या हांव जांव भेटजे म्हण भेटनातल्ल्यांव. केदळा तरी भेटल्यार इल्लें उलोवणें, फुरसत आसल्यार एक कॉफी .. इतल्यार सोंपतालें. ताका ताची जिणी आसल्ली, ताचो बॉयफ्रेंड, म्हाका म्हजी बायल, म्हजीं चिंतनां.

आकरेक सप्टेंबरांत जास्मीन यू. के. पावल्लें... थंडीचे दीस. एक्ये देगेन गांव सोडन आयिल्ले तवळ आसची स्वाभावीक बेजाराय ताचे सांगाता कठीण हिंव. 'म्हाका हो गांव लैक ना' म्हण ताणें सांगताना, ताणें म्हाकाच लैक ना म्हण घेतलें हांवें. तरी म्हाका आतां सांगात आसल्लो, एकसुरपण मायाग जाल्लें. जिम्माक वेचें सोडल्लें हांवें. हळतार एकामेका थंय मोग वाडतालो. हांव खुश आसल्लों.

जास्मीन सयत नव्ये जिणियेक वगवातालें. भोंवारीच्या गांवच्या लोकाकडे वळक जाल्ली, थोडें चॅरिटी काम करतालें. म्हाका काजारी जिण्येचो संतोस मेळ्ळो.

म्हयने पाशार जाले. नोवेंबर आयिल्लो... काजार जावन एक वर्स जांवक आयिल्लें.

त्या देकून हांवें थोडी गुपीत मांडावळ केल्ली – जास्मिनाक सरप्रैस दींवक. ऑफिसांत एक हफ्तो रजेक अर्जी घाली. मागीर इगलँडांतल्या एका सोभीत जाग्याक वचून येंवक – दसरें हनिमून. ताका म्हण एक सोभीत चैन इटंरनोर गुपीत ऑर्डर केल्ली... काजारा दिसा समा जावन घरा पावीत जांवचेबरीं.

तितल्यार आज गांवा थावन खबर आयिल्ली. जास्मिनाच्या भावाक खरार म्हण. हेवशीन भयणिच्यो ताडवोडी सुरू जाल्ल्यो. "गांवांक वचून येतांनें... माम्मीक हांव मुद्येक आसना म्हण मस्त बेजार खंय. म्हाकाय माम्मीक पळयजे म्हण मस्त आशा जाल्या. वेतांने ?" ताणें तकली आड करून विचारलें "वेचेंगी ?."

काजार दीस लागीं येता म्हण कळीत आसुनयी अशें करता म्हणताना म्हाका राग आयिल्लो. तें न्हय आसतां आमी दशेंबरांत नताला फेस्ताक वेचें म्हण एदोळच चिंतल्लें.

"खंय जाल्यारय़ी वच. म्हजे लागीं कित्याक विचारताय?तुका तुजीं कुळाराचींच चड. हांव आसूनयी मेल्ले बरीं" इल्लें शिणून उलयलों हांव.

"तुका चूक सोधचें एकच काम. हांवें वेचें मन ना तर नाका म्हण सांग. कित्याक अशें राग करताय?" तें फाटीं उलयलें.

"वच म्हळें न्हयगी, वच. एदोळ पऱ्यांत कांय तुंच आसून जियेनातलों हांव. वच. म्हजे निमतीं कोणेंय कितेंय होगडावचें नाका. वच." हांवें बोल्सांतलें क्रेडीट कार्ड काडलें. "घे. टिकेट बुक्किंग कर" कार्ड काडन मेजार उडोवन हांव दुर्दान घेतल्ल्या बरीं घरा थावन भायर गेलों... वेचें खंय म्हण मात्र कळीत नातल्लें.

सांज जाल्ल्यान भायर थंड जब्बोर आसल्लें. कार चालू करुंक गेल्यार आर्सोभर मांडल्लें बरफ. मुकली वाट कितेंच दिसनातली. हांवें डी–ऐसर घालन आर्सो नितळ केलो आनी गाडी घेवन वेगान गेलों... मतींत घरा जाल्लो गलाटो गाजतालो. कारा भितर हीटर चालू केलें तरी ऊब पावनातल्ली. रागान येताना, हातांक लुंवां, हिंवा कोट कितेंच नासताना आयिल्लों. जिवांत हळत कुलकुलो सुरू जालो.

पेंटेलागीं येताना पब दिसलें... सांज तरी थंडीक जायजे, चड लोक नातल्लो. हांव कार पार्क करन भितर रिगलों. एक बियर सांगून थंयच कौंटराचेर बसलों. बियर गळ्यांत देंवली तरी मतींतलो गोंदोळ उणो जांवक ना. हांव बियरींत उटचे बुळबुळे पळयीत रावलों... सुरवेर चड आसल्ले बुळबुळे उणे जायीत येताले. म्हजीं चिंतनां लांबल्ले बरीं गूंड जायीत्त येतालीं. मतींत पुरून गेल्ले पोरने उगडास नवे अर्थ घेवन नाचताले.

जास्मिनाक हांव म्हळ्यार आशाच ना. सांगाता जियेजे म्हळ्ळें चिंतपच ना. सुरवेर थावनय अशेंच... आतांय तशेंच. इतले दीस सांगाता जियेवन लागीं जाल्यांव म्हण चिंतालों... कांय ना. पूरा नाटक. आतां आवकास मेळल्लोच कुळारा धांवूंक तयार जालां. हांव कितल्ये आशेन काजारा दिसाक कितें सक्कड तयाराय करून आसां. हें गांवाक भायर सरलां. वचुंदी. वचुंदी...

“हेय... तूं कितें हांगा?” म्हण कॅरनान फाट थापुडताना हांव जागो जालों.

“हेय...ये, ये. अशेंच आयलों. तुजो बॉयफ्रेंड खंय?” हांवें हासूंक प्रयतन केलें.

“आमी आतां सांगाता ना” कॅरन शेळ्या ताळ्यांत सांगलागलें “आमची फ्रीकवेन्सी ताळ पडूंक ना.”

म्हज्या लागशिल्या कदेलार बसलें तें “पूण तूंय एकलोच? तुजी बायल खंय?” इल्ल्या आजापानशें विचारलें ताणें.

“तें गांवाक गेलां, भावाच्या काजाराक” हांवें चिंतिनासतां फट मारली “तुका कितें पियेवंक? वैन, बियर.”

“वैट वैन.”

“हांव तुका कंपनी दितां” हांवें हातांतली बियर खाली केली आनी दोन ग्लास वैन घेतले. कौंटर सोडून वचून एका खाली मेजार बसल्यांव.

वैन पियेत्त आमचें उलोवणें चल्लें... हांवें जास्मिना विश्यांत म्हज्ये मतींत आसल्लें सक्कड सांगलें... सांगाता तें आतां गांवाक गेलां म्हळ्ळी फट. जास्मिनाक बूद शिकयजे.

उलोवणें मुकार वेताना हांवें कॅरनाक डिन्नर आनी डान्साक येतायगी म्हण विचारलें.

“कितें? डेटगी?” तें हासलें.

भितर एक फावटीं हाल्लों हांव. हांवें दोळे चुकयले “तशें कांय नाका.” चेप्पें हासून “अशेंच.”

“ओ.के. ओ.के. टेनशन घेनाका. या... आमी वच्यां.. म्हजेंय कांय प्लॅन ना आज.”

वैन खाली करन आमी भायर आयल्यांव. कारार परत बरफ मांडल्लें. कॅरनान आपणाचें कार वरयां म्हळ्ळ्यारी हांवें म्हजेंच कार वरयां म्हण ओत्ताय केली. तें चड उलयनासतां मानवालें. हांवें परत आर्सो नितळ केलो. “माल्दिसांव पडल्लें बरफ... कितलें काडल्यारी मांडता” हांव गर्जे भायलें उलयलों. कॅरनाक हें सदांचें... म्हाका मात्र बरफ कांटाळो.

तशें सुटल्लें आमचें कार पेंट सोडन, आतां, हैवेचेर आसल्लें.

तितल्यार हीम पडूंक सुरू जालें. काराच्या आरश्यार धवें धवें हीम पडताना वाट परत दिसना जाली. वैपर चालू केलें. तरी वाट सारकी दिसनातल्ली. कित्याकगी आयचो दीसच समा ना, पूरा ताच्या निमतींच– जास्मिनाक परत येटलें मतिंतच.

“मुकार व्हडलें सर्कल मेळता. तांतूं तिसरें एक्जिट धरिजे. इल्लें जागरूत... काळोकांत दिसना सारकें” कॅरन म्हाका जागय लागलें “चुकल्यार लंडन रोड. उपरांतलें सर्कल मेळूंक धा मैलां वचजे.”

हांवें तकली हालयली. सर्कल लागीं येताना हांवें गेर बदलिली आनी एक्सलेटर दांबलें... कार घुंवडेर आसल्लें... इल्लेशें कितेंगी चुकल्ले बरीं जालें... स्टेरिंग निसरता निसरताशें जालें. हांवें बळान ब्रेक मारली. बरफ आसताना करुकं नजो जाल्ली चूक ती... घडून गेल्ली.

कार स्किड जालें.

कॅरन बोबाटलें “हे...य... लुक औट.” कार कंट्रोल चुकून निसरूंक लागल्लें. हांवें काराचें अट्टें स्किड जाल्ल्या तेवशीन घुंवडायलें... फाटीं आन्येके लॉरियेच्यान ब्रेक मारल्ली आयकली... कार ताका वचून आपटुंचें एका सेकुंदाच्या फरकांत चुकलें. आयच्या दिसा दुसरे फावटीं अवघड जांवचें चुकल्लें.

दोन तीन सेकुंदां उपरांत कार कंट्रोलाक आयिल्लें. पूण हांवें धरल्ली लेन चुकल्ली... हांवें तिसऱ्या मार्गा कडे वेचें रस्त्यार आसल्ल्या वाहनां निमतीं असाध्य जाल्लें. हांवें दुसरो मारोग धरलो. धरिजे पडलो. तो लंडनाक वेचो राज रस्तो.

हांव शिरकल्लों. व्हड गोंदोळ जाल्लो. एक फावटीं ह्या राज–रस्त्यार पडतर भायर येजे तर हांवें आन्येका सर्कला पऱ्यांत वचजे आसल्लें आनी तें सर्कल हांगा थावन धा मैलां पयस आसल्लें. धा मैलां वचूंक, धा मैलां येवंक... ह्या दळदीर हिंवांत आनी ट्राफीक जॅमांत उणे म्हळ्यारयी दोन घंटे लागतले.

हें समजाल्लें कॅरन मौन जाल्लें. डिन्नर, डान्स आनी उपरांतलें... कांय जांवचे बरीं नातल्लें. ताका हांवें ताचो वीकेंड पाड केलो म्हळ्ळो हुसको. फकत वीकेंडा खातीर म्हजे सांगाता आयिल्ल्या कॅरना विशीं कितें चिंतचें म्हाका कळ्ळें ना. ह्या संदर्भाक फकत हांव जवाबदार.

जर जास्मीन ह्या जाग्यार आसल्लें तर तशें करतेना न्हयगी म्हळ्ळें चिंतप मतींत घुंवूंक सुरू जाताना म्हाका म्हजेरच लज दिसूंक सुरू जाली.

फकत म्हज्या 'इगो'क सारकें जावन जास्मीन चलूंक ना म्हणच्या पासत हांव ताका घात करूंक भायर सरल्लों... रागाच्या हातांत बूद दीवन.

ह्याच चिंतनांनी बुडून हांव मौनी जावन ड्रैव करुकं लागलों. सुमार एका वोरा उपरांत आमकां आन्येक सर्कल मेळ्ळें.

एदोळ मौन आसल्लें कॅरन परत उलयलागलें "फॉर हॅवेन्स सेक, हांगा परत मारोग चुकयनाका." उतरांची धार बर्फा प्रास क्रूर आसल्ली. हांव मौन उरलों... चूक म्हजी आसतां ताका फाटीं जाप दिंवची गर्ज म्हाका दिसलीना.

हांवें कार घुंवडायलें आनी परत घरच्ये वाटेक लागलों. हीम पडचें रावल्लें.

हांवें घर सोडन सुमार दोन तीन वोरां जाल्लीं. हेवशीन कॅरन तोंड दीवन उलोवंकयी तयार नातलें. वाटे वयले ह्यालोजॅन दिवे दाट धुवरेंत मंद जळताले. कार रातीच्या मोनेपणांत हळतान धांवतालें. घरा जास्मीन कितें करते आसूंक पुरो म्हण चिंतनां हळत धोसूंक लागलीं म्हाका.

कॅरनाक ताच्या काराकडे हाडन सोडताना, रातीचीं वोरां दोन जाल्लीं... 'सोरी' म्हळें हांवें. "ओ.के. ओ.के., आतां तें पुरा उलोवंक म्हाका वेळ ना. गुड नैट" निरलिप्त जाप दीवन, तकली हालोवन, भुजां उडोवन चलत्त रावलें. तें दोळ्यांतलें मायाग जाता पऱ्यांत हांव ताची फाट पळेवन रावलों.

थोड्या घंट्यां उपरांत, हांव परत त्याच रस्त्यार, त्याच पब्बा मुखार परत एकसुरो उबो आसल्लों. पब धांपल्लें आनी आतां म्हाका आसल्लो एकच ठिकाणो - घर आनी जास्मीन. म्हाका त्या कडकडच्या थंडांतयी घाम सुटल्ले बरीं जालो. म्हजे बावळे जिवा भोंवारीं वोडन अंरदिले हांवें. दोळे धांपले. एक दीग श्वास काडलो आनी आंवसरीं घरा कुशीन परतलों.

घरा वचून दाराची कांपीण व्हाजोवंक म्हण हात काडताना दार उगतेंच आसल्लें दिसलें म्हाका. रागान भायर वेताना दार वोडल्लें हांवें, पूण दार धांपलेंगी ना म्हण पळेंवक नातल्लें. दार उगतेंच उरल्लें जायजे. या कांय जास्मीनयी म्हज्या बरींच भायर गेलां कोण्णा? म्हज्या चिंतनांचें म्हाकाच भ्यें दिसलें. वेवेगीं भितर सरलों आनी दार बंध केलें.

हॉलाचो दिवो जळते आसल्लो. घरांत हीटर चालू आसल्लें. मोचे निकळावन भितर वेताना जास्मीन लॅपटॉपा मुकार बसून आसल्लें.

पांयाच्या आवाजाक जास्मीन हेवशीन घुंवलें. ताचे दोळे, तोंड सुजल्लेशें भोगलें म्हाका. "हाय... निदूंक नांयगी?" कितेंगी विचारुंक वचून कितेंगी विचारलें.

"कालेंने तूं..." रडकुऱ्या ताळ्यान उलयलें तें "एनिवर्सरीक म्हण ट्रिप बुक केलांय आनी

म्हाका गांवाक वच म्हणताय" म्हणालें तें कंप्यूटराक जोकून. कंप्यूटराच्या पर्द्यार हांवें बुक केल्ल्या टिकेटिची कॉपी आसल्ली. हांवें तकली पोंदा घाली "तें...तुका..."

"म्हाका कितें तुज्या पोटांत हात घालन पळेवंक जातागी-मा" उटून म्हजे लागीं आयलें तें. दोळ्यांत पातळशीं दुकां मांडल्लीं. म्हजें काळीज कडलें.

"रडताय कित्याक? कालें जालें म्हण आतां? ओ.के. सोरी... हांवें राग करूंक नजो आसल्लो."

"राग केल्लो व्हड न्हय, पूण तुजें प्लॅन म्हाका सांगूंक नांय पळय. तें."

नाक पुशीत्त मुकार्सिलें ताणें "तूं गेल्या उपरांत हांवयी रागान पेटलीं - तुका वचूंक हजार जागे. हांवें खंय वेचें. क्रेडिट कार्ड घेवन ऑनलैन टिकेट बुक करयां म्हण इंटरनेट्टार बसलीं... तुका बूद शिकोवंक... रागान. पूण बँक एकौंट उगतें करन पळेताना खंयच्यागी ट्रावेलाच्यो टिकेटी बुक केल्ल्यो दिसल्यो. भारी प्लॅन केलांय न्हय?" म्हज्ये दिश्टीक जोकून उलयताना हांव गागेलों.

"तुका सरप्रैस दिव्यां म्हण..!"

"तुजें सरप्रैस मात्ती. भेष्टें झगडें न्हयगी. तुवें सांगल्लेय तर हांव गांवांक वेचें फाटीं घालतीना? हेंच तुजें कितें जाय म्हण सांगीनांय. म्हजो जीव काडताय. हांवयी पिशी. माम्मिच्या उतरांत तुज्ये विश्यांत चिंतुकच ना. सोरिने..." गालार एक उमो दांबलो ताणें.

हांवें थिंपी गिळ्ळी. "मागीर बाबाची मुदी?"

"बाबाक फोन केल्लो हांवें. ताका सांगलें आमच्या ऍनिवर्सरी विश्यांत. हांव येना म्हळें. बाबा जाल्यार मुदी मुकार घालतां म्हणतालो." म्हज्या बुतांवा सांगाता खेळत्त म्हणालें तें. जास्मिना मुखार हांव किर्कोळ जाल्ल्याबरीं भोगलें म्हाका.

"व्हय. खंय गेल्लोय इतलो वेळ? म्हाका कसलीं पूरा चिंतनां आयलीं गोत्तुगी?" शिणलें तें.

"अब्बा आतां पुणी विचारलेंयमू" हांवें बारीक खोंकली काडली "अशेंच बेजार जालें म्हण, लॉंगड्रैव गेलों-पयस"

"पिसो खंयचो" म्हज्या कपलार हळतान थापडिलें ताणें "स्नो पडताना तुका दुसरें कांय मेळुंक नांगी करुकं. खंय तरी शिरकल्लोय तर?"

"हूं...शिरकल्लों सयत.." हांव जास्मिनाच्या बावळ्यांनी रिगलों. "कार स्किड जालें.पूण... देव व्हडलो... अवघड जांवचें चुकलें."

ताचे बावळे म्हज्या हरध्या भोंवारी अंरदले.

2007

मासां

रामण्णागेलें घर उतरून, आमच्या हितलांत पांय दवरतानांच म्हाका घरांत शिजून आसच्या मासाचो परमळ नाकाक आदाळल्लो. एक नीळ श्वास घेतलो हांवें – बिफा मास. जिवांत एका थराची खुशी चरली. आज जेवण बरें जाता.

न्हाण, आमोरी म्हण जेवणाक बसताना रातीचीं नोव जाल्लीं. मासा सांगाता इल्लिशी बियर चाक्यां म्हण चिंतून रांदच्या कुडाक गेलों. मांय कुंडल्यांतलें मास काडन तोपल्यांत घालन आसल्ली.

"म्हाका इल्लेशें पिरींत घालन दी मांय" म्हण एक ल्हान पीर तिच्ये कुशीन वोड्डायली हांवें "मास बरें आसा म्हण दिसता".

"म्हाका गोत्तुना कशें आसागी? तुंच खावन पळय" कर्कऱ्यानशें दोय भरन मास पागळावन पिरींत वोतलें तिणें.

आमची मांय बिफा मास खायना. आमची आमांय गोटो भर गोरवां पोसताली. गायो म्हळ्यार तिका भुरग्यां बरीं खंय. तशें जावन गोरवांचें मास खांवचें आमांयक जायनातल्लें. तशेंच गोरवां सांगाता खेळून वाडल्ली आमची मांय, आनी आमांयची संवंय मांयकी आयिल्ली. तिकाय बिफाचें मास वरगानातल्लें. आमच्या पासत म्हण रांदताली बावडी.

ल्हान आसताना हांवेंय बिफा मास खांवचें सोडल्लें... सुमार धावी पऱ्यांत – भोवश्या मांयक पळेवन. आतां गोटो खाली जाला तरी तेदळा आमगेरी गायो, पाडियो आसलल्यो. पूण कॉलेजीक गेल्ल्या तेदळा भायर होटलांनी दुसरें मास म्हारग आसतालें जाल्ल्यान, गायो गोरवां म्हणचें सुक्षीम पूरा मायाग जाल्लें. मापळी होटलांनी बिफाची रूच लागल्ली आनी आतां बिफा मासच म्हजो प्राण.

मांयचो करकऱ्या ताळो आमकां सदांचो; कांय रांदून पुरो जालां दिसता. तशेंच मांयक इल्ली बी.पी.य आसलल्यान तिणें काम चड केल्यार इल्लें तापचें मामूल जाल्लें आमकां. पूण आज तिचो ताळो इल्लो चडच दाटसो भोगलो म्हाका. इल्लें उलोव्यां म्हण थंयच रगड्यार बसलों.

हांवें मास चाकलें. "बरें आसा मास, तरनेंय न्हय, जूनयी न्हय. सारकें आसा. शिवलागेर मारल्लीगाय? तांगेर एक गोड्डू पाडी आसल्ली – आड घालतां म्हणतालो पिटी, गेल्ल्या हफत्यांत".

"हूं... तीच ही" ती म्हजेशीं घुंवली "पूण ते दीस गेले आतां. हे कालें पूरा गायो राकचे संघ सुरू जाल्यात–मू. तांचोच गलाटो–मू?". तोपलें धांकीत्त सांगाली ती. तोपलें

मेजार दवरन, शिता मडकी उगती केली तिणें. शिताच्ये मडकेंतल्यान उटल्ली ऊब, मांयच्या मुस्करार मांडली. मांयच्या कपलार मांडल्ल्यो मिरियो स्पष्ठ दिसल्यो म्हाका.

मांयन कुरपण्याक लागल्ले शिता कण मडकेक झडयले.

हांव गजाल मुकार व्हरुकं समजानासतां चडपडतालों. "तांतूं कितें नवें? सिटिंनी, पेंटेंत ते गलाटे चलते आसात – मामूली पोलीटिक्स. पूण आमच्या गांवांत दीस मामूली चलून आसात न्हयगी मांय? हांगा कोणांचेंय 'ऑब्जेक्षन' नामू. तूं कसल्याक गर्ज नातल्लें चिंतून तापताय?".

"तेंच सांगल्लें हांवें. ते दीस गेले म्हण" शीत उसपून आन्येका उतळ तोपल्यांत घालन मांड धांपली तिणें "सुरेश आयिल्लो आज. आमकां जागरूत सांगून गेला".

हांवें मास चाकचें रावयलें.

सुरेश म्हजो शेजारी रामण्णाचो पूत, ताच्याकी चड म्हजो ईष्ठ. सासांगाता वाडल्ले आमी. म्हाका आस्पत्रेंत एकांवटेंटाचें काम जाल्ल्या थोड्याच दिसांनी ताका सोसायटींत काम मेळल्लें. घरा थोडे कष्ठ आसल्ले ताका तरी तो बरयान सांबाळन व्हरतालो, ताच्या ल्हान सांबाळान. पोयरच आयतारा होटलांत मेळल्लो – सुमार दिसां उपरांत. मामूली उलोवणें चलल्लें सोडल्यार असलें कांय झळकुंकी नातल्लें.

म्हाका विचित्र दिसलें.

"कितें जागरूत म्हळ्यार?" पीर सकयल दवरन विचारलें हांवें.

"नायक माम गायेचें मास करच्या लागीं वेता न्हयगी... इंचाळ मास हाडूंक म्हण....तें पूरा आनी करीनाकात. त्या गाये मासा थावन पयसच रावा म्हणालो" तिच्या ताळ्यांत शेळ नातल्ली. "आमच्या गांवांत आनी मुकार हें पुरा चलूंक सोडीनांत खंय".

म्हाका सुरेशान सांगल्ल्याचो पुरतो मतलब समजालो ना या ताची गुंडाय कळ्ळीना "सुरेशान अशें सांगलेंगी? काल पऱ्यांत समा आसल्ल्यांव. आतां कितें जालें एकाच्याणें?"

म्हजी तकली हून जाताली. हांवें एक बियरिचो घोंट मारलो.

"केदळा आयिल्लो?" हांवें परत विचारलें.

"तुवें येंवच्या एक वोरा पयलें आयिल्लो" मांय तोपलें घेवन भायर जेवणा मेजा लागीं वेते सांगलागली "तुका विचारतालो".

"ताका हांवें येंवचें केदळा म्हण गोत्तुनांगी, कितें?" पीर आनी बियरी ग्लास घेवन हांव जेवंक मेजा मुकार बसलों. पूण घरा येतना आसल्ली भुक मायागशी जाल्ली.

हांव बियर पियेवंक लागलों "कितें खंय ताका, हें येवन आमगेर सांगच्या तितली गर्ज पडल्ली?"

"तें कितेंगी सांगुना ताणें" मांय उदक हाडूंक भितर वचूंक परतली. "पूण – हांवें सांगल्ल्या बरीं करा. मागीर हांवें सांगुना म्हण म्हाका दुर्सनाकात – म्हण दोन तीन फावटीं सांगलागलो. केदळाय बसून उलोंवचो चेडो; आज, आयलो, सांगलो आनी चल्लो पळय."

"हं... कितेंगी, कालेंगी?... म्हाका समजना... समजते ना" म्हाका गजाल समजूंक मनयी नातल्लें.

"हांवें तुज्या पप्पाक सांगलें – आनी काम नातल्ल्याक काम म्हण...मास करच्या लागीं वचून रांवचें नाका. बेक्रींत मेळ्ळ्यार हाडन खाव्यां, ना तर नाका म्हळें" मांय सांगत गेली "तुजो पप्पा म्हजेरच बोब मारता... वाटेर वेतल्यांनी येवन म्हाका कितें बूद सांगचिगी म्हण..." मांयचो राग पप्पाचेर चडत वेतालो.

हांवें पप्पा तेवशीन दीष्ठ घुंवडायली. पप्पा तेवशीन सालांत बसून टी.वी. पळेतालो. ताच्यालागीं उलोव्यां म्हण चिंतल्यारी, कितें उलोंवचें म्हण कळ्ळेना. हांव मौन उरलों.

पप्पा बरें मास हाडूंक म्हण मास करच्या लागींच वेतालो. गेल्ल्या कडें मास जोकूंक, बांदूंक, तें, हें म्हण हाताक हात दितालो. शिवलय एक या दोन के.जी. हाडां, जीब म्हण अशेंच दिता व्हरुकं. पप्पाक तें म्हळ्यार बारीच रूच. आमकां फुंक्याक हाडची कांय गर्ज नातल्ली तरी पप्पाची ती वरसां थावन चलून आयिल्ली रिवाज.

मांय सांगलागली परत "सांग तुज्या पप्पाक, तें पूरा नाका म्हण. खंय चुणी पोलिसांनी येवन, भितर घालन नाका जाल्ली नालीसाय..." पप्पाचे कान हाल्लेनांत. तो टी.वी. पळेंवचें सोडन हेवशीन घुंवलो ना. ताकाय राग मात्यार चडला तें साफ आसल्लें.

"म्हजें उतर कोण आयकता?" मांय सलवून फुरपुरात्त भितर गेली.

हांव उरल्ली बियर चाकूंक लागलों. बियर मुगदाताना मांयन वाडूंक सुरु केलें. पप्पा वाटलेंचो आवाज आयकून जेंवक आयलो. मामूल उलोवणें चल्लें शिवाय, सुरेशाच्या भेटे विश्यांत कोणेंय उतर काडलें ना. पप्पाक राग आयलागी या लज भोगतालिगी म्हाका समजलेंच ना.

ह्या उपरांत थोडे दीस कितेंच खबरे विणें चल्लें. सुरेशा मेळ्ळो तरी, चेप्प्यो हासो दीवन चलतालो. म्हाकाय गजाल काडूंक तोंड सुटलें ना. थोडे दीस वेतां वेतां ताचे वयलो रागय निंवल्लो. म्हाका घडिताची विसरशी पडली.

हें जावन दोन म्हयन्यांनी, दशेंबरांत, म्हजें काजार जालें. भोंवडी म्हण, काम म्हण, बायल गुरवार जालें म्हण हांव म्हज्याच संसारांत सांडून गेलों. केदना केदना उगडास जाल्ले बरीं जातालो तरी आतां काजार जाल्या उपरांत त्यो पूरा गर्ज नातल्ल्यो गजाली कित्याक म्हण चिंतून हांव थंयच थंड जातालों. एकेक फावटीं सुरेशान भोवशा म्हज्या बऱ्याकच सांगल्लें दिसता म्हण भोगल्लेंय आसा.

*****

मांयचे सुस्कारे आयकून हांव म्हज्या कुडा थावन भायर धांवून आयलों. पप्पा कदेलार बसल्लो थरथरतालो. रामण्णा आनी ताचें बायल गंगी मेटलार बसल्लीं. मांयच्या हातीं उदका चेंबू आसल्लो. म्हाका गजाल कळ्ळीना.

"कालें जालें मांय" हांवें घाबरन विचारलें.

मांयक उलोवंक तोंड सुटलेंना... ती परत सुस्कारुंक लागली.

रामण्णा उलयलो "तुजो पप्पा मास हाडूंक गेल्लो. कोणेंगी सांगून दिलें दिसता. पोलीस आयिल्ले सायबा. मस्त जणांक धरलें खंय... तुजो पप्पा कसोय चुकोवन धांवून आयलो, देवाची दया. पूण धांवून येताना, फांत्यार सारकें दिसूंक ना पळय... येवन, येवन आमच्या गोट्या फाटल्या तळ्यांत पडल्लो." रामण्णा सांगीत्त गेलो "हांव दांत घासतालों भायर रावून... आयकलें म्हाका, पूण उकल्यां म्हळ्यार काळोकांत म्हाका सारकें दिसतागी? सुरेशय नातल्लो घरा. मागीर हांवें गंगीक आपयलें..."

गंगिचें कापड गांटीवरेग भिजल्लें. "ना तर कालें सांगचें पुता... एदोळवरेग पोलीस एक गांवांत आयिल्ले नांत. आतां हें कितेंगी म्हातारे धोंकारे म्हण पळयनासतां मस्त जणांक वोडन वेलां खंय" गंगी बेजारायेन सांगालें "कोणें सांगून दिलेंगी गोत्तुना... सकाळीं सकाळीं पोलीस येंवचे म्हळ्यार....? कालें नवें नवें जातागी ह्या दिसांनी?"

गंगिचीं उतरां आयकून पप्पान तकली सकयल घाली.

"तुज्या पप्पाक सांगलें हांवें" मांयचे फुरपुरे सुरू जाले.

तें आयकून म्हजे कर्करे आनी चड जाले. "तू वोगेच राव मांय. पप्पान कितें करचें? कोणेंगी बडकेच्यांनी सांगून दीवन करयलां आसतलें. तीन कासांचे..."

हांवें रामण्णा तेवशीन दीश्ट घाली. तो पप्पाक पळेवन आसल्लो.

"रामण्णा.. एक बिडी आसल्यार दी सायबा" पप्पान विचारलें "म्हजो बिडिये काट तुमच्या तळ्यांत भिजलो."

म्हाका कामाक वेळ जातालो... "मांय इल्लो वेळ पप्पा आराम करुदीं. पूरा समा जाता." मांयक सांगून हांव उटलों. "ताका च्यागी, काफिगी कितेंगी एक करन दी" न्हावंक म्हण हांव गेलों.

हांवें थंय बसून करचें कितेंच नातल्लें.

तेवशीन रामण्णा आनी गंगीय उटलीं "आमीं येतांव."

मांय म्हणाली "रावा, रावा.. च्या पियेवन वचा"

हांवय रामण्णाकडे गेलों "मस्त देव बरें करूं तुमकां. तुमचो उपकार जालो." हांवें सत्त्यान म्हळें. कित्याकगी सुरेशाचो उगडास येनासतां गेलोना. "च्या पियेवन वचा. म्हाका कामाक वचजे. हांव तयार जातां".

"उपकार कितें. शेजारी न्हयगी?" रामण्णाच्या उतरांनी फटी नातल्ल्यो.

*****

म्हाका भायल्या भायर खबर मेळल्ली, गाय मास करच्या विश्यांत पोलिसांक, संस्कृती रक्षण संघागारानींच हिशारो दिल्लो म्हण.

गांवभर विशय भारीच चर्चेचो जालो. बिफामास बेक्रेंनी सयत मेळचें रावलें. थोड्या दिसांनी सुरेशाची तस्वीर पेंटेर दिश्टीक पडली म्हाका - रगता वर्णाच्या पोस्टरार. तो नव्यान कार्‍यदर्शी जाल्लो - संस्कृती रक्षण संघाचो.

म्हज्या बापायच्या हरध्यार खोंट मारन वयर चडलो, म्हजो शेजारी, म्हजो ईष्ठ - हांवें दांत अर्दिले.

म्हज्ये मतींत समाधान ना जाल्लें. पूण कितें करचें म्हळ्ळें समजणेक आयलेंच ना.

मतींत शिजच्या द्वेशाच्ये दिष्ठीक पडल्ली रामण्णागेली गाय आनी रामण्णाच्या दोळ्यार मांडल्लें फूल.

हांवें मांडावळ केली.

*****

रामण्णाक दोळ्याचें फूल जावन सुमार तेंप जाल्लो. आयलेवार दीष्ठ इल्ली चडच घयर जाल्ली. कामाक वचूंक जायनासतां, खर्चाक नासतां कष्ठातालो बावडो.

आमच्ये आस्पत्रेंत रोटरिचें एक स्कीम आसल्लें. तांतूं हांवें रामण्णाच्या दोळ्यांचें ऑपरेशन करयलें - एकाच म्हयन्या भितर.

कितलेश्या वरसां उपरांत दीष्ठ नितळ जाल्ल्या रामण्णाची खुशी सांगची न्हय. "तुवें आमच्या पप्पाक उपकार केलोय. हो म्हजो उपकार तुका" ताका हांवें दिल्ली जाप.

उपरांत म्हज्या तीन म्हयन्यांच्या बाळाक दुदाक जाय म्हळ्ळें नीब दीवन - हांवें रामण्णागेली गाय मोलाक घेतली. ताका दींवक मन नातल्लें तरी हांवें ताका केल्ल्या उपकारा पोंदा ताची जीब सुटलीना. सुरेशालागीं विचारुकं सयत सोडीनासतां हांव गायेक घेवन आयलोंच.

मांयन "गायेक कोण पळेतारे" म्हण घुणगुणताना हांवें गंगीक दूद काडून दींवक दवरलें.

ताच्या दुसऱ्या आयतारा हांव पिटीक मेळ्ळों - शिवलामाचो पूत.

"आमगेर एक गाय आसा सायबा" हांवें पिटीक सांगलें "तरनींच, तीन-गी च्यार वासरां जाल्यांत मात्र. आड घाल्यांगी... कितें म्हणताय?"

"नाका सायबा.... एक फावटीं पोलिसांनीं येंवन तोंद्रे जाल्ले पुरो." सुरू केल्लें पिटीन, हांवें चिंतल्ल्या बरीच.

पूण ताका कबूल करोंवचें काम हांवें चिंतल्ल्या प्रास वेग्गीं मुगदाल्लें. ताकाय भितरल्या भितर राग आसल्लो. हांवें फकत तो राग जिवो केलो. कानाच्या कानाक खबर करीनासतां आमी वेवस्ता केली.

*****

सनवारा फांत्याचीं च्यार वोरां.

हांव, पिटी आनी लच्चा कोर्गो... सोजागेल्या घरा फाटल्या बोल्यां मधें जमल्ल्यांव. गायेक सुकरारा मध्यानेरच हांवें हाडन बांदल्लें.

गाय अशांत आसल्ली. "गायेंक कळता सायबा... कशें म्हण गोत्तुना म्हाका... पूण तांकां कळता..." गाय मास करच्यांत हेळल्लो पिटी सांगालो.

म्हाका गंगीचो उगडास आयलो, सुरेशाचो उगडास आयलो... "तांकांय भोगतागाय?"

हांवें इल्लें जिवें तण बुड्डून गाये मुकार घालें. गायेन तणाक तोंड घालेंना. गोमटेक बांदल्ल्या राज्वाचेर वोडी घेताली.

पिटीन गायेक उदक पिवयलें, शास्तिरा प्रकार. गायेन उदक इल्लें चाकलें पूण पियेलीना.

पिटीन गायेच्या तोंडाक दोरी अंरदून बांदली. कय्याळ सोंडियेचेर अंरदिताना गायेन भिंयान नाचूंक सुरू केलें.

तेवशीन हाची पर्वा नासतां लच्चा कोर्गो सुरी पाजतालो. आमच्या भोंवारांत कोणागेर बिफा मास केल्यारी, लच्चा कोरग्याक आपयताले. चामडें सोलच्यांत तो भारी नांव व्हेल्लो.

गायेच्या गळ्यां थावन उटचो "गर्र... गर्र... बुस्स... बुस्स" आवाज म्हाका कर्करे करतालो.

"वेग्गीं पुरयसिया सायबा. तुजें पाजून जावनांगी आनिकी" हांवें कोरग्याक आंवसर केलो.

"जालें नायका. सुरू करयां. इल्लें समाधान काणगे." ताणें आपली सुरी पाजचें काम मुकारशिलें.

पिटीन म्हाका कच्याळ (बारीक राजू) दिलें "धरन घेरे हें... आनी गायेच्या पांयांक बांद..." ताणें ताकीद दिली – "गायेन पांय फापडीताना सोडून धांवनाका. मरच्या गायेचें बळ इल्लें चडच. घट्ट धर."

हांवें गायेक देकलें. च्यार वासरां जाल्ली गाय तरी सुकाटी न्हय. कशेंगी करन बांदलें. पूण म्हाका गायेन वोडी दिंवच्यो आधारसूंक कष्ठ म्हण भोगलें.

"गंगीन बरें जिवें तण घालन घालन बरी घट्ट जाल्या गाय" हांवें म्हजे इतल्याक चिंतलें.

फाल्यां कळताना कितें म्हणतीतगी. हांवें तकली फापडिली "चिंतचें कितें... आमची गाय... हांव कितें तरी करतां."

गायेच्यो वोडी चड जाल्यो आनी आधार्सून, आधार्सून म्हाका पुरो जालें: हांवें तेवशीन हेवशीन चोयलें.

लागींच एक पिडकुळा झाड आसल्लें. हांवें दोरी पिडकुळा झाडाच्या मुळाक एक रेवोड हाडली.

पिटीन म्हजेकडे चोयलें "हो उपाय बरो आसा. तुज्या तसल्यांक, ऑफिसांत बसून लेक बरयतेल्यांक हें पुरा काल्याक सायबा?"

लच्चा कोरग्यान सुरी पाजची रावयिल्लें म्हाका आयकलें. पिटीन आन्येक क्वार्टर काडन ताका दिलें "सुरू करयां सायबा. सकाळीं जावंक आयलें".

लच्चान बोतलिंतलो पूरा सोरो एकाच घोंटाक पियेवन बोत्ल बोल्यांत उडयली.

पिटीन म्हाका सांगलें "ओ.के. रेडी जारे". पिटीन गायेच्या पांयांक बांदल्ल्यो दोरियो

वोडल्यो. "धड्ड..." आवाज करन गाय आड पडली. गायेचें पोट धरणीक आपटून उटल्ली धूळ वारयांत चरली. म्हज्या हातांतली दोरी अपापीं अंरदाली.

लच्चान सुरी घेतली... गायेच्या गोमटेर इल्लें उदक शेणायलें आनी आड घाल्ल्ये गायेच्या फाटीर बसलो.

गायेच्या नीळ उसवासाक म्हज्या हाता वयली लोंव हालताली.

सुरी दांतांत चाबून धरली ताणें आनी गायेची गोमटी फाटीं बागायली. गायेची संकर्नळी उट्टून दिसताली आतां. गायेचे दोळे गरगरगर घुंवताले... व्हड व्हड दोळे.... मर्णा भियांत वाटारल्ले दोळे... पोलिसां थावन चुकून आयिल्ल्या म्हज्या पप्पाचे थर्थरचे दोळे... फूल काडल्ल्या नंतर वोकला थावून म्हाका देकचे रामण्णाचे दोळे...

गायेच्यो वोडी पळेंवक जायनासतां हांवें दोळे परतिले.

लच्चान चड वेळ घेतलो ना... सुरयेची धार दोन खिणां गायेच्या संकर्नळियेचेर खेळ्ळी.

संपदलें.

गायेच्यो बोबो बांदल्ल्या तोंडा भितर उरून गेल्यो. गायेच्यो वोडी इल्ल्या वेळा नंतर थांबल्यो. लच्चान गोमटेकडे थावन कात सुटोंवचें काम सुरू केलें.

उरल्लें काम वेगींच मुगदालें या तशें भोगलें म्हाका. सकाळ जावन येताना पिटीन मास पुरा वांटे घालन दवरन जाल्लें. लच्चान वचून तकली आनी पोटांतलें नंयंत उडयलें आनी कात ताका व्हरुंक एका गोणी चिलांत भरून घेतली.

पिटीन ताची मजुरी फारीक करतच तो चल्लो.

हांवयी आमच्या वांट्याचें मास घेवन घरा चल्लों.

घराकडे पावताना रामण्णा पयशिल्या एका माडा मुळांत मुतूंक रावल्लो दिसलो म्हाका.

ताणें म्हाका हात केलो.

रामण्णाक आतां बरेंच दिसता जायजे. म्हज्या तोंडार मंद हासो उदेल्यो. हांवें करोवन दिल्लें वोक्ल ताच्या नाकार खेळतालें.

तें पळेंच्यार पडल्ल्या म्हाका वाटेर आसल्लें मडल दिसलें ना. आधार्सून रावूंक प्रयतन केलें तरी हांव आदाळन पडलोंच.

रामण्णा धांवून आयलो. "इल्लें पळेवन चलजायगी ना? दोळे समा आसल्ल्या तुमी पडचेंगी..."

World Konkani Centre, Lobu Prabhu Nagar, Konkani Gaon, Shaktinagar, Mangaluru, 575 016.

म्हज्या धोंपराक लागल्ली धूळ पुसली ताणें.

"खंय पावल्लोय?" म्हजें मासाचें प्लास्टीक पोतें पळेवन रामण्णा विचारीलागलो.

"हो हो... मास हाडूंक दिसता. कोणें शिवल नायकागेरगी?"

"हां... हां... व्हय व्हय..." हांव पोत्याक लागल्ली धूळ पुसूंक लागलों "येतां हांव. वेळ जालो."

तुरतान हांव म्हज्या घरा कुशीन घुंवलों.

सळ्क जालें. हांव रावलों. धोंपरांत मडलाचो हीर रोंबल्लो. हीर रामण्णान वोडन काडलो. तरी किसर भितरच उरलें. धोंपरा मास इल्लें किंरडेल्लें.

"आसूं . . . आसूं . . . कांय ना तें घरा वचून काडतां हांव. वेळ जालो म्हाका" हांवें मासाचें पोतें घेतलें आनी लागल्ली धूळ पुसली.

"जायत... जायत... तुमकां फाल्यां फेस्तमू" निश्कळंक हासो दिते सांगालो तो.

"किसर काडूंक विसरनाका. रशी जायत"

"व्हय फेस्त फाल्यां." इतलें सांगून हांव चल्लों.

दोन मेटां काडतच हांव घुंवलों. "फाल्यां फेस्ताक ये रामण्णा. दोन पेग घालन वच" हांवें संवयेन, चिंतीनासतां म्हळ्ळ्याबरीं, आपयलें.

"जायत जायत" खुशालायेन रामण्णा आब्यां रुका कडे चल्लो आनी एक पान काडन दांत घासूंक लागलो.

हांवें घरा कुशीन म्हजीं मेटां काडलीं.

फाल्यां इतल्याक गाय आड घाल्ली खबर रामण्णागेर वचून आसता. सुरेशाच्या कानांतयी पडून आसता. ताणीं दिवाळे परबे वेळार पुजा केल्ली गाय, गंगीन दूद काडची गाय, आज आमगेर मास जाल्या. फाल्यां खबर कळत तर रामण्णा फेस्ताक येतगी, निस्सहायक जाल्लो सुरेश ताका आडायतगी, पुता उतर मिरवून रामण्णा फेस्ताक येतगी - फाल्या कळतलें म्हण चिंतीत हांव घरा कडे चल्लों.

च्यार मेटां काडल्लीं मात्र... दोळ्यांत काळोक आयिल्ल्या बरीं जालो. पोटांत खद्गळ्ळें. हातांतलें मासा पोतें जड जालें म्हाका.

हांव एक घडी रावलों आनी दोळे धांपले. आसडेच्या परद्यार, गायेचे वाटारल्ले दोळे म्हाकाच देकताले. गरगरगर घुंवचे दोळे. गोमटी लुंवताना थर्थरल्ले दोळे... उपरांत स्तब्द जाल्ले, उगतेच उरल्ले दोळे... नंयच्या उदकांत व्हाळून गेल्ले दोळे....

म्हाका नित्राणशें भोगतालें.

हांवें भोंवतीं एक नदर मारली. म्हाका पळेताले कोणी नातल्ले. हांव आमच्या घरा फाटल्या हितलाक गेलों.

सुरेशागेली गाय मास करचें काम हांवें करन सोंपयिल्लें. पूण... पूण हें मास खांवचें...? खांवचें कशें?

हांवें मासा पोतें काडन कस्ताळा राशींत उडयलें.

2009

ओकाल

दारवंदार बसून जास्मिनान एक नीळ स्वास घेतलो आनी वणतीक वणखालें.. तो स्वास ताच्या हरध्यांतल्यान देंवून, सगळ्या जिवांत विस्तारलो. थंड, निरमळ, समाधानाचो स्वास. लांब साधन करून मेळल्ली जीक चाकताना व्हाळचो भरमाचो स्वास.

आज तांगेर घर ओकाल. कान्यें जावन सर्व लोक घरा गेल्लो. ताचें एक सुणें आनी तें सोडल्यार तांचे सांगाता आसल्ली वेळा काळा थावन व्हाळून आसची सीता नंय मात्र. नंयच्या ल्हारांचेर खेळच्या सांजेच्या किरणां पर्जळाक ताच्या घरचें दार थळथळतालें – पोरनें, पुण नव्यान पॉलीश केल्लें धन्यान दिल्लें, दार.

ताचें काळीज धन्याच्या उपकाराक फुमार जालें.

आपलेंच म्हळ्ळें एक घर जायजे म्हळ्ळें जास्मिनाचें स्वपण आकंरेल्लें तिच्या भयणीन जिल्लीन घर बांदल्या उपरांत. आनी तें नीज जाल्लें सुमार दोन वरसांच्या साधना उपरांत.

तें घर ल्हान... एक चावडी... एक आल्तारा कूड... एक रांदपा कूड. चावडी उगतीच दवरिल्ली तिणें... धगी दिसांनी बंद घरांनी उस्वास बांदतालो तिका... देकुनच घर उगतेंच दवरललें... तें न्हय आसतां, ताच्या घरा थावन चोरन व्हरच्या तसलें कितें आसल्लें? पूण त्या घराची सर्व सोभाय आसल्ली रांदच्या कुडांत. तें एक कूडच पुरो आसल्लें जास्मिनाची बारीकाय मापूंक... दारवंद उतरोन भितर सरताना दाव्या कोनशार रगडो दवरललो... ताका लागोन उदकाचें भाण. कुडाच्या मधेगात एक सोपो-सो करोवन ताणें रांदन्यो बसयिल्ल्यो... सोप्या पोंदा लांकूड घालूंक जागो. रांदन्यां वयर धुंवर भायर वचूंक बुराका-नळे. व्हड दोन जनेलां कुडा भितर उजवाड हाडतालीं. कूड ल्हान तरी खंयचेंय हाता-पांयांक आदाळनातलें... रांदच्या कुडा थावन एक बारीकशी वोण करन ताच्या तेवशीन न्हाणी आसल्ली.

कान्याक आयिल्ल्या समेस्तांनी हें कूड पसंद केल्लें. हजारांनी खर्च करन 'किचन' बांदयिल्ल्या जाणांक सयत लजेक घालचे तसली एक शिस्त त्या घरांत आसल्ली.

जास्मिनाची आशा थांबली... ताचें काळीज भरमान फुल्लें. "म्हजेंच म्हळ्ळें एक घर." त्ये घड्येचो आनंद चाकूंक म्हळ्ळ्याबरीं ताणें दोळे धांपले आनी तकली दारवंदाक तेंकली.

*****

जास्मिनाचो घोव वेल्डिंग शिकलो... गांवांत काम करन आसल्लो तो केदळा बोंबय गेल्लो-गी, केदळा गांवांक आयिल्लो-गी, केदळा ताणें गांवांक येंवचें रावयिल्लें-गी, जास्मिनाक तो उगडासच नातल्लो म्हण्येत. घोवाच्या अस्तित्वाच्ये निशानिचो आसल्लो एक पूत, बेंगळूर-गी बोंबय-गी गेल्लो... पंदरा वरसां प्रायेरच... कितें-गी काम सोधून... सुमार तीन च्यार वरसां आदीं... तो ताच्या खर्चाचें जोडतालो. वरसाक एक फावटीं येतालो,

वेतालो. सुरवेर तो तरी आधार जायत म्हण आशेर आसल्लें... पूण ताचेर आसल्लो भरवसो जास्मिनान होगडावन सुमारचो तेंप जाल्लो... पुताक ताणें आपल्या घोवाच्ये पट्टेंत घाल्लें. तें आतां एकसुरें... पूण ताका ताची चिंता नातल्ली.

जास्मीन थंय हांगा काम करन आसल्लें. ताचो एकल्याचो खर्च ताच्या कामान वेतालो. थोडे दीस तें कल्लणेंत फातर व्हाववयतालें... ना तर मडलां वोळतालें... ना तर कोणागेर रोंप, लुंवण म्हण वेतालें... आनी आपल्या गुडसुलांत जियेतालें. ताच्या घोवागेल्यांनी रावून आसल्लें खोमटें... तीं सोजागेल्यांक ओकाल जावन आसल्लीं, संतते थावन.

जास्मिनाक घर बांदिजे म्हळ्ळी आशा किरलल्ली आनी जब्बोर जाल्ली – ताच्ये भयणीन घर बांदल्या उपरांत. तेंय जास्मिना बरींच ओकाल जावन आसल्लें... पूण ताचे पूत गल्फाक पावताना, वरसा भितर ताचें घर मोडलें आनी नवें घर उबारलें. ओकलांनी रावल्लो जागो तांचोच म्हण कानून येवन वरसां साबार पाशार जाल्लीं तरी, जास्मिनाक ताची कांय पर्वा नातली. आतां आपल्ये भयणीन घर बांदताना, ताकाय भोगलें... "हांवेंय कित्याक एक घर बांदिनाये?."

त्या दिसा आयिल्लें चिंतप, किडो जावन, ताच्ये मतींत रिगल्लें. शेजारच्ये सेर्पीन बायेकडे उलयताना ताणें हगूर ताचो प्रस्ताप काडलो – "तुका कित्याक-गो नाका जाल्ली आशा? गर्ज नातलो होरबोस? घर म्हळ्यार सुलभ-गी?" तिणें एकाच उतरान व्हाळन घाल्लें तरी जास्मिनाचें गुप्त साधन रावूंक नातलें.

थोड्या तेंपान ताणें पंचायताची वाट धरली. थंय ताची आशा नीज जांवचें पुरतें नख्खी जाल्लें. "तुका घर बांदचें तर आतां कानून आसा. तुवें रांवचो जागो तुजोच. धयरान मुकार वच."

जास्मिनान वेळ काडलो ना... पयलें पादऱ्याबाक मेळ्ळें... ताचे मारीफात सां. विशेंत पावल सभा, कथोलीक सभा अशें खंय सक्कड कुमक मेळूंक साध्य आसल्लें-गी थंय सर्व ताणें व्हाणो झरयल्यो. पांच, धा हजार म्हण थोडेश्या पयशांची खात्री सयत ताका मेळ्ळी. त्याच हुमेदीन तें धन्यागेर पावलें.

पूण धन्यान ताच्ये आशेक कुराड घाल्ली. "तीन कासांच्या... दुबळें म्हण तुका इतले दीस सोडल्लेंच तुज्या मस्तकाक चडलें न्हय? म्हजेकडेच कानून उलयताय-गी तूं?." धन्याच्या धेंकण्याक जास्मीन सगळेंच कालुबुलें जाल्लें. ताची जीब घुस्पडली. "तशें न.. न.. न्हय धन्या. सर्वां घरां बांदून आसात... तशें प्रायेर म्हजें म्हळ्ळें एक प.. प... पाकें आसूंदी म्हण..." ताच्या दोळ्यां थावन सराग दुकां व्हाळ्ळीं. दुकां पळेवन धनी इल्लो शेळेलो... तरी थीर आवाजान सांगालागलो "पळे जास्मिना... तुजें कुटम आदीं थावन

आसल्लें म्हण हांवयी वगोच आसल्लों. कानुना प्रकार जागो तुजो व्हय तरी, तुवें इतल्या व्हडा हितला मधेगात घर बांदून दवरल्यार, म्हज्या जाग्याक मागीर मोल खंय आसा? आतां आसच्या घरांत रावताय, राव. पूण घर गीर म्हण भायर सरल्यार वोगो रांवचो गिरायक हांव न्हय. पयलेंच सेझ–गीझ म्हण म्हजो जागो वेच्यार आसा. सांगाता तुजी मिजास्की... आसल्लो इल्लो जागो पाड करुकं"– तितल्यार ताचें मोबायल व्हाजलें; पुताचो फोन म्हण तो भितर गेलो. जास्मीन इल्लो वेळ राकोन रावलें. पुताकडे इगंलिशांत कितें–गी उलयतालो तो – सेझ सेझ म्हणचें आयकलें ताका. ताणें वेग्गीं भायर येंवचीं खुणां दिसुंक नांत. जास्मिनान आपल्या खोमटाची वाट धरली.

तें शेरमेवन गेल्लें. वकीलाक धरून झुजोंक जांवचें न्हय म्हण ताका कळीत आसल्लें. देकून तें वगेंच रावलें.

पूण एक दीस अचानक धनी येवन तांगेर पावलो. साबार म्हयन्यां उपरांत. कोणाचें–गी हितल नितळ करुकं गेल्लें जास्मीन, न्हावंक गेल्लें. धन्याक ताणें न्हांवचो आवाज आयकलो आनी तो थंयच घरा मुकल्या काट्यार बसलो. इल्लो रागारच आसल्लो तरी, पुताच्या उतराखाल सोल्लो करुकं म्हण तो आयिल्लो.

न्हाण्येंत उदकाचो आवाज रावलो. इल्ल्या वेळान, अर्धो वोलो घागरो रेवडावन जास्मीन न्हाण्येंत्यान भायर आयलें. खांदार सुटयिल्लें कापड... शेंडो पाणीपोंजेंत गुटलायिल्लो.

धन्याक पळेवन जास्मीन धडबडलें. आपल्या अरध्याकुऱ्या न्हेसणां निमतीं सगळेंच लजेलें आनी "आत्तां आयलीं" म्हण सांगून भितर धांवलें.

भितर काळोक आसल्लो. ताणें वस्तूर सोधलें. चिमणीं भायर सोप्यार आसल्ली. कापड मेळ्ळें पूण बाजू मेळ्ळीच ना. काळकांत सोधचें या भायर वचून चिमणी हाडची दोनयी जांवचें न्हय. फकत मिनुटान कापड रेवडावन तें भायर आयलें "तुमी आयिल्लें म्हाका कळुंकच ना..." तकली अरथी सकला घालनच सांगलें ताणें "सांगून धाडल्यार हांवच येतीं."

"आसूं..." एक खीण तो जास्मिनाक जोकून रावलो. ताणें ताचो ताळो इल्लो सडीळ केलो आनी तो शीदा विशयाक आयलो "तुका घर बांदिजे म्हणतालेंयमू, तुका जागो दितां. पूण ही जाग्या अडी न्हय. ही तुवें सोडिजे आनी... तेवशीन नंय तडीर तुका हाच्याकी इल्लो चडच जाल्यार जागो घे... जाय तशें घर बांद... कितें म्हणताय?"

जास्मिनाक जीब सुटली ना... इतलो बरो प्रस्ताप, तेंय ताणें आशा सोडन बसल्ल्या तेदना... ताका ताच्या कानांक पात्येंवचेंच कष्ठ जाल्लें. ताणें तकली हालयली "जायत जायत... तुजो उपकार... म्हाका घर बांदूंक जागो जाल्यार पुरो... चडीत कांय नाका."

"जायत तर, हांव सेक्रेटरी कडे उलयलां. फाल्यां पंचायताक वचून तुंयी उलोवन ये. हांवें केदळा येजे म्हण सांग... येवन सैन घालतां" तो उटलो आनी चल्लो.

जास्मीन ताच्या फाटल्यान आगंणा पर्यांत आयलें... ताचो ताळो भरून येतालो... "म्हाका दुराशा न्हय धन्या... पडोन मरूकं एक पाकें. बेजार करिनाका धन्या" ताका सोसूंक जालें ना.

धनी मुकार गेल्लो, रावलो आनी फाटीं घुंवलो. "तशें रडनाका जास्मिना..." भुजां हळू पोशेवन म्हणालो "तुवें काडल्ले कष्ट हांवें पळेल्यात. आतां नव्या घरांत सुखान जिये."

*****

दोनपाराच्या आव्संरांत जास्मिनाक कितें आयेर आयिल्लें म्हळ्ळें सयत पळेवंक पावट जावनातली. कान्याक आयिल्ल्या लोकान चडावत कवरां दिल्लीं... थोड्यांनी पन्नास, थोड्यांनी शेंभर... अशें पूण धन्यान मात्र एक पॅकेट दिल्ली. धनी आयिल्लोच व्हड. तांतूंय आयेर म्हण पॅकेट दितान जास्मिनाक उमाळुनच आयिल्लें. आयिल्ल्या शेजारच्यांचे दोळे एक घडी ताचेर थांबल्ले तें ताका उगडास आयलो. पॅकेट उगती करुकं लागलें तें हळतान... तांबडें हुंडू हुंडू कवर... ताचेर एक ल्हान-शी चीट. ताका वाचूंक कळ्ळें ना... भोव नाजुकायेन ताणें ती पॅकेट सुटयली... भितर एक कापड... दुदा रंगाचें आगं आनी बारीक तांबड्ये झरिचें कापड. रस्माचेंच जायजे... थळथळीत... पर्जळीत. कितले दीस जाल्लें ताका एक कापड मेळून... तांबडो रंग म्हाका घोव आसूनयी नातल्ल्याक सारको दिसना... पूण... आगं कांय तांबडें न्हय... बारीकशी देग मात्र. धन्यान दिलां तर... न्हेसनासतां रावूंक जाता?

उरल्लीं आयेरां सर्व थंयच सोडन तें भितर गेलें आनी कापड न्हेसूंक लागलें. तांबड्या रंगाच्ये झरीक धवी चोळी सोभता-गी, काळी सोभता? ताका कळ्ळेंना. बाजू विंचली. ताणें न्हेसचें सोंपयलें आनी इल्ले केस उगयले. उगयताना देखलें ताणें... केसांनी थंय हांगा धवे केस दिसूंक सुरू जाल्ले? "इतले दीस हांवें पळेवंकच ना-मू" आज्याप दिसलें ताका "वरसां चाळीस जावंक आयलीं न्हय-गी. काम केल्लो जीव, घट आसा. पेंकट बारीक. हे धवे केस केदळा उदेले?" दोळ्यांक दिसल्ले धवे केस पूरा ताणें हुमटून उडयले.

"होच-गी तो धनी तर?" तें चिंतालें "घर बांदूंक एक कुडको सुवात दीवंक वरसांगटल्यान वांदे केल्लो मनीस होच-गी तो? मनीस आसल्लेबरी आसना तें सत न्हय-गी? म्हजें म्हळ्ळें एक बिडार आज आसा तर, ताचीच दया न्हय-गी?"

धन्यागेर वचून "देव बरें करू" पुणी सांगून येजे न्हय-गी? ती आलोचन आयिल्लीच,

जास्मिनाक बसूंक जालें ना... "उपकार बावुडल्यार आजच बावडिजे... घोव म्हळ्ळो आसूनयी नातल्ल्या म्हाका तोच एक आधार जाल्लो. ताका दीवंक म्हजे लागीं कितें आसा? कांय न्हय तरी उपकार तरी बावुडना तर?"

तें उटलें आनी तोंड धुवन आयलें. न्हेसल्लें कापड आनी इल्लें सारकें केलें आनी धन्याच्या घरा तेवशीन चलूंक लागलें. चंद्रेम आकासार चडल्लो... दाट माडांच्ये सावळेंत ताका पांया वाट सारकी दिसा नातली तरी अंदाजान तें चल्लें.

धन्याच्या घरा लागीं येताना ताचे पांय एक खिणा थांबले. सुणें फाटीं फाटींच येतालें ताचें "हूइत.." करन ताका आबुंडलें. "तुजें पोट आनिकी भोरुनांरे? थंय ... वच घरा"

धन्याच्या घरचीं मेटां चडताना जास्मिनाक लज लज भोगली... "ह्या वेळार आयिल्ल्याक धनी रागार जायतगी?" म्हण चिंतीत तें दारा लागीं पावलें. दार उगतेंच आसल्लें. धनी फोनार आसल्लो. जास्मिनाक पळेवन उलोंवचें अरध्यारच रावोवन दारा कडे आयलो.

"हो हो... कितें नव्या घरची येजमान. कितें आमचो उगडास जालो?" हासत्त आयलो. पन्नास वरसांचो तरी चाळीसांच्या बरींच दिसतालो.

"तूं कालें धन्या... तशें पूरा म्हणताय? पूरा तुज्ये दयेन. ना तर हांव आज एक मनीस जातीं-गी? जाग्या पासत जाल्लें सर्व विसर धन्या. हांव आनी खंय वेतीं? दुसरो कोण म्हाका आधार दितो?" ताका दूक उमाळून आयलें. पालंव तोंडाक आड दवरन तें रडलेंच.

"तशें रडनाका जास्मिना" ताचीं दोनयी भुजां थापडून म्हणालो तो. "तुवें काडलले कष्ठ हांवें पळेल्यात. आतां नव्या घरांत सुखान जिये."

"जायत धन्या... तुजो उपकार हांव विसरना. ताचो ताळो फुलोन येतालो "आनी मुकारी म्हाका सांबाळ." ताणें दुखां पुसलीं "कितेंय काम तर, कितेंय... म्हाका आपय..."

"आसूं आसूं..." मोवाळ उलयलो तो "आतां घरा वचून इल्लो सुशेग कर."

जास्मीन सुस्कारीत दारा तेवशीन चल्लें. हरध्यांतलें व्हड वजें देंवयिल्ल्या बरीं भोगलें ताका.

"जास्मिना..." धन्याचो ताळो परत आयलो. जास्मीन विज्मीत जावन घुंवलें. धनी ताच्या फाटल्यान्चं आसल्लो.

"घे, हे पयशे. न्हेसल्लें कापड तुका सोभता. ताका सारकी एक चोळी शिंवय. ह्या कापडाक ही चोळी समा दिसना. घे.."

जास्मिनान उलोवंक तोंड काडच्या पयलेंच टेलिफोनाची कांपीण वाजली. “घे...घे, कितें चिंताय, आसूं.” पयशे जास्मिनाच्या हातीं चेपून, ताच्या बावळ्यांचेर हळू थापडून धनी आवंसरीं चल्लोच... फोन उकलूंक.

घरा फाटीं वेतना जास्मिनाक काळीज हगूर जाल्ले बरीं भोगलें. जास्मिनान भुजांचेर आपले हात भोंवडायले... मंद हासो ताच्या वोंटांचेर खेळ्ळ्यो. घरा वचून चोवकेरच आड पडलें.

हांगा फोनार धनी लॉयराक सांगलो “हां कामती माम, बरया वेळार फोन केलोय. गवर्नमेंटाकडे ‘सेझा’ विश्यांत झगडोंक जांवचें न्हय. फकत वेळ पाड. आमचें ऑब्जेक्शन फाटीं काड्यां.”

“पूण तुजो, न्हंय तडीचो जागो, ल्हान ‘चेक–डॅम’ बांदून रॅसॉर्ट करचें तुज्या पुताचें प्लॅन... ‘सेझ’ आयल्यार सर्व वेतलें” लॉयर घुस्पडलो.

“ताका एक उपाव आसा... खंयच्या तरी एन.जी.ओ.क फोन करन सांग... नंय तडीर जास्मीन म्हळ्ळ्या एक्ये दुबळ्या एकसुन्ये स्त्रीयेचें घर आनी जागो आसा. ‘सेझ’ आयल्यार तें सर्व वेता म्हण... उरल्लें ते पळेवन घेतले. कांय ना तरी एक धा वरसां तो जागो म्हाका उरतलो. तितलें पुरो म्हाका, रॅसॉर्ट करन दुड्डू काडूंक” तो हासलो आनी उलोवणें आकेर केलें.

हेवशीन जास्मिनागेलें सुणें मध्याने रातीं माडांच्या मडलांची सावळी हालची पळेवन बोळ्ळू घोंकतालें. जगलेर दवरलल्या चिमणेंत उरल्लें इल्लें मात्र तेल... उजवाड फांकोवंक कष्टातालें. जास्मीन मात्र जगलेर बसल्ले कडेच निदेक निसराल्लें.

2012

घाण

घाट देंवून थकल्ल्या बस्सा थावन हांवें देंवताना, सास्तान अनिकी नव्या दिसाक तयार जावंक नातल्लें. सकाळिंचीं वोरां स जाल्लीं तरी, गांव नव्या दिसाक वोळकूंक अनिकी पुरतो तयार नातल्लो. आसल्ल्या एकाच रिक्षार बसलों. भाड्याचे पयशे म्हण बोल्सांत सोदल्यार फकत पांयशांचे नोट मात्र आसल्ले. हांवें बॅग उगतें करन, कंत्रळांत सास्पूंक सुरू केलें. पर्स वस्तुरां पोंदा आसल्ली. हांवें वस्तूर भायर वोडलें... संजीवाक दींवक म्हण बायेन दिल्ली भावोजिची पोरनी बर्मुडा चड्डी भायर आयली. पर्स मेळ्ळी ना. आनी इल्लें सास्पीताना, चड्डे पोंदा आसल्ली पर्स. सोदलें. हा... आसल्ले... पन्नासांचे दोन नोट आसल्ले. हांवें ते चिल्लर काडन बोल्सांत दवरन, बोल्सांतले पांयशांचे नोट फाटीं परसांत घाले. तितल्यार म्हजो जुंवो आयिल्लो. सकाळ सकाळिंचे चिल्लरिचे कर्कर चुकले म्हण समाधान जालें. रिक्षाचें भाडें फारीक करन देंवलों. रिक्षा भाडें पांच रुपय चड जाल्लें.

घरच्ये वाटेक लागताना बायेन दिल्ल्या कामाचो जोप जालो. कर्करगी, अजापगी म्हण कळानातल्ले विचित्र बांदपास जागले. बायेची एक समजानातल्ली रिवाज. हरयेक वर्सा त्या संजीवाक एक पोरनी चड्डी दिंवची – त्या घाणकुट्याक कितें केल्यारी समा करूंक जांवचें न्हय – हें कळीत आसूनयी.

संजीव या 'घाण संजीव' म्हण आमी ल्हानपणार वळकल्लो, दीग कुडीचो, बळिष्ठ बावळ्यांचो, दिवरांचो – आमच्या जुंव्याचो. आमगेर अपरूप कामाक येंवचो. म्हाका बूद आयिल्ल्या थावन एदोळ म्हणासर बदलानासताना उरल्लो एकलो मात्र कुलकार. गांवभर दिसाची कूल चारशीं जाल्यारी, आजिकी पन्नास रुपय घेवन, एक मुडो तांदूळ च्यार मयलां व्हावोंवचो एक मात्र जण. तो न्हायना तें ताचे भोंवतणी पाजारून आसचे हळ्त घाणीन रुजू जातालें. तो लुंबाना म्हणचें आमा भुरग्यां मधलें राजांव. वस्तूर बदलुंची संवय ताका नातल्ली. एका वयर एक वस्तूर न्हेसतालो. तशें म्हण पिसोय्र न्हय. केन्ना केन्ना खाड तासून ट्रिम जावन येतालो. ह्या घाणकुट्याक कोण खाड काडता म्हळ्ळ्या आमच्या सवालाक जाप मेळूंक नातल्ली. जर जेंवचो तांदूळ हाणें व्हावोवन हाडल्यार गांवांत कोणायकी आक्षेप नातल्लो तर, पांच रुपय घेवन ताचें खाड काडुंकयी कोण तरी केलशी आसतलोच.

*****

म्हजें बाय बारीच हुशार आनी जोर. आतां जाल्यारी दादल्यांनी करुकं फाटीं फुडें पळेंवच्या कामांत सयत शीदा रिगून करोवन हाडता. पोयर कोणेगी एकल्यान ताच्ये गार्मेंट फॅक्टरी कडे येवन चंदा विचारल्लो – अपूण मुत्तप्पा रै कडचो जण म्हण सांगून. हें शीदा मुत्तप्पा रैचो कसोगी फोन नंबर सोदून, शीदा ताकाच फोन करन उलयिल्लें. उलोवणें मुगदाताना मुत्तप्पा रैच्या कुळवारांनी त्या मवाल्याक व्हाजोवन जाल्लें.

असलें बाय, तेदळाय अशेंच आसल्लें. तेदळा म्हळ्यार ताणें कल्यानपूर कॉलेजीक वेताना, हांव सास्तान हैस्कूलाक वेताना. एकलो मवाली सदां बसस्टँडांत रावून

आसतालो – प्रकाश म्हण, आमच्या जुंव्या तेवशिलो. ताचो बापय गादे कोसतालो, हो गाद्या काम करुकं फाट बागवानासताना, थोडे दीस गॅरॅजींत काम करतालो. उपरांत तेंय सोडल्लें दिसता. केदळाय पेंटेंत पडून आसतालो. येंवच्या वेच्या सर्व चेडवांक चिडांवचेंच ताचें आनी ताच्या इष्टांचें काम. बाय पळेवंक गोरें आनी जिवान लांब दीग. तशें जावन चेड्यांच्यो किरिकिरी इल्ल्यो चडच आसताल्यो. पूण हें ताका पुरा तकली पाड करन घेनातल्लें.

प्रकाश ताका 'मल्लिगे मल्लिगे' (मोगरें मोगरें) म्हण चिडायतालो, बायेचें नांव 'जास्मीन' देकून. पूण बाय ह्या सरवांक चड गुमान दिनातल्लें, चडावत चेडवां बरीं; ह्या कानांत आयकुंचें आनी त्या कानांत थावन सोडचें.

एका महालक्ष्मी फेस्ता दीस, कॉलेजींत 'सारी डे' म्हण बाय कापड न्हेसून गेल्लें. त्या दीस मात्र प्रकाश पिसोच जाल्लो.

"अ मल्लिगे... निन्नोंदिगे... नानिल्लवे सदा" (ओ मोगऱ्या, तुजे सांगाता, हांव आसां न्हय सदां) अशें सिनेमा पद गावंक सुरू केल्लें.

बायेक राग तकलेर चडल्लो. तें शीदा ताचे कडे चल्लें.

"एय...कितें? कशें आसा जिवाक? वोगो रावतायगी ना..." धेंकणो घाल्लो.

बायेच्या हठात्त धमकेन इल्लो कालुबुलो जाल्ल्या ताका सैराण सांबाळूंक इल्लो वेळ लागल्लो. ताचे ईष्ठ भोंवारीं बसून हासताले.

"चड मीत मिर्वल्यार, हांव वोगो रांवचींना" इतलें सांगून, बाय फाटीं आयिल्लें.

पूण तो बायेची ही चाल आपणाची जीक म्हण समजाल्लो. चेडूं म्हजे कडे उलयलें. हाचो अर्थ तें म्हाका पळयता. हांवें सांगचें ताका लागलां... अशें चिंतून तो सुर पियेल्लो मांकडच जाल्लो. पूण हें आमकां तेदना कळूंक नातल्लें. बायेक आनी ताची शिमटी जावन वेच्या म्हाका असल्लें एकच समाधान म्हळ्यार – त्या घटना उपरांत ताणें बायेक चिडांवचें रावयिल्लें. फकत दोळे वाटारन पळेतालो मात्र. "मार सुटली" म्हण बाय खूश जाल्लें.

सुमार एक म्हयनो उतराल्लो. त्या दीस सकाळीं हांव आनी बाय बसस्टँडाक पावूंक आनी कितें दोन मिनुटांची वाट मात्र. प्रकाश वाटेर उबो आसल्लो. विचित्र दिसतालो. इल्लें वस्तूर बरेंच न्हेसंल्लो. खाड तासल्लें. रावल्ले कडेच मिडकातालो.

"जास्मिना..." मोव ताळ्यान म्हणालो तो "हें तुका..." ताणें आपल्या फाटल्यान लिपून धरल्ली मोगऱ्या फुलांची अट्टी बाये कुशीन वोड्डायली.

"म्हाका नाका" बायेन ताचे कडे समजानातल्ल्या बरीं पळेलें.

"म्हाका कित्याक दिताय हें?"

"तुका..."

"म्हाका...?" बायेक हळ्त राग चडतालो. "म्हाका फुलां हाडन दीवंक तूं कितें म्हजो घोवगी?"

"घोव न्हय तर जाव्यां" मस्किऱ्यांनी म्हणालो तो "भेश्टें काल्याक नाटक करताय? तुजो भाव आसा म्हणगी... तो ल्हान, कोणाकी सांगीना" आनी इल्लो आमचे लागीं आयलो "सांगीनांय मुरे?" हांवें बायेच्या हाताक धरलें. "ना...ना..." गागेलों हांव.

बाय उलोवणें वाडोंवक मन नासतां पेंटे कुशीन चलूंक लागलें. रान मुगदोन आयिल्लें... पेंट दिसताली. आनी एक मिनूट चल्ल्यार बसस्टँड. पूण प्रकाशाचें मंगाणे रावूंक ना, फाटीं फाटींच आयलो. बायेन सरारां पांय काडले.

"पळेलेंयगी... तुज्या भावाचे कांय तोंद्रे नांत. तुवेंच धयर करिजे. मागीरचें हांव पळेवन घेतां. सद्द्याक तूं हीं फुलां घे" बायेच्या केसांत शिरकांवक आयलो तो.

आतां बाय वागीण जाल्लें. "तीन कासांच्या, तुका म्हजो घोव जायजेगी? पोयर पेंटेंत मऱ्याद काडल्ली पावूंक ना न्हय? फुलां माळयजेगी तुका?" बाय बागवालें आनी दाव्या पांयाची व्हाण काडली. हांवें कितें जाता म्हण समजुंच्या पयलेंच बायेन प्रकाशाक व्हाजोवन जाल्लें. "घे... तुमच्या तसल्या भुतांक हेंच समा. आनी पुणी म्हज्ये खबरेक आयल्यार पोलिसांक कंप्लेंट दितां. हडबो खंचो...!"

प्रकाश वोगोच रावलो. कोणे तरी पळेलेंगी म्हण भोंवती चोयलें ताणें. कोणी नातल्ले.

व्हाणा मार खाल्लो प्रकाश कितें करीतगाय म्हण चिंतून हांव पेंटे तेवशीन धांवलों. बाय सयत म्हजे फाटल्यान आयलें. प्रकाश आमचे फाटल्यान आयलो ना. इल्ल्या वेळान घुंवून पळेताना घराची वाट धरन वेता तें म्हाका दिसलें. भिंयान कांपतालों हांव. बाय इस्कोलाच्ये गेटी पऱ्यांत म्हाका सोडन उपरांत तें कॉलेजीक गेलें.

मार खेल्लो प्रकाश मात्र, च्यार दीस पेंटेंत पळेवंकच नातल्लो. हांवें मुगदालें म्हण चिंतलें.

त्या दीस आयतार. आमी वेचें तडव जाल्ल्यान, बारकूर इगर्जेक वेच्यो दोणी सर्व पाशार जावन गेल्ल्यो. देकून हांव आनी बाय, सांकोव उतरन सास्तान इगर्जेक मिसाक गेल्ल्यांव. मीस सुरू जांवचें साडे नोव वोरांक तर मुगदोंचें पावणे इकरांक. मिसा उपरांत निसत्याक कांय ना म्हण मांयन मास हाडूंक सांगल्लें. इगर्जे कडे थावन पेंटेक येवन मास घेवन येताना वोरां बारा उतरूंक जाल्लीं. वोत तापूंक सुरू जाल्ल्यान पेंटेंत लोक इल्लो उणोंच आसल्लो.

तितल्यार प्रकाश मुकार मेळ्ळो. बाय ताचे कडे पळेवंकच गेलें ना. तो मात्र म्हाकाच पळेवन आसल्लो. आमी ताका उतरन मुकार गेल्यांव. हांव बायेचो हात धरून चलूंक लागलों. इल्लें मुकार वेतच हांवें घुंवून फाटीं पळेलें, प्रकाश आन्येकल्या ताच्या इष्टा सांगाता पयस चलून वेचें म्हाका दिसलें. बसस्टँडाच्या फाटल्यान वचून ते म्हज्या दिश्टी थावन पयस जाले. म्हाका इल्लें धयर भोगलें. हांवें बायेचो हात सोडलो. बाय वोगेच आसल्लें.

बाय मासा आगंडी भायर रावलें. हांवें भितर वचून मास हाडलें आनी आमी घरा कुशीन चमकल्यांव. इल्ली वाट लागीं जाता म्हण रस्तो सोडन बसस्टँडाच्या फाटल्या पांय वाटेन चलूंक लागल्यांव.

ही वाट बारी विचित्र. पयलें पन्नास मेटां माडां तोट मेळता, उपरांत एक ल्हानशें रान, एक दोनशीं वांवां तितलें, तांतूं एक नाग–बन, त्या उपरांत शेंभर वांवां तितली रेंवाळ वाट, उपरांत एक मयला तितले गादे, उपरांत एक मयल रस्तो, उपरांत आमची नंय, अमचो जुंवो आनी उपरांत आमचें घर.

रस्त्याचें वोत सोडन रानांत रिगतच म्हाका समाधान जालें. हांवें बायेलागीं गजाली सुरू केल्यो. बाय आतां सुडाळ जाल्लें. आमी अरधें रान उतरल्लें मात्र, दादल्यांच्या हाश्यान आमकां रावयलें.

"प्रकाशा... हांगा पळयरे... तुजें... मल्लिगे. मल्लिगे आयलेंरे..." प्रकाशाचो ईष्ठ फक्का हासतालो.

प्रकाश आमचे वाटेक आड रावलो. तोंड विकार जाल्लें. इल्लो पियेल्लोगी या घामाचिगी, घाण आसल्ली. काळशें तोंड वोतांत अनिकी चड काळें जाल्लें.

"कितेंगो घोड्या... म्हाका व्हाणांत मारताय? तितलोय सोकगो तुका. फुलां दिल्यार, नाका जाल्यार नाका म्हणचें. म्हाका, मिशी आसच्या दादल्याक कितलो आसूंक नजो... ? देंवयतां पळे आज तुजो सोक... तुका आज शिकयतां बूद..." प्रकाश बायेच्या लागीं लागीं येतालो, हांवें किंक्राट मारली. तितल्यार ताच्या इष्ठा फक्कान म्हजें तोंड दांबून धरलें. हांव भियान थर्थरूंक लागलों.

प्रकाश बायेच्या आनिकी लागीं सरलो. बाय फाटीं फाटीं वेतालें

"एय प्रकाशा... नाका पळे, नाका पळे..."

हांवें भोंवारी चोयलें आनी बोबाट घालूंक प्रयतन केलें. आवाज भायर पावलो ना. नर मनीस दिसूंक ना. कोणी कुमकेक येंवचो संद्राप नातल्लो.

प्रकाशान बायेच्या आगांर हात घालो. बाय झगडलें. पूण प्रकाशाच्या बळा मुकार ताचें चल्लें ना. आनी नाग बन तेवशीन वोडन व्हरुकं लागलो. बाय बोबाटलें. झगडलें. प्रकाशाक एकल्याक बायेक धरून रावूंक कष्ठ जाताले. "फक्का... हें हडबें बरें घट्ट आसारे. बारी उरडता. त्या चेड्याच्या तोंडांत इल्ली खोली चेपून, वालींत बांदून घाल. मागीर ह्या घोड्याचे इल्ले पांय धर."

फक्कान म्हाका बांदून घालें. दादले दोग जाताना बायेचें बळ सलवालें. ते नाग बन फाटल्यान मायाग जाले. हाव गोरूं रडल्ल्याबरीं रडतालों. बनाच्या फाटीं थावन म्हाका बायेचें रुदान आयकतालें. "सोडा म्हाका... सोडा म्हाका" ताचो आवाज क्षीण जावन येतालो.

तेदळा म्हाका संजीव दिसल्लो, मात्यार तांदळा मुडो घेवन येते आसल्लो.

राना तकले थावन तो म्हज्या लागीं पावता म्हणसर म्हाका हजारों वरसां पाशार जाल्ल्या बरीं भोगलें. ताणें म्हाका पळेलें. तांदळा मुडो सकयल उडोवन म्हजे कट सुटयले. हांवें गागेवन "बाय बा...य" म्हण बना तेवशीन बोट करताना, तो तेवशीन धांवलो.

बनाच्या फाटीं पावल्लो संजीव रावलो. हांव ताचे फाटल्यान. बाय धर्णीर आसल्लें. संजीवान हें पळेलें. पळेवनच रावलो दोळे वाटारून.

“एय संजीव वचरे... हांगा कितें पळेताय?” प्रकाश भेष्टायलागलो. संजीव हाल्लो ना. फात्रा बरीं उबोच रावलो. ताका धांवडांवक फक्का उटलो. ह्याच अवकासांत बाय प्रकाशा थावन सुटलें. एक खीण ताणें तेवशीन वेचेंगी या हेवशीन म्हण जोकलें. ह्या दोगां दादल्यां थावन चुकून धांवचें तितलें सलीस नातल्लें. कितें चिंतलेंगी बायेन, ताणें वचून संजीवाक पोटलून धरलें. कितें घडलें म्हण थोड्या खिणांक कोणाकी कळ्ळें ना. सयर भयर जाल्लो संजीव “बायम्मा, बायम्मा” म्हण फुसफुसतालो. बायेचे हात संजीवाच्या जिवा भोंवारी अंरदाल्ले. तिचे दोळे मात्र ह्या दोगांचेर आसल्ले.

“शी... हें कसलें घाणकुटें सायबा...” फक्का सांगलागलो “थू... व्याक... प्रकाश तुजें मल्लिगे तुंच हुंगरे... आमकां ही घाण नाका.”

इतल्यार संजीवाक कितें जालेंगी... तो आपले हात आपल्या मात्याक बडयलागलो आनी विचित्र हुंकारे दींवक लागलो. राकेसा बरीं ताचो जिनोस जाल्लो. तोंडांत फेण–सो देंवून तो विकार जालो.

ते दोगी पळ्ळे. हांव थंयच रुका बरीं रावून आसल्लों, धांवचें या रडचें म्हाका विसर पडल्ली. सुमार पांच मिनुटां उतरलीं. बाय स्थिमितार आयिल्लें. संजीव थंड जाल्लो. बायेन ताका सोडलें.

“संजीव, वच्यांगी” बायेन विचारलें. “हां..” संजीव म्हणालो. बायेन तांदळा मुडो संजीवाच्या मात्यार चडयलो. खंयगी पडून गेल्ली मासाची पोटलीय मेळ्ळी. पोत्याक माती लागल्ली तरी मास कांय जांवक नातल्लें. बायेन माती पुसली. आमी तेगांय घरा कुशीन चमकूंक लागल्यांव. हांवें उलोवंक तोंड काडलें तरी बायेच्या एकाच नद्रेक हांव मौन जालों. आमी कोणी उलोवंक नांव.

*****

घरा आयिल्लें बाय एक दीस रुमा थावन भायर आयलेंच ना. पप्पा आनी मांय रुमाक गेल्लीं आनी घंटोभर उलोवन रावलीं. पप्पा सुमार एका वोरा उपरांत भायर आयलो आनी म्हाका ‘आज जाल्ली खबर कोणायकडे सांगनाका’ म्हण ताकीद दिली. सांजेर पप्पा प्रकाशागेर गेल्लो खंय. कितेंच आवाज नासताना प्रकाशान गांव सोडन वचजे ना तर जैलांत घालन हाडां पिटो करयतां म्हण धमकायिल्लें. भियान थर्थरल्ल्या आवयन रडून मरून प्रकाशाक रातीकच बोंबय धांवडायिल्लें.

एका हफत्या उपरांत बाय परत कॉलेजीक गेल्लें. संजीवा हरशेंच्या बरीं नारल व्हावोवंक येतालो.

त्या वरसा थावन बायेन ताका ‘वस्तूर’ दींवक सुरू केल्लें. पयलें खाकी लुगट घेवन चड्डी शिंवोवन दितालें. तो ती चड्डी आपल्या दुसऱ्या चड्डें वयरच शिरकायतालो. थोड्या दिसांनी तीय दुसऱ्या चड्डें बरीं भुरशी जाताली. संजीवा थावन उटची घाणय तशीच आसतली.

आनी बाय केदळाय चड्डी दिताना पप्पा आनी मांयचे दोळे चुकोवन दितालें. भोवशा मांय पप्पाकी, संजीवान ताका राकल्ल्या विश्यांत सांगूक ना दिसता.

*****

थोड्या वरसांनी बाय काजार जावन बेंगळूर गेलें. बेंगळूर वेताना बायेची सूटकेस पेंटे पऱ्यांत व्हावोंवक संजीवा आसल्लो. ताका पप्पान आपयिल्लें या बायेन तें म्हाका कळीत ना. त्ये प्रायेर तें सवाल म्हाका येंवक नातल्लें. आतां सवाल उदेता तरी विचारुंक जायना. बायेन बस्सार चडताना संजीवा कुशीन एक नदर मारली या ना तें म्हाका कळूंक ना. भावोजी आड आसल्लो.

ह्या फावटींय बायेन चड्डी धाडून दिल्या – आतां खाकी चड्डे बदलाक भावोजिची पोरनी बर्मुडा चड्डी. सांगाता पन्नास रुपययी दिल्यात. दिंवचें काम म्हजें.

*****

जुंव्यार रजेचे दीस वेवेग्गीं पाशार जाले. सैरीक पळेंवचें, पासपोर्ट रिनीवल अशें जायतीं कामां आसल्लीं. हाचे मधें संजीव घरा येतागी म्हण पळेवनच आसल्लों. तो आयलोच ना.

वचूंक दीस उरला म्हणताना बायेचें फोन आयिल्लें. "संजीव मेळ्ळोयेरे?" सवाल आसल्लें "ना... येंवच्या पयलें पावीत करतां" हांवें ताका भासायलें. तें चडीत उलोवंक ना. सांजेर जेवताना म्हाका जोप जालो. मांयकडे विचारलें.

"मांय, हो संजीव कितें दिसना. आतां काम करनांगी?"

"तो रे, तो मेलोमू गेल्ल्या म्हयन्यांत" मांय सांगात गेली "प्राय सुमार-शी जाल्ली पळय... पावसाक भिजून शेळ जाल्लेंच नीब... ताप ताप म्हण ताप न्युमोनियाक पडलो खंय... दोनच हफत्यांनी मेलो बावडो."

"हो... व्हयगी" म्हाका मतींत खदवळ्ळे बरीं जालें. "तो आसताना तांदू गिंदू हाडूंक बरें जातालें. आतां रिक्षार हाडयल्यारी, रस्त्या थावन घरा हाडूंक जण मेळनांत" मांय मांयचें सांगताली, "तुका आनी इल्ली पॅज वाडचिगी?" म्हाका संजीव मेल्ली खबर आयकून कितेंगी जेवंक मन जालें ना. हात धुवन उटलों.

फाल्यां म्हाका फाटीं बेंगळूर वचूंक. संजीवा मेल्ली खबर बायेक कशें सांगूं म्हण चिंतून आसां. बायेच्या तोंडार कसलोय दुखाचो छारो पळेवंक मेळत या ना – हांतूं म्हज्या सबार वरसांच्या सबार सवालांक जाप आसतली. भावोजी आसताना सांगचेंगी या नातल्ल्या वेळार सांगचें – हेंय हांवें निर्धार करुंक ना. पूण बायेची प्रतिक्रिया निरलिप्त आसूंक पुरोगी म्हळ्ळी भिरांतयी आसा. बायेन दिल्ली बर्मुडा चड्डी फाटीं व्हरचिगी या हांगाच उडोवन वेचिगी – हें सवालयी म्हाका धोसून आसा.

2013

चरतलो

त्या दिसा किशोरान विचारता परयांत तें घर म्हाका फकत एक पाड पडल्लें घर मात्र. ताणें तें सवाल विचारल्ल्या उपरांत कांय शेंभर फावटीं, हरयेक फावटीं गांवांक आयिल्ल्या वेळार, हांव त्ये वाटे वयल्यान पाशार जालां आनी हरयेक फावटीं तें सवाल वेवेगळे भेस घेवन मतींत गाजलां. वरसां आदीं सुरू जाल्ली कांतोवणी आजून कांय रावूंक ना. जाप मात्र मेळूंक ना.

तें घर, शेटीगेलें; हांवें जल्मुंच्या पयलेंच रितें जाल्लें, वरसान वरसां कुस्कात्त, आतां पुरतें पाड पडल्लें घर. प्रस्तूत काळाक कसलेंच गांच नातल्लें घर, चरतेल्यांचें बीळ जावन उरल्लो भूत बंगलो. ल्हान आसताना भियेवन, आतां हासून काडच्यो चरतल्याच्यो काणयो मात्र म्हाका आनी त्या घराक आसल्लो गांच. घराच्यो जंत्यो थोड्यो निसराल्ल्यो तर, आनी थोडे कडे नळे फुटून, वणती वयर पावस पडून फातर भिजराल्ले. अयलेवार वणतींक फुटावळयी आयिल्ली. तरी, घरा मुकार आसचो विस्तार वेरांडा मात्र आदल्या काळाचो दरबार सोडूंक तयार ना तशें घट्ट रावल्लो. ताच्यो जंत्यो आनी पक्कास – धुंपाच्यो म्हण आयकल्लें हांवें – घट्ट रावल्ल्यो. हाच्या बळानंच थोडीं भितरलीं कुडां कुस्कनासतां शाभीत उरल्लीं. पूण आमकां सरवांक धांपून उरल्लीं.

कांय 'चरतलो' हाची राकण करून आसागाय? असलें एक असंबद्ध सवाल उदेल्लें. म्हज्ये फाटीची वळक म्हाका आत्तां जाल्ल्या बरीं, त्या घरा विश्यांत एकाच्छाणें उटून आसचीं सवालां...! चडीत पोकरून पळेजेच म्हळ्ळी खोरजोण चड जाल्ली. हांव 'इन्ना'क सोडून गांवांक भायर सरलों.

इन्ना... इन्नण्णा... आतांक आनी आदल्या काळाक गांच–सो आसचो म्हातारो कुल्कार – आमचो शेजारी; सराग 'नायकांची भास' उलोंवचो, लांबच्या मिरियो पडल्ल्या कातींतयी, 'प्रायेर घटमूट मनीस हो' म्हण पाचारचे हात पांय. ताच्ये प्रायेर, दिसाक हजार नारल काडन रायकुंवरा बरीं जियेल्लो खंय तो. आतां काम करुकं सकत उरूंक ना. पळेतेले नातल्ल्या हितलांचे नारल विंचून दीस काडता. हांव सकाळींचो नास्टो करन ताच्या घरा कडे चल्लों. सुर्यो सुमारचो तापूंक सुरू जाल्लो. इन्नण्णा आपल्या, अर्धें तयार जाल्ल्या, टेरेस घराच्या बागील नातल्ल्या दारवंतार बसून आसल्लो. हातीं बोटांनी पन्नास वरसां थावन जळून आसची बिडी.

"इन्नण्णा ... कसो आसाय?" हांव व्हाणां काडन, देगेन दवरन वयर चोवकेक गेलों.

"हो हो... फक्का नायक, यो...यो" म्हजो आवाज आयकून, हळू दीश्ट हेवशीन घुंवडायली ताणें.

“कसो आसाय?” हांवें भुजां थापुडलीं ताचीं.

“आमचें कितें? म्हातान्यांचें, सदाचें. आसां...” बिडियेचो मुंडू दारवंता देगेक घासून, देगेन दवरलो ताणें. “तूं कितें हेवशीन? इतले पयस? आयलेवार अपरूप जालोय.”

“आमी येंवचेंच दिसाक, दोन दिसांक न्हयगी?” हांवें कुलो तेंकलो.

“सकाळीं येवन बस्साची पुरासण काडची, दोनपारां थावन आयिल्लें काम करचें, दुसऱ्या दिसा सांजेर फाटीं” हांवें म्हजें पुराण सांगूंक सुरू केलें.

“एकेक फावटीं त्येच सांजेर गेल्यारी गेल्यांव.” हांव सांगात गेलों. पूण म्हजीं उतरां ताच्या कानार पडलीं तशें दिसलेना म्हाका. हेवशीन गण्णेंच ना तशें तो पयस चोयतालो. कितेंगी चिंतून आसा म्हातारो. ताची दीश्ट शेटिच्या घराक चोयतालिगी? या म्हज्या चिंतपा निमतीं म्हाका सर्व अशें भोगतालें?

म्हज्या जुंव्या तसल्या गांवांनी, घरां पणगील पडचें कांय नवें न्हय. पूण चडावत पणगील पडल्लीं आयलेवार, पेंटेक लागीं रावाजे म्हळ्ळी गिरांत सुरू जाल्या उपरांत. पूण तें शेटिचें घर मात्र सुमार पन्नास वरसां थावनच पणगील पडून आसा म्हण आयकला हांवें.

हेंच सवाल हांवें उडयलें इन्ना तेवशीन “इन्नण्णा, गांवांत सुमार कितलीं घरां खाली जाल्यांत आयलेवार? पयलें पाड पडल्लें म्हळ्यार फकत शेटिगेलें... आतां सुमारशीं घरां त्या लेकाक गेलीं...” म्हाका गर्ज आसल्ल्या विशया तेवशीन हांवें हळू उलोवणें घुंवडायलें. इन्नाच्या तोंडार एक विचित्र उजवाड खिणाक येवन मायाग जालो.

“कितें सांगचें फक्का” लांब स्वास सोडलो ताणें “गांव सोडलेलीं गेलीं आनी पेंटे देगेंनी बऱ्यान आसात. आमी राव्यां म्हण घर बांदूंक चिंतल्यारी हजार कष्ठ. पळे एक ठिकाणें बांदूंक सुरू करन वरसां दोन जालीं. काम मुकार वचना, रेंव ना, रस्तो ना. चिंतून चिंतून तकली पाड जाता”.

इन्नण्णाच्या चिंतनांचें मूळ ताणें उगतें केलें.

“ह्यां... तशें. जातलें जातलें...” हांव तोंडा पुरतें उलयलों. इन्नण्णान तकली हालयली.

आमचे मधें इल्लो वेळ फकत मौन उरलें.

“तुजे लागीं इल्ली काणी काडीजे म्हाका” हांवें सांगलें ताका परत विशयाक आपोवन हाडूंक.

“काणी? कहली काणी? आमची काणींच व्हड जाल्यामू”

“त्या शेटिगेल्या घरा विश्यांत, म्हजो ईष्ठ म्हाका विचारतालो...” हावें हासूंक प्रयतन

केलें "म्हाका म्हज्याच गांवाच्या ह्या व्हड घरा विश्यांत कळीत ना आसचें लज न्हयगी?" हांवें इन्नण्णाक देकलें – तो म्हजेंच तोंड पळयतालो. म्हाका हुमेद मेळ्ळी "तुज्ये प्रायेर तूं तांगेर कामाक वेतलोय म्हण आयकलां हांवें. व्हयमू? तें पाड पडल्लें कित्याक म्हण गोत्तासाजेमू तुका."

"हें ह्हें... शेटिगेलें घर... तें घर पाड पडल्लें त्या धुंपा रुकाच्या पक्कासा निमतीं सायबा. चरतलो आसा त्या घरांत. पाड पडनासतां आनी कितें जांवचें?" धडधड उलोवन गेलो इन्ना "शेटीण चरतल्याच्या भियान कशी कशी जाली; भुरगींय घरांत रावूंक भियेतालीं; शेटीक हळू आर मारली. देकून शेटीन गांवच सोडलो. घर पणगील" इन्नण्णान एकाच उतरान म्हाकाच कळीत आसल्ली काणी सांगून, आनी कितें उरलां सांगूंक म्हणचेबरीं तोंड केलें. तांका तें सर्व पोरनें उलोंवच्यांत कसलेंय मन नातल्लें. म्हाकाय कशी काणी मुकार व्हरची म्हळ्ळें कळ्ळेंना. हांवें विशय थंयच सोडलो आनी वाऱ्या वयल्यो मामूल खबरो उलोवन हांव घरा फाटीं गेलों.

तरी, मतिंतलो किडो वोगो रावलोना. 'चरतलो' म्हळ्यार निजायकी कितें? ताच्या निमतीं कुटम ओकाल उटता म्हळ्यार कशें? इन्नण्णान सांगल्ली काणी चंदमामाची काणी आसल्ल्या बरीं आसा. त्या पाड पडल्ल्या घराचो विशय आतां निगूढ दिसूंक सुरू जाल्लो; पुरतें समजानासताना म्हज्ये मतीक समाधान नातल्लें. किशोराचें सवाल हांवें कित्याक इतलेंय मतीक घेतलेंगाय? हें म्हाका आतांय समजणेक येते ना. ताणें एक सवाल विचारलें आनी आतां म्हाका तें सवाल मतीक चिडकून गेल्लें. हें सवाल किशोरान केल्लेंगी या म्हजेभितरच वरसां थावन लिपून आसल्लेंगी? असली एक विचित्र वरोवणी आज सुरू जाल्ली म्हाका. तें घर आनी त्या घराची काणी कितें म्हण जाणा जांवचें म्हज्या अस्तित्वाकच समजल्ले बरीं तशें म्हण म्हाका भोगूंक लागलें.

रात जाली. ह्याच चिंतनांनी पिकून हांव निदूंक गेलों. रातीक उबाळाचो धगगी या सवालांची कांतोवणिगी, नीद पडूंक ना. शेटिगेलें घर म्हाका आपयता तशें भोगूंक लागलें. आनी हांव उटलों आनी भायर चल्लों. मायन विचारल्यार 'मुतून येतां' म्हण मोटवी जाप दीवन भायर गेलों. अरधे निदेंत तेवशीन चलूंक लागलों.

चांदनें थोडेंच आसल्लें. शेटिगेलें घर पयस थावन अस्पष्ठ दिसतालें. चरतलो आसचें घर म्हळ्यार रातीक कशें आसूंक पुरो म्हळ्ळें चिंतप येताना अव्यक्त भ्यें काळजांत उटलें. थोडीं मेटां चलतच आर्का बरीं आसचें दार दिसूंक लागलें. हें दार फकत शेटिगेल्या घराची विशेषता. उरल्ल्या सर्व घरांक मामूल चौक दारां आसल्लीं. आर्काचें दार म्हळ्यार इगर्जेचें दार आसल्ले बरीं... रायाळ... खंयचो सुतारी मेळ्ळोगी हांकां हें पूरा करोवंक, तेंय त्या काळार..!

चरतल्या निमतीं शेटिणीक कित्याक 'कशें कशें' जालें? भुरगीं कित्याक भियेतालीं?

शेटीक आर मारल्ली चरतल्या निमतिंगी? ह्या सर्व काणयांचें नीज मूळ समजाजे आसल्लें. चांदन्या रातीच्या उजवाडांत हे घुट भायर येंवचे साध्य नातल्लें. भितर गेल्यार कशें? चरतलो म्हाकाय मेळत? म्हाकाय भियेवंक करीत? भितर वेची हुमेद जाली; पूण कसलिगी अव्यक्त भिरांत, भोवशा ल्हानपणार काळजांत रिगल्ली, म्हाका आडायलागली. म्हाकाय आर मारल्यार? भितर वेचें चिंतप थंयच सोडन, हांव घरा फाटीं आयलों.

दुसऱ्या दिसा, सांजेर पेंटे कडे गेल्लो. म्हाका थंय इन्नण्णा मेळ्ळो. म्हजी मत चुरूक जाली. "घेतायगी?" म्हळ्ळ्या सवालाक चड उलयनासतां ताणें म्हजो पाटलाव केलो. बाराक रिगल्यांव. हळत लोक आसल्लो. आमी एक कोनसो घेतलो. दोन पेग्ग पडतच इन्नण्णा इल्लो सुडाळ जालो. हांवें आन्येका कडे थावन उस्तूंक सुरू केलें. "इन्नण्णा, तुमचें कोलवाचें घर केदळा बांदल्लें तुमी? जागो दिल्लो कोणे तुमकां – शेटीनगी?."

"आमी घाटा मुळाचीं. हेब्री थावन भितर आमचो गांव. अळीय संतान पळे... बायलांचो अधिकार, घरभर मनशां. पूण घरांत लडाय. कसल्यागी झगड्यांत उतर जावन, म्हज्या बापायन गांव सोडलो. ताका कशिगी शेटिची वळक आसल्ली. ताच्ये वळकीर हांगा आयल्यांव. सुरवेर ती बांदून थोडे दीस काडले. उपरांत 'खुशी ओकाल' म्हण घर जालें आमचें – सलीस दीस ते – तोंडा उतरांत पूरा जातालें. ताकां घोळूंक जणा मेळ्ळीं आनी आमकां रावूंक एक पाकें". एक घोंट घेतलो ताणें आनी काणी मुकार गेली "शेटिणीक हांव म्हळ्यार भारी. कांय म्हाका विसांची प्राय तेदळा. गाद्याचीं कामां घाटारच करून जाणा आसल्लों. हांगा येवन हांगाचीं कामांय वेग्गीं जिकून धरलीं. दोणीसांगोड बांदूंक, भोरन उस्पूंक, काटीं बांदूंक, सारें पल्तडिच्या गाद्यांक व्हरुकं, कुडें करुकं अशें. हळ्ताचे माडयी चडतालों. तशें जाल्ल्यान सर्व कामांक म्हाकाच आपयताले शेटिगेर. शेटीणयी बऱ्यान पळयताली कामागारांक. चा–नीस दिताली. एक फावटीं म्हाका म्होंवा मूस चाबल्ल्या वेळार शेटिणीन म्हज्या भुजाक 'म्होंव' लायिल्लें वीक मरूंक"

तक्षण पोरनो उगडास जागो जावन इन्नण्णा फुल्लो.

'कशें अपूण' म्हळ्ळ्या जिनसार म्हाका पळेयलागलो.

होच आवकास म्हण हांवें परत चरतल्याची खबर काडली. "ह्या चरतल्याची काणी इल्ली सुडाळ सांग पळयां."

"चरतल्याचें कितें सांगचें? भारी उपद्र. त्या एक दीस... धनी भायर गेल्लो. घरा फकत शेटीण आनी भुरगीं; सांगाता काडल्ल्या नारलांची रास. तें राकूंक म्हण म्हाका काम. त्याच दीस कळ्ळें म्हाका चरतल्याचे तोंद्रे" लांब स्वास घेतलो इन्नण्णान "हांव सायबा... गोट्या देगेन आसच्या तण बडोंवच्या बांकार आड पडल्लों. तोच उगडास म्हाका. सकाळीं पळयल्यार शेटिगेल्या वरांडांत निदलां. कशेंगी कितेंगी देवच जाणा."

“तुका कितें चरतल्यान उकलन व्हरून दवरलें म्हणताय?” हांवें चिडायलें.

“आनी कितें म्हणताय? हांव कितें निदेंत चलतालोंगी?”

“हूं हूं आसूं. मुकार सांग”

“तरी म्हाका पळय... सिक्कापे धैर. हून रगत पळे... दुसऱ्या दिसाय गेलों निदूंक” सोऱ्या ग्लास हळ्तान घुंवडायलो ताणें “त्या दिसाय परत चरतल्याचे उपद्र. म्हाका न्हय शेटिणीक... त्या दिसा शेटीण घरा भितर निदल्ली येवन गोट्यांत पडल्ली. सकाळीं शेट येताना शेटिणीक घट्ट नीद खंय गोट्यांत भातेणा राशीर” व्हडल्यान हासलागलो इन्नण्णा... बारांच्या घुजगुज्यांती आमच्या कुशिल्या बांकार बसल्ले एक खिण वोगो जाले. पूण इन्नण्णाक हेवशिली पर्वा नातल्ली “मूळ कारण आसल्लें त्या घराच्या मोपांत–रे बाबा. तेंय वहोन वहोन घरा मधली ‘कोगूळ गुत्ती’ – तांतुंच बाधक. नागबनाचो नाटा खंय तो हेब्रिच्या भोटांगेल्या नागबनाचो. शेटीक कोणेंगी बॅरीन मांकड करन चोरयां दिल्लो खंय. हेब्री थावन उण्याक मेळ्ळो म्हण हाणें घेतलो. थंय थावन चोरयां दोणिंच्या पोंदल्यान बांदून वोडन हाडन हांगा घराक घालो. भारी बरें मोप; आतांय पळे, घ आसा. पूण तें चोरल्लें म्हण घर बांदतच कळ्ळें खंय शेटीक. शास्तीर केल्यार जातें, करुना. तुमी नायकांचे तें पूरा पात्येनांतमू. सुरवेर कांय नातल्लें खंय... उपद्र सुरू जाल्ले आमी हांगा येतेर दोन वरसांनी. चरतल्यानयी राकलें दिसता – शांती करतीत म्हण” परत घट्ट हासलो तो “हाणीं करुना. हांवेंय सुमार फावटीं सांगलें – तुमकां करूंक नाका तर, म्हाका सांगा. खर्च दिल्यार पुरो – हांव करयतां म्हण. आयकुना शेटीन. बेंजार, मागणें तें पूरा लागताये ताका. एक दीस माळ्यार कितेंगी आवाज म्हण पळेवंक गेल्लो शेट. कालेंगी चाबल्ल्या बरीं जालें खंय – त्या दीस थावन ताका एक थर आर मारल्ले बरीं – वांकडो वांकडो चलतालो”. हात तिर्कास करन दाकयलागलो इन्नण्णा, कसल्यागी अव्यक्त आनंदानशें. “तेदळाच चरतल्यान घरा निदल्ल्यांक उकलन दवरुकं सुरू केल्लें. भुरगीं रावूंक आयकना जालीं. दोन वरसांनी शेटीन घर सोडलें.”

लांब उस्वास सोडलो इन्नण्णान आनी ग्लास खाली करुकं लागलो. हांव ताचें तोंड पारकूंक पळेतालों. ताणें सांगल्ल्या काणये फाटली काणी इल्लिल्ली म्हाका समजाताली.

“जुंवो सोडन पेंटे देगेन वचून रावलीं तीं. त्या उपरांत तांकां इल्लें समाधान मेळ्ळें खंय.” एक बिडी पेटयली इन्नण्णान “म्हाका मस्त बेजार जाल्लें – आमची शेटीण सोडन वेताना... बरी मनीस. पूण करचें कितें? टैम. नारल काडूंक म्हण तवळ तवळ येताली. घराक फाटीं येतांव म्हणताली. पूण तशें जावना. भुरगीं बेंगळूर गेलीं. हीं म्हातारीं जालीं. सुमार वरसां जालीं – आतां येना. सरली म्हणयी आयकलें हांवें. एदें व्हड घर पाड पडून गेलें.”

"हञां... तशें तर. पूरा चरतल्याचीं कारबारां. शेटिगेली काणी मोपांतल्या शिरापान मुगदाली म्हणताय तूं. पूण तूं गम्मत आसायमू इन्नण्णा? घरांत निदूंक तूंय गेल्लोय?" हांवें पोकरी पोकरी हासो दिल्यो.

"व्हयरे बाबा... चरतल्यान म्हाका तोंद्रे करुनांत. आमी दुबळे म्हण ताकाय कळ्ळें आसतलें." ताणें लांब स्वास सोडलो आनी म्हजेर दीश्ट थिरायली. "सांगल्ल्या बरीं तुज्या पप्पान तें घर आनी आस्त घेवंक विचार केल्लो गोत्तुगी तुका?" एकाच्छाणें काण्येक नवी घुंवडी दिली इन्नण्णान.

"कालें म्हणताय तूं" हांव हांकरेलों "ह्या घरा थंय म्हाका उटल्ल्या अनवश्य आतुरायेक नवो अर्थ दिसलो आतां.

"तुमची आस्त शेटिच्या भावाकडे तुज्या पप्पान घेतल्ली - हें पुणी कळीतमू तुका?" विचारी इन्नण्णा.

"हूं... तें सांगल्लें आयकलां हांवें" म्हजी ल्हान जाप.

रातीचीं नोव जाल्लीं. आमी बारा थावन भायर आयल्यांव. आमी घरची वाट धरली. चांदनें कालच्याकी आज इल्लें चड आसल्लें. थंय थंय मोडां आसल्ल्यान दिसता उजवाड चड उणे जातालो. आमी हळू मेटां काडलीं. इन्नण्णान मुंदरिलें "तूं जांवच्या पयलेंची काणी ती. तुजो पप्पा बोटीर कामाक वेतालो. बरे पयशे आनी धैरयी चड. शेटीन घर सोडतर एक फावटीं हिताल आनी जागो विकचें म्हण केल्लें. पूण काणी कळीत आसल्ले कोणी धैर करीनातल्ले. पूण तुजो पप्पा तयार जाल्लो. तुज्ये माम्मीन कितलें सांगल्यारी आयकूंक ना खंय. तुज्ये माम्मीक म्हजेर भारी विश्वास - शेटिणी बरींच. तिणें म्हाका सांगलें - तुज्या पप्पाक त्या घरची काणी सांगूंक. तुज्या पप्पाकी भोवशा अशीच काणी सांगल्ली हांवें." ताणें थिंपी गिळ्ळी. "कोणायकी आयकनातल्लो मनीस तो - कितेंगी हांवें सांगल्लें आयकलो आनी तो भूत बंगलो घेंवची आलोचन सोडली" इन्नण्णाचें तोंड पारकिजे म्हण प्रेतन केलें हांवें. पूण मंद चांदन्यांत ताचो च्हारो अस्पष्ठ दिसलो म्हाका. "देवान करचें सर्व बऱ्याक. ना तर तुमचेर आनी कसलें अनवार येतेंगी? घेनासताना रावल्ल्याक दिसता, तुमगेर बरेंच जालें. भुरगीं नातल्ल्या तुज्या पाय मांयक, हांगा येवन, दोनच वरसांनी तूं जल्मलोय" इन्नण्णा मौन जालो. गांव लागीं येतालो. आनी थोडीं मेटां चल्ल्यार 'चरतल्याचें घर' उतरोंक आसल्लें. चुकून धांव्यां या दुसरी वाट धरया म्हण भोगलें म्हाका. पूण खंय म्हळ्ळें मात्र मतीक झळकूंक ना. इन्नण्णा आसा म्हळ्ळ्या धयरान हांवें मेटां काडलीं.

2016

टी ब्रेक

सकाळीं सकाळींच तकली सगळी कामाच्या भरान फडताली. भारतांत आमच्याच ऑफिसांत बसून काम करचें एक. पूण ह्या परगांवीं ऑफिसांत बसून काम करचें म्हळ्यारच कर्कर आनी कष्टांचें. तें न्हय आसतां, हांवें करुकं आसचें काम... आनिल्लें चालँजिंग. आमच्या सिंगापूर ऑफिसाचें काम, बेंगळूरच्या ऑफिसाक वर्गावण करुंक हांवें योजन करिजे आसल्लें - औट सोर्सिंग. हांगा ऑफिसांत सर्व कडें खबर पावल्ली. कामां उसळूंक पुरो म्हळ्ळी हळत भिरांत सरवां थंय रिगल्ली. पयलेंच इंडियन म्हळ्यार इल्लें हल्क करन पळेंवचे सिंगापुरी चैनीस, आयलेवार इल्ले चडच खुबाळल्ले. तरी, कितेंच करच्यार नातल्ल्यान म्हाका सहकार दिवून आसल्ले, भायल्यान हासून.

केंट टेंग - ह्या डिविजनाचो मुखेली - म्हाका ताचो सहकार दीवन आसल्लो; ताचेंच काम अपायार आसा म्हण कळीत आसुनय. म्हाका ताचेर विशेस आज्याप भोगतालें. म्हजें काम सुलभ जाल्ल्याक म्हाका ताचो संतोसयी आसल्लो. हाका कसली तरी जवाबदारी दिवयजे... चिंतलें हांवें.

हांवें एक रितें मग्ग घेतलें आनी कँटिनाक रिगलों; रित्या मग्गांत इल्ली कॉफी भरूंक.

म्हाका ह्या कामाक धाडल्लेंच इल्लें विशेस. हांव मॅनेजराच्या हुद्द्याक वेग्गिंच पावल्लों तरी, उपरांत म्हजी चडणी, भारीच निधान जाल्ली. सुमार च्यार वरसां उतराल्लीं तरी, म्हाका कंपणेंत चडतीक जवाबदारी दींवक नातल्ली. सुमार दोन वरसां फुडें हळतान आरंभ जाल्ली करंदाय, आयलेवार तकली-हून जावन बदलाल्ली.

विराराय म्हाका सुमार दोन वरसां थावन नाडून आसल्ली. तरी म्हजें काम बरयान करचें हांवें रावयलें ना. म्हजें पंद्रा जणाचें टीम चलोवन वेल्लें हांवें... कितेंच तोंद्रे नातल्लेबरीं. कित्याक म्हजी वृत्ती वयर वचना? म्हाका समजानातल्लें.

एका फलाण्या दिसा, बायलेन उचारल्ल्या एका उतरान म्हजी तकली पाड केल्ली आनी त्याच उद्वेगाच्या भरान हांव शीदा वैस प्रेसिडेंटाच्या कॅबिनाक रिगल्लों आनी ताचेकडे म्हजी खंत हांवें उचारल्ली. समाधानान म्हजीं उतरां आयकल्ल्या ताणें आकरेक म्हळ्ळें. "पळय डिसोजा, तूं तुजें काम बरयान करन आसाय. व्हय, तुजी वाडावळ इल्ली निधान जाल्या हें हांव समजातां. कितें करुकं जाता हांव पळयतां"

सदांचीं उतरां ... मतींत चिंतून निराशी जाल्लों हांव. अधीरता म्हाका रेवडायताली. अस्थिरता म्हाका धोसूंक लागल्ली.

तरी थोड्या तेंपा उपरांत म्हाका ताणें आपयिल्लें.

"सिंगापूर एक काम आसा. करून येताय? इल्लें चालँजिंग आसतलें." ताणें म्हाका विवर दिलो.

"रडच्या बाळाक मात्र दूद मेळता" चिंतलें हांवें "आयलेवार विचारल्लें दोन वरसां पयलेंच विचारल्लें तर..." चुरचुरलों हांव.

ह्या नव्या अवकासा निमतीं बदलल्ल्या म्हज्या नशिबाक चिंतून संतोस भोगतालो म्हाका. ह्या कामाक कोणयी तयार नातल्ले हें हांवें आयकाल्लें आनी म्हाका हांतूं खूब बरो आवकास आसा तें म्हाका भोगलें. हांवें म्हजी पर्वणगी दिली आनी ताका धन्यवाद दीवन उटलों. म्हजी आतांची जवाबदारी ताणें म्हज्या ज्यूनियराक, सुरेशाक ओपसून दींवक सांगली. सुरेशान एका हफत्या भितर काम सांबाळ्ळें आनी हांव सिंगापूर भायर सरलों.

***

टी बॅग हून उदकांत बुडयलें. हळत भांगराळो रंग सळसळ्या उदकांत सुटूंक लागलो.

हांवें आज करुंक उरल्ल्या कामाचो अंदाज करूंक लागलों – एक एस्टिमेषन, प्रोजेक्टाचें प्लॅन, थोड्यो बिल्लिंगाच्यो गजाली... आकरेक डील फैनल करुंक केंट टेंगा सांगाता एक मीटिंग. उटनासताना काम केल्यार फाल्यां सांजे भितर सोंपोव्येत. दुसरो कोण जाल्यार उण्यार उणें एका हफत्याचें काम. हें काम हांवें करून हेळ्ळें काम... म्हाका म्हजेरच अभिमान भोगलो.

हांवें टी बॅग उदकांत बुडोवन उबारलें. च्हा आनिल्ली 'स्ट्रोंग' जायजे... हांवें परत टी बॅग बुडयलें. तितल्यार एकलें सिंगापुरी हौस कीपर पँट्री भितर आयलें, ताची ट्रॉली लोटीत्त. यांत्रीक थरान नितळ करुंक लागलें. मध्यम प्रायेची, हळत जिवाची बायल मनीस. ती वेवेग्गीं नितळाय सोंपोवन वेच्या आंवसरार आसा तें म्हाका कळतालें.

म्हाका च्हायेचो चग्र सोडल्लो पुरो म्हण भोगलो. हांवें टी बॅग कचऱ्या डब्ब्यांत उडयलें. खंच्यागी चिंतपार आसल्ल्या म्हजो हात चुकलो आनी टी बॅग सकयल पडलें. हांवें हौस कीपरा तेवशीन चोयलें. तेंच काडून नितळ करतलें म्हण भोगून चल्लों.

"केन यू?" म्हळ्ळो उलो आयकून घुंवलों, हौस कीपर हांवें उडोवन आयिल्ल्या कस्तळा तेवशीन जोकून म्हणालें "तें... टी बॅग... तूं थंयच सोडन गेलोय" हौस कीपर म्हणालें, भारीच शांत रितीर. म्हाकाच सांगल्लेंगी म्हण हांवें एक घडी मौन सांबाळ्ळें. व्हय, म्हाकाच... कॅंटीनांत आनी कोणी नांत...

कसकसले संदर्भ पळयिल्लो हांव; म्हाका हें चेडूं नितळ करुंक सांगता... म्हज्यान पात्येंवक जालेंना...

हांव स्वपणांतशें कचऱ्या डब्ब्या कडें गेलों आनी टी बॅग विंचून डब्ब्यांत घालें.

म्हज्या जाग्यार वचून बसून च्हा पियेंवक लागलों. म्हाका जाल्लें घडीत जिरोंवक सुमारसो वेळ गेलो.

त्ये स्त्रीयेक तर तितलोय सोकगी? ना तर म्हाकाच कस्ताळ विंचून डब्यांत घाल म्हणच्या तितलें धयरगी? 'सिंगापुरी हंकार?' म्हजें शिंतीद खद्रळ्ळें. शीदा उट्टून वचून, केंटाकडे सांगून तिका कामांतलेंच निकळायजे... स्टुपीड...!! म्हजी तकली धांवताली... फाटल्या थोड्या वरसांचीं घडितां मती पडद्यार धांवलीं. 'उद्वेग करून घेनाका' हांवें म्हाकाच सांगलें 'कूल डौन.' थोड्या संदर्भांनी हांवें अशेंच सयराण चुकचें.

'कूल डौन'... चिंतलें हांवें... आतुरायेचे निर्धार केल्ले आनी आकरेक म्हाका सलवणी जाल्ली. तेंय एक कारण-गी हांवें फाटीं उरूंक. आज एकाच्छाणें उजवाड दिसलो तशें भोगलें म्हाका. तशें तर, हें घडीत हांव तशें म्हजेरच उलटें घुंवूंक सोडचोना. 'कूल डौन'. म्हजी परिपिकाय हांव दाकयतां आनी म्हजेर खेळूंक येतल्यांक हांव सारकी बूद शिकयतां. हें बायल मनीस ताका पयली बली. उपरांत म्हज्या ऑफिसांतले म्हज्ये फाटीक सुरी तोपल्ले सर्व..!!

"चींत आनी फार कर."

म्हजो उद्वेग उणें जांवक लागलो. ह्ये स्त्रीयेचेर फारीकपण? जायगी? म्हाका खंय तरी म्हज्या भितरलें उणेपण अशें कामाच्ये स्त्रीयेचेर फारीकपण घेंवक प्रेरणगी? हांव गर्जे च्याकी भायर वेते आसांगी? म्हज्या मेंदवांत आन्येकच चिंतप उटल्लें.

पूण ना... हांव अशेंच उणेपण चिंतूनच, वोगे रावून, रावून, फाटीं उरल्लों. तर, हिका तिणें केल्ल्या कर्तुबाक फावोती शिक्षा लाभाशी करिजे... व्हय तेंच सारकें ... तेंच सारकें. हीच म्हजी सुरवात... आज थावन म्हजो कॉर्पोरेट खेळ...

कशें करचें, कितें करचें तें मागीर पळयतां...

हांवें कोपांतली च्हा सोंपयली आनी म्हज्या कामाचेर बसलों... एस्टिमेषनांचें काम मुंदरिलें हांवें.

काम सोंपोवन येताना, स्त्रीयेक कशें शिरकांवचें हाका दोन उपाव मेळ्ळे म्हाका... "रेसिसम करता म्हण बदलाम घालची. दुसरें चोरियेंत शिरकांवचें - तेंय सॉफ्टवेराची चोरी - इंटेलेक्चुवल प्रोपर्टिची चोरी म्हळ्यार सगळी कंपनीच हालता." दोनी मार, एका प्रास एक अव्वल.

ह्या खेळांत आसची वेगळीच मजा म्हाका विचित्र संतोस दिताली.

हांवें भारताक फाटीं वेचो निर्धार एका हफत्या पऱ्यांत फाटीं घालो आनी सरवांक मेयल केलें - "म्हजें काम थोडें बाकी आसा देकून हांव मंगळारा पऱ्यांत हांगाच रावतलों." वैस प्रेसिडेंट गुणू गुणू करीलागलो, तरी आकरेक दुसरी वाट नासतां ओपवालो.

सनवारा आनी आयतारा, इल्लें सिंगापूर भोंवलों आनी उरल्ल्या वेळांत थोडें काम कशें

करून सोंपयलें. हांव सोमाराक राकून रावलों.

काम थोडेंच उरलें. सोमारा उरल्लो वेळ हांवें क्लीनर स्त्रीयेन येंवचो आनी काम करचो वेळ, कामाची रीत पारकुंच्यांत खरचिलो.

मंगळारा हांव एक सॉफ्टवेराची सी.डी. घेवन तयार रावलों. तिणें भायर वेच्या पांच मिनुटां फुडें, कस्ताळा ट्रॉलीच्या भोंवारी कोणी नातल्ल्या वेळार, सी. डी. ट्रॉलींत घाली आनी सेक्युरिटी कडे सरारां गेलों. ती भायर आयली. सेक्युरिटीक तिणें हलो म्हळें आनी मुकार गेली. हांवें एकाच्छाणें कितेंगी पळेल्ल्या बरीं नटन केलें, सेक्युरिटीक हिशारो केलो आनी सी.डी. आसल्ल्या कडें जोकून दाकयलें.

तितलेंच... मुकल्या पांच मिनुटांनी थंय सगळो भोंवारच बदल्लो. पयशे चोरल्यार तरी सॉफ्टवेर कंपणेंत भोगशीतीत पूण 'डेटा' चोरल्यार न्हय... सेक्युरिटी चीफ आयलो, कंप्लँट जालें आनी तिणें कामाक येनाशें फर्माण गेलें.

स्त्रीयेचें काळशेल्लें मुस्कार, हळत सुस्कार, आपणे केल्लें न्हय म्हणची समजायिशी... खंचीय चल्लीना. म्हाका चोरी धरून दिल्ल्याक केंटान उपकार आटयलो.

पयली जीक लाभल्ल्या संतोसार हांव भारताक आयलों. सिंगापूर गेल्लें काम जाल्लें तरी थोड्या दुडवाच्या कारणांक लागून खंयचेंय फैनल जांवक नातल्लें. म्हज्या कामाक बरी प्रतिक्रिया मेळ्ळी. वैस प्रेसिडेंटान म्हाका ताच्या कॅबिनाक आपयलें.

तो खुशेन आसल्लो "बरें काम केलेंय. हांगा आन्येक नवें प्रोजेक्ट आयिल्लें. तुज्या आदल्या प्रोजेक्टा तसलें, पूण ताच्याकी सात वांटे व्हड. ताका तुंच सारको व्यक्ती आसल्लोय. पूण तुवें येंवक थोडोसो वेळ गेलो आनी सुरेशाक आमी अमेरिका धाडीजे पडलें सुरविलें उलोवणें करुकं. तशें जाल्ल्यान तुवें परत तुजें आदलें प्रोजेक्ट पळेवन घेजे... डोंट मैंड... तूं एक दोन दीस वेग्गीं आयिल्लोय तर तुंच वेतोय आसल्लोय. अर्जेंट जाल्ल्यान आमी सुरेशाक धाडलें. मुकार पळव्यां... पूण, सिंगापूर... गुड जॉब..." तो उलोवनच गेलो.

ताच्या लॅपटोपाच्या स्क्रीनार सुरेशाच्या प्रोजेक्टाचें प्रोपोसल आसल्लें. हांव वचुंकच तो राकून आसा तें समजून हांव उटलों. ताळो सुकून येतालो, टी पियेंवक मन जालें तरी धयर पावनासताना म्हज्या आदल्या कॅबिनाकडे पांय वोडीत चमकलों.

2016

जू... म्हजी इष्टीण

“तुजे सांगाता आय्सक्रीम खायजे म्हण आशेन आसल्लीं अरविंद... तूं येवंकच नांय” (दोदोन तांबडे रागाळ इमोटिकॉन) मोबायलार उदेवन आयिल्लो संदेश पळेत्त रावलों हांव. संदेशा फाटलें सूचन गमतच एक खीण विचित्र उद्वेगान हुळवुळ्ळों “सांगाता आय्सक्रीम” आज सुक्रार... म्हळ्यार ताच्या घोवाक काम आसा... तशें म्हळ्यार हांव आनी तें मात्र... पंदरा वरसां पयलेंच्याबरीं.

मैसूर थावन बेंगळूर धांवचें बस्स खणयांनी उडोन, उडोन पडतालें. फाटले उगडास मारन मारन उटयिल्ल्याबरीं जागे जाल्ले... त्यो मैसूरच्यो सांजो, तो पार्काचो बांक, जू... च्या केसांचो मंद परमळ... त्यो अंत नातल्ल्यो गजाली. एकामेका वांटून घेतलें तरी कितें सर्व...! हासो, दुखां, खबरो, खिणाचो राग, उपरांतल्यो माफी. आदले उगडास फुसपुसताना दडधडे वाडोनंच येताले. विचित्र उब्देस जिवांत जागलो. तसलो उब्देस भोगून वरसां कांय थोडिशीं जाल्लीं. तरनीं काळजां उडकाणां मारचो विसरशी पडलो तसलो पोरनो दडधडो. विचित्र. म्हाका आतां वरसां चाळीस तरी, हुळवुळे उणे जावंक नांत? not bad, young at heart ?.

जू ...जूली... ह्या चेडवाचें धयर जायत... काजारी पळे, भ्यें भिरांत ना. तशें कांय सदीळ चालीचें न्हय... आंगभर वस्तूर, मोवाळ उलोवणें.. कांय ‘हांव’ म्हण ससार? नवेंच आय्सक्रीम शॉप जालां म्हण पोयर मोबायलार संदेश आयिल्लो. भोवशा आयची आय्सक्रीम पार्टी थंयच प्लॅन केल्ली दिसता.

हाती घड्याळ चोयलें... बेंगळूर पावोंक आनिकी सुमार तीन वोरांचें पयण जाता. तेदोळ म्हणसर वेळ आसा – तें कशेंय मोबायलांत संदेश धाडते आसा. इल्लो वेळ पाशार करयां ‘टैमपास विद एक्स...’ पोकरी हासो म्हाका कळीत नासताना उदेल्यो. ‘एक्स’ म्हणुंकयी कष्टच... हांवें संदेश बरोवंक आरंभ केले.

“हाय... कितें आनिकी निदूंकनांय –गी...”

“सांगलेंनें... म्हाका राग आयला”

“कितें करचें जू...” ह्या पावटीं खंडीत तुका भेटूंक जाता म्हळ्ळ्या भर्वश्यान हांवें मैसूर येंवची खबर तुका दिल्ली. पूण तें कॉन्फरेन्स मुगदताना रातीचीं नोव उतराल्लीं... त्या उपरांत तुज्या घरा येवंक सारकें भोगलेंना. तुज्या मांवान निदचो वेळ न्हय? आन्येक पावटीं खंडीत येतां”

“जू खंय जू . आयलेवार तूं अशेंच येतां म्हण आशा दाकोंवची आनी उपरांत हात

दिंवचो. म्हाका जिण्येंत म्हजे ईष्ठ आनी म्हजें कुटम गरजेचें. पूण तूं भारीच पयस पयस जालाय. इतलोय पयस जाशी तूं म्हण चिंतूंक ना हांवें" (दुखाळ एमोटिकॉन)

"पयस कांय ना जू... केदळा जाता तेदळा भेटोंक येतां न्हय हांव?"

"वरसाक, दोन वरसांक पावटीं... तेंय हांवें च्यार पावटीं विचारल्या उपरांत" (दुखाळ एमोटिकॉन)

"अशेंच सारकें जू..."

पोरन्यो दुखी कांतोवन येताल्यो... पंदरा वरसां पयलेंच्यो दुखी... म्हज्या आनी जूली मधें सहज जावन वाडल्ली वोळक... वोळक वाडतां वाडतां वाडल्ली सळावळ... ईष्ठ, इष्ठीण म्हळ्ळ्ये सळगेन एक ज्यूस या खंय एक पाणीपुरी... मैसूर जूच्या भोंवारांतया जयमहल पॅलेसा फाटल्या रस्त्यांनी सांजेच्यो भोंवड्यो... खंय सुकरारा सांजेर कुक्करळ्ळी तळ्या देगेन बसून उलयिल्लें सूखदूख. मोग, काजार म्हण केदळाय उलोवणें आयिल्लेंचना... फकत ईष्ठ, ईश्टीण म्हळ्ळ्या भोंवारा भायर केदळाय सळगी गेल्लीचना.

"अशेंच सारकें? सारकें कितें? तुजो खड्डो? तुवें मन करिजे अरविंद...मेळूंक, उलोवंक..."

"इतलेंच पुरो, इतलेंच सारकें"

"कित्याक अशें अरधें अरधें उलयताय तूं..."

"   "

"म्हजे निमतीं तुज्या फॅमिली जिणयेंत कितें पुणी तोंद्रे-गी"

सवाल इल्लें चडच जालें हाचें... कितें कितें कल्पन करून आसा पिशें खंयचें. हांव कितें हाचे सांगाता निदलां-गी? म्हज्ये कुटमा जिणयेक वांदे खंय? हाच्या घोवान खंय तरी हाणें म्हाका धाडचे संदेश वाचल्यार ताच्ये कुटमा जिणयेक वांदे म्हण चिंतिनामू हें मांकड.

"तशें कांय ना.. तुकाय कळीत हें"

"तर कितें? हां.. तर कितें? तूं कित्याक म्हजे थावन चुकोवन आसाय?"

"बॅटरी मरूंक आयली जू..." जाय म्हण विशय परतिलो हांवें.

"वयरे मांकडा... पूरा जाता. हांवें कितें पुणी सांगूंक सुरवातल्या फारा तुजी बॅटरी मरता... उलोवंक मन ना म्हण सांगने..."

चिरी चिरी... चिरी चिरी...कर्करे... मोबायल स्विच ऑफ केलो. मार गेली...जळोंदी... भेट खंय... उगडास खंय. उगडास तेदळा खंय गेल्ले? तेदळा... पंदरा वरसां काजार जाताना... स्टुपीड चेडूं.

*****

आमची सुर्विली सळावळ लागीं लागीं दोन वरसां चल्ली. पयशिल्यान पळेतेल्यांनी पोटांजाळ भोगच्या बरीं... इश्टांनी पोकरी हासो हासच्या बरीं. आमींय एका कळीत नातल्ल्ये भूमिदेंत. हळत आमालांत व्हाळल्ले बरीं... आमचे विशीं सर्व चोवून आसात म्हण कळीत आसूनयी गुमान करीनासतां बिंदास आसल्लेबरीं. आमी फकत ईष्ठ म्हणची समजायिशी.

आमचीं कुटमां वेवेगळ्या स्तरांचीं म्हळ्ळ्या इराद्यान मोग, काजार हाचो प्रस्ताप सयत आमचे मधें आयिल्लोच ना... भोवशा तसलें उलोवणें व्यर्थ म्हळ्ळी समजणी आमकां पुरती आसली. धांवोन वच्यां म्हण चिंतचे तसली ल्हान प्राययी न्हय... पंचवीसांची... सारकी बूद बसल्ली प्राय.

एकाच्छाणें म्हणचेबरीं जूलीचें काजार निघंट जाल्लें. तेदळाय परबीं दिल्ली ताका हांवें... एक सोभीत ग्रीटिंग कार्ड आनी एक मोगा-पदांची कोवळी. ताच्या काजाराच्या शॉपिंगाक हांवच सांगाती... ईष्ठ न्हय हांव? आकरेक ताणें गांवाक वचूंक बस्सार चडोंकयी हांवच. सांजेचीं सात वोरां... ताची लगेज बस्सार चडयल्ली आनी बस्स चल्लेंच... मैसूरच्या मंद उजवाडाच्या रस्त्यांनी. ताणें चडोन गेल्लें बस्स चोवून रावलों हांव... तेदळा म्हाका गोमलें 'कितें जावन गेल्लें' म्हण.

मन जड जाल्लें. कर्गोणी सुरू जाल्लीच त्ये रातीं. उपरांत उजोच पेटलो. हांव ताच्या उगडासांत जळ्ळों... कळनासताना दोळ्यांनी दुकां देंवतालीं, कितें कितें चिंतनां मत देदेस्पोर करतालीं... वेळ उतरून गेल्लो.

तरी ताच्या काजाराक वचून, नाचोनयी आयिल्लों. तें हनिमून म्हण खंडाला गेल्लें. हनिमून जावन फाटीं आयिल्ल्या उपरांत हनिमूनाची वर्दी सयत दिल्ली पिश्यान... 'सुरवेर सारकें जावना...तशें...अशें...' तेंच पयलेचेंच जू... तींच उतरां... तीच सळगी... 'काजार जाल्यारी फ्रेंडशिप बंध करची गर्ज ना...' म्हण समाधानाचीं उतरां. कसलें यमकोंड तें म्हाका...! कितलीं वरसां गेल्लीं म्हाका तांतले भायर येवंक...!!

आतां जालींने सुमार पंदरा वरसां ताचें काजार जावन. आतां उगडास खद्दळतात हाका.

****

च्या पियेवंक म्हण मंड्या बस्स रावयलें.

घरचो उगडास जालो... घरा पावतच दफ्तराचें काम इल्लें पळेजे. भोवशा जेन्नी नाश्ट्याक 'कायलोळ्यो' करतां म्हणतालें... नाश्टो गम्मत फाल्यां... भुरगीं स्कूलाक वेतच, दफ्तराक वेच्या पयलें इल्लो मोग करिजे ताचो... दोन दीस जाले. कितलें बरें करन घर सांबाळता... सांगाता अरध्या दिसाची नवकरीय करता... म्हज्या घरची राणी. कायलोळ्यांक तरनो नारल आसा-गी नां-गी? ना तर मंगळूर स्टोराथावन तेंच हाडता.

तरनो नारल... 'तरन्या नारलाचें आय्सक्रीम नवेंच आयलां... तेंच खाव्यां' म्हणतालें ज्यू... म्हजी 'सो कॉल्ड' इश्टीण, फॅमिली फ्रेंड. ह्हा ह्हा. आय्सक्रीम खंय... खांवचें खंय... ह्या पावटीं भेट जायनासतां जळयिल्लेंच चड गम्मत आसा. भेट करन उलयल्यार उद्वेग इरोन वेता... असली एक जब्बोराय आसना. पूण आतां... हुनून भोगणां... एक कविता बरोवन धाडीजे... आनी'ल्लें जळुंदी. ह्हा...ह्हा..!

बस्स परत बेंगळूर वाटेक लागलें.

एदोळ कितें पूरा गाळी येटल्यात-गी? तेंच मांकड, पेद्दा, हूद... ताच्यो गाळी च्यार पांच मात्र. मोवाळ उत्रांचें चेडूं. वेळ आसा... आनी करचें तरी कितें आतां? संदेश तरी पळयां.

मोबायलाचो बुतांव दांबलो.

"गुडमॉर्नींग, म्हाका टी पियेजे"

ना गाळी सोवे... ना राग..! कळ्ळें कळ्ळें... हो पंदरा वरसां पयलें आमचो सदांचो संदेश... दफ्तराक पावतच पयली एक च्या पियेंवची.

"चल, या" हांवें जाप बरयली.

"खंय...कॅंटीन या भायर बेकरीक"

"आज इल्लें थंड आसा न्हय... बेकरी नाका... कॅंटीनाक या"

"ओ.के चिल्लर आसात न्हय?"

"पन्नास रुपय आसात... पूण व्हड ना... भटाक फाल्यां दितां म्हण्यां"

"ओ.के.अरवी... कॅंटीनांत राकतां" (धांवचें इमोटिकॉन)

(च्यायेचें इमोटिकॉन) ताची जाप. "च्या तयार अरवी... कितें आनिकी येंवनाय... च्या थंड जाता पळे."

“मैसूर थावन बेंगळूर इल्लें पयस जालें... येव्यां म्हळ्यार बस्सांय नांत आतां... (दुखी एमोटिकॉन) कितें करचें जू..?”

“हहं... फकत स्वपणां पळेंवचें मात्र आमकां निर्मिलां म्हण दिसता अरवी. तूं तितलो पयस... हांव हांगा. बोर जालां म्हाका... मस्त मस्त बोर... तीच जिणी... थोड्यो तरी खुशाली घडयो जाय म्हाका... पयलेंचे बरीं. कितले बरे आसले ते दीस न्हय अरविंद... कसलीय फिकीर नासतां...”

“व्हय-मा... सोभीत उगडास. कसो आसा नोर्मन?”

“बरो आसा... मस्त टेनशन ताका कामाचें. मैसूर आय.टी. चिंतल्ले तितली वाडोंक ना पळे... सांगाता भारी पॉलिटिक्स खंय”

“व्हय पयलें आय.टी. म्हळ्यार फकत काम, विदेश भोंवडी, बरो सांबाळ मात्र आसल्लें... आतां कंपण्यो व्हड जाल्लेबरीं गोंदोळयी वाडला... ताचो बयोडेटा धाडूंक सांग... हांगा बेंगळुरांत पळेतां...”

“नाका अरविंद... ताका मैसूर सोडूंक मन ना.”

अचानक म्हजें फोन वाजलें... जर्मनिच्या गिरायकाक समस्ये जाल्ले... तक्षण हांवें लॅपटॉप उगतें केलें आनी फोनां करुंक सुरू केलीं... फाल्यां भितर कितें तरी परिहार सोधिना तर ते मॅनॅजमॅंटाक दूर दितात. गर्ज नातल्ले वांदे.

कामांत बुडल्ल्याक बेंगळूर आयिल्लेंच कळ्ळेना. बस्सा थावन देंवतच रिक्षा धरन घरा धांवलों आनी काम मुखार वेलें.

हांवें परत फोनांत जूलीचे संदेश पळेताना दोन तीन दीस जावन गेल्ले. हो... हाचो उगडासच नामू. हरशेंच्याबरीं सबार ‘गुडमॉर्निंग’, ‘जेवण जालें-गी’, ‘गुडनैट’ मेसेजी आसल्ल्यो. ‘खंय आसाय तूं..?’, ‘तोय म्हजे कडे उलयना काल थावन’ (दुखाचें एमोटिकॉन)...

छे .. हें एक फाट सोडीनामू... म्हाका ताची विसर पडल्या म्हण कशें सांगचें ताका.. तें म्हाका म्हजो ‘ईगो’ समाधान करुंक फकत एक वाट... बेजार जाताना पोकरी गजाली बरोवंक एक फुकटाचें चेडूं... ताच्या हनिमूना वेळार हांवें भोगल्ले उब्देस आतां नांत... नांच नांत. ताका म्हजो उगडास आजून वचूंक ना. बगर इल्लो चडच जीव जाला आयलेवार. तशें म्हण ताच्या फाटल्यान धांवोन हांव म्हजी सोभीत जिणी पाड करूं? पिशेंपण.

‘नितळ’ इश्टागतीचें (नितळ खंय नितळ) स्वपण देखच्या ताच्या फटकिऱ्या धैराक

म्हजे धिक्कार. वरसांनी वरसां काजार जाल्यारी म्हजे थावन पयस वचनासतां, वोळक ज्यारी दवरून, ताणें म्हाका दिल्ल्या वळवळ्यांचें लेक जाय म्हाका.

ताणें म्हाका उगडास करून वळवळचें म्हाका एक विचित्र संतोस दिता. तें होगडायनाये. ताणें म्हाका विसरुनजो. दिवोड मरनाये, बोडी मोडीनाये.

हांवें फोन उगतें केलें आनी तीन विषय बरोवन दवरले, फाल्यां सांजे भितर विसरनाशें जारी करुंक –

पयलें एक मार्मीक कविता बरोवन जू...क धाडची.

दुसरें जू...चे संदेश डिलीट करचे.

तिसरें एका वरसा उपरांत आय्सक्रीम खावंक, मैसूर येतां म्हण जू...क सांगचें.

2017

गांच

= लिफ्ट =

आपलो इल्लो मोटोच जीव घेवन, बोंड्या उदक आनी बॅग हातीं घेवन सांगाता तीन वरसाच्या मुन्नीक हांडी घेवन आय.सी.यू.क वेचीं मेटां चडची आलोचन जास्मिनान तडीक दवरली आनी लिफ्टा तेवशीन चमकालें.रात–भर नीद खळल्ल्यान दोळे हुल्पताले. सकाळींचो थंड हवो तरी सुशेगशें भोगानातलें.

आस्पत्रेक येवन दोन दीस मात्र जाल्ले. विल्लीक डिसचार्ज करुंक उण्यार उणें पांच दीस जावंक पुरो म्हण दाकतेर सांगतालो.

चाळीस वरसां प्रायेरच जाल्ल्या काळजाघाता निमती विल्ली अरधो जीव जाल्लो. पयलोच खंच्यांतयी इल्लो भिंवकुरो भिंवकुरो... कितें करचें तरी चाकून, फुंकून, चाकून, फुंकून... ना तर ताका आसल्ल्या तालेंतांक एदोळ कितल्या वयर पावजे आसल्लें ताणें? भितर गेल्ल्या तक्षण रडतालो. आयिल्ल्या गेल्ल्यां कडे आपणें बायलेक कष्ट दिले, भुरग्यांची कितें म्हण चुरचुरतालो. जास्मिनाक घड्येक एक पावटीं भितर आपयतालो... ज्यूस हाड, उदक हाड, ताक हाड, पेजे नीस हाड. विल्ली भारीच सूक्षीम जाल्लो... विल्ली बाळ जाल्लो... विल्ली भिजल्ली मूंय जाल्लो.

= आय. सी. यू. =

भितर रिगतानांच ए.सी.चें वारें जास्मिनाच्या मुस्काराक आपटालें. सर्व वस्तू, लुगटां नितळ निळशा रंगांत एका थराची शांतता दीवंक पेचाडतालीं, तरी सगळ्या भोंवारांत आकांत मिसळाला तशें भोगतालें. हाळू उलोवन आसचीं नरसां, पिडेस्तांच्या आंगांक तोपल्ल्यो थरावळ सुवियो, 'कीं, कीं' करचीं काळजा उडी मापचीं यंत्रां, उसवास घेवंक घाल्ले पैप, कात थंड जाल्यारी मत मात्र थंड जावंक आयकानातली.

रातभर जागो आसल्ल्यान जायजे, विल्ली निदेक निसरललो. हें बोंड्या उदक कोणें पियेंवचें? हाडूंक सांगून निदलामू हो... बोंडो शीदा हाडुंकयी दीनांत सेक्युरिटिचे. उदका बाटली घेवन, खाली करन, बोंड्या उदक भरन... हो निदला.

जास्मीन भायर आयलें. मुन्नी हांडी देंवूंक आयकूंक ना. जर विल्लीक वार्डाक तरी घाल्लें तर बसूंक एक जागो तरी आसतो. तें न्हय आसतां, ह्ये माळ्येर बसूंक एक बांक सयत नातलो. ताणें परत लिफ्टा तेवशीन मेटां काडलीं. लिफ्टा सकयल देंवताना, फाल्यां या परवां भितर फारीक करुंक आसचे दोन अडेज लाख पयशे कशे जमोंवचें म्हळ्ळीं चिंतनां खावंक लागलीं. ओपरेशन करताना खात्रेक म्हण एक लाख रुपय क्रेडीट कार्डा थावन बांदले, तेय वेगिंच फारीक करिजे... सर्व सांगाता घाल्यार कांय च्यार लाख रुप्यांचें लेक. काल म्हणसर विल्लिचो जीव उरोंवचें मात्र चिंतप आसल्लें. पूण आतां मुकलें

चिंताना हिंव सुटतालें. कोणाकडे विचारयेत? घरा? विल्लिगेर? काम करचे कडे? कोण... कितले... दितले?

= वैटिंग रूम =

लिफ्टा सकयल पावली. मुन्नीक नीद येताली म्हण दिसता, कुसुकुसू सुरू केलें. जास्मिनान भोंवतीं चोयलें. आस्पत्रेंत दिसाची धांवट सुरू जावंक नातली. सोपे खाली आसले. मुन्नीक कोनशार आसच्या सोप्यार निदायलें आनी तेंय थंयच आड जालें.

"माम्मी सुसू जाता" मुन्नीन धोंकुळन उटयताना वेळ सुमार उतरललो. वोरां नोव जाल्लीं. सोपोभर लोक जाल्लो. जास्मिनाक एक खीणभर लज दिसली, तरी ल्हानशी नीद जाल्ल्यान इल्लो सुशेग भोगलो. काकसाक वचूंक जाय. पूण हें बोंड्या उदक आनी बॅग घेवन कशें वेचें?

सरशिनंच एक चलो आसल्लो – प्राय कांय पंचवीस तीस जातीत.

"एक्सक्यूस मी, एक घडी म्हजो सामान हांगा सोडन वेतां. इल्लें पळेवन घेतायगी?"

"श्यूर मॅडम, हांव हांगाच आसतां, दीसभर" हासकुन्या तोंडान सांगलें ताणें.

"थँक्स..." पर्स काडन खांदाक शिरकावन, बॅग त्या चेड्याक दाकोवन, जास्मीन काकसा तेवशीन गेलें. मुन्निचें 'सुसू' जातच ताणें आपणाचीय गर्ज सोंपयली. तितल्यार मुन्नीक 'अम्म' जाय म्हण जालें... तें कँटीनाक गेलें आनी नास्टो खालो.

फाटीं येताना सुमार अरधो घंटो जाल्लो. चोयल्यार चेडो दिसलोना. एक घडी कालुबुलें जालें तें. तितल्यार तोच मेटां देंवून येंवचें दिसलें.

"सोरीं मॅडम, हांव तुजी लगेज घेवन धांवलो म्हण चिंतलेंय दिसता". तो उगत्यान हासलो. "तुका सोधून नर्स आयिल्लें हांगा, तुजो 'सर' बोंड्या उदक जाय म्हण विचारते आसल्लो खंय, दीवन आयलों. तशें..." ताणें खाली बोत्ल फाटीं दिली.

"हो... सोरीं सोरीं... तुका मस्त तोंद्रे जाले" जास्मीन इल्लें दडबडलें.

"व्हड ना मॅडम... हांव भायर वेतां एक घडी... आतां म्हजें बॅग तूं पळे... आयचें पेपर आसा... वाचताय?" ताणें खबरे पत्र काडन दिलें आनी भायर चल्लो.

फाटीं येताना मुन्नीक एक फैवस्टार हाडलें ताणें.

"सांगल्लेबरीं, म्हाका पळेवन तुजो 'सर' एक घडी कनफ्यूस जालो. तूं कोण... तूं कोण... म्हण सवालांच सवालां... समजावंक गेल्यार नर्सान गवजी केलें – ताका त्रास दिनाका म्हण – परत भेटताना समजाय."

अशी जाल्ली वळक प्रदीपाची... तो ताच्या थानां कॅन्सर जाल्ल्ये आवयक पळेवन घेतालो.

मुकले तीन दीस जास्मिनाक, मुन्नीक आनी प्रदीपाक ते सोपेच घर जाल्लें. खाण, जेवण, निदचें, उटचें सर्व हांगाच. एकामेकाक बरोच आधार जातलो – लगेज राकूंक, वकतां हाडूंक, दाकतेर आयल्यार उलोवंक, गप्पे मारुंक.

पयशांची व्यवसता करुंकी प्रदीपच उपकारलो. ताच्या वळकिच्या खासगी बँकांत भांगर अडव दवरन पयशे हाडन दिल्ले. वाड इल्ली चड तरी पयशे वेळार मेळ्ळे. सांगाताच एम.एल.ए. थावन कितें तरी कुमक मेळतागी पळयतां म्हण धैर दिल्लें ताणें.

ह्या तीन दिसांनी मुन्नी प्रदीपाचें फ्रेंडच जाल्लें.

= वार्ड =

तीन दीस उतरलले. विल्लीक आय.सी.यू. थावन वार्डाक घाल्लें. ऑक्सिजन मास्क काडलें. आतां मोवशी पेज जेवंक सकतालो. भलायकी जिवांत भरून येताली. विल्ली वयर पडलो. खूश आसल्लो त्या दीस.

“हांवें आनी पयलेंच्या बरीं जावंक कितें म्हळ्यारी एक वर्स जावंक पुरो न्हय... तुका तेदळा म्हणसर उपास...” दोळे मारले विल्लीन.

जास्मिनाक ताणें सांगल्लें मतीक वचूंक थोडो वेळ जालो. सेक्स कुशीन आसूं, त्या विश्यांत चिंतप सयत मतींत घोळनासतां दीस सबार जाल्ले. आस्पत्र म्हळ्यार तशेंच... मनशांचीं चिंतनांच बदलन सोडता. पयशे, नांव, सेक्स, अधिकार हें सर्व विसरन वचून... फकत जिणी, भलायकी मात्र उरता. मनशा संबंधाक एक अत्वोच अर्थ दिता आस्पत्र म्हणचो हो जागो. पूण विल्ली? ह्या दादल्याक असल्या वेळारी मतींत हेंच घोळतागाय? ताका इल्ली चडच उरबा तें जास्मीन जाणा. आपणाक जिवाक तांकानातल्ल्या वेळारी सोडीनातलो, पूण आतांय... ह्ये परिगतेंतयी...?

“वोगो राव सायबा, तुका एक लागलां ह्या वेळारयी”

“हांगा येने... म्हाका तुका आपडिजे”

“तुका तकली समा नांगी?” तरी ताणें दार आड केलें आनी तें ताचे लागीं गेलें.

विल्लीन ताच्या आंगार हात घालो. इल्ल्या वेळान खरशेवन म्हणालो

“प्रदीप खंय – दिसना आज?”

ताणें वोंट चाबले. उतरां सुटलींनांत. फातर जावन बसलें... उतरांचे गांच घडशित्त.!

= घर =

घरा येवन दोन हफ्ते जाल्ले. जास्मीन विल्लीक हाताक धरून चलोवन आसल्लें. विल्ली चलूंक सकतालो, तरी पांवडे चडूंक आनी देंवूंक ताका भारीच त्रास जाताले.

फोन वाजलें. प्रदीपाचें.

जास्मिनान फोन घेतलें आनी स्पीकर चालू केलें "हाय प्रदीप, कसो आसाय? खबर ना तुजी. माम्मी कशी आसा?"

"बरी आसा. हेय जास्मीन, त्या दीस मुन्नी म्हजे पासळेंत आस्पत्रे बांकार निदून आसताना तुवें काडललो फोटो... उगडास आसा?"

"व्हय... तुमी दोगांय आंजाळ दिसतात तांतूं"

"म्हाका धाडन दिताय प्लीस, घरा दाकयजे म्हाका" संभ्रमान उलयलो तो... "म्हजें नवें गर्लफ्रेंड न्हय तें..."

"श्यूर प्रदीप... फोटो आसा... धाडतां"

"ओ.के थँक्स तर... गुडलक तुका, मुन्नीक. सर बरो आसा न्हय? बाय बाय... मेळ्यां... केदना तरी..."

"बाय... मेळ्यां... टेक केर" यांत्रीक जावन ताणें फोन बंध केलें.

विल्लीक हात धरन बसयलें आनी फोटो सोधुंक सुरू केलो.

"खंय पडला तो फोटो... आस्पत्रेंत काडल्लो... म्हळ्यार बारा दिसां पयलें... हां... मेळ्ळो... आतां फोन नंबर सर्च... प्रदीप.. होस्पिटल फ्रेंड... फोटो ... attach.. send.. going.. going.. gone...." अम्रुकें हासत्त ताणें फोन विल्ली मुकारच टिपायेर दवरलें.

"फोनाक पासवर्ड पोरनोच..." हासुनंच म्हणालें आनी तें भितर चल्लें. विल्ली फोनाक तशें जास्मिनाक पळेत रावलो.

भितरल्यान जास्मिनान मुन्नीक प्रदीप अंकला विश्यांत सांगून आसचें विल्लीक स्पष्ठ आयकतालें.

2017

पेंड आनी बूक

अक्कणीक पोयर पेंटेंत पळेताना, आमच्या मधें सुमार दोन दशकांच पाशार जावन गेल्लीं. ह्या दोन दशकांनी ताचेर चलयिल्लो जुलूम ताच्या केसांनी सोडल्यार जिवांत कांय दिसल्लोच ना. तोच घट जीव... तेच धैराचे दोळे... काळीच पर्जळची कात. म्हज्ये मतींत ताका पळयिल्लो उगडास कांय वीस वरसां फाटलो म्हळ्ळेंमू हांवें. हांव तेदळा कांय बारा तेरा वरसांचो. आमगेर च्यार पांच म्हशी, म्हजो बाप्पू तांचो पोस करतालो. हफत्याक एक पावटीं, हरयेका मंगळारा सांते दीस, तीन मयलां पयशिल्ये पेंटे थावन पेंडिचें गोणीचील व्हावोवन हाडन आमगेर पावोंवचें काम अक्कणिचें. तीन रुपय कूल. दादल्यांक तेंच काम करुंक पांच रुपय दीजे पडताले. तशें कोण्णा, बाप्पूक अक्कणीच खायेस.

*****

त्या दीस मंगळारा, सांज जावन येताली... हांव बाप्पू सांगाता गोट्यांत म्हशिंची फाट घासतालों.

“अक्कणी आनिकी येंवना मुरे?” बाप्पून उगडास काडलो.

“कितें बाप्पू... पेंड खाली जाल्या-गी?”

“आसची पेंड आनी दोन तीन दिसांक पुरो. पूण हाणें एदोळ येजे आसल्लें. सुमार तीन, च्यार वोरां भितर सांत खाली जाता. पांचांक चील उकल्ल्यारी एदोळ पावजे आसल्लें.”

“बाप्पू”

“ह्हूं.. ?”

“अक्कणी दादल्यांचें काम कित्याक करता बाप्पू.. ?”

“दादल्यांचें काम म्हळ्यार कालें-रे? तशें कोणेंय बरोवन दवरलांये?”

“तशें न्हय, आमगेर मांय, शेजारा रुक्कू... कोणी अक्कणी बरीं व्हड व्हड भरे, चिलां व्हावयनांत न्हय?

“हांकां हालवणे... फाट बागवना... आनी कालें” ताणें बाल्देंतलें उदक म्हशिचेर वोतलें... “अक्कणी जिवांत बरें घट. ताचे बावळे पळे. चड मोटे न्हय पूण घटमूट. धैराधीक. जीव बागावन काम करता. देकून जीव बरो उरला... ताच्या पेंकटांत चरब म्हणची आसागी पळय? कूलयी हेरां बायलांच्याकी एक रुपय चडच घेता...”

“ताका घरा कांय म्हण्णांत-गी? ताचो घोव..?”

"घोव खंय-गी बीदर होटेलांत च्या भट खंय... हांगा दिवोर, थंय भट... वरसाक आट दिसांक येता... गेल्ल्या वरसा तेंय ना... अक्कणी पाप... करचें तरी कितें? घरा म्हातारी आवय आनी एकलो फिरकी भाव... भरे उकलन दिसाक दोन रुपय चड जोडता तर चूक कितें..?"

बाप्पून वाट तीळन तीळन पळेंवचें सात वोरांचेर रावयलें. त्या दीस अक्कणी येवंकच ना.

तें आयिल्लें तीन दीस सोडन. घरा फाटलो उदका तोड उतरचें पळयिल्लेंच बाप्पुच्या तोंडार शिण चरून आयलो.

बाप्पू मांयकडे म्हणालो "वोनिये पळे... आतां आयली ह्या अक्कणिची मार, खंय मेल्लेंगी इतले दीस सोक हाका" बाप्पू घुणगुणतालो.

अक्कणी घरा लागीं पावल्लेंच, बाप्पू सरारां वचून गोट्या बागलार रावलो. गोटो घराच्या दाव्याक आसल्लो आनी गोट्याचें दार आमच्ये दिष्ठी थावन आड आसल्लें. हांवयी बाप्पू फाटल्यान धांवलों... अक्कणीक बाप्पून गाळी येटचें पळेवंक.

बाप्पू रागार जाता म्हण चिंतल्यार म्हाका अज्याप. बाप्पू हांगा शांत जाल्लो... मिशियां पोंदा हासता तशें दिसलो.

"कितें अक्कणी मंगळारा येंवचें, सुक्रारा आयलांय? पेंडिचें चील मात्या वयलें देंवोवंक हात दिल्ल्या बाप्पून अम्रुकें हासून विचारलें.

"आमचें एक आसतामू नायका .. सदांचें .. पोट दूक. ह्या पावटीं कितेंगी, जिवाक कांय नजो. तुमचें घर लागीं आसल्लें जाल्यार, कशें पुणी हाडन घालतीं .. पूण तीन मयलां चलाजे-मू.. जावना म्हाका"

अक्कणी सतान उलयीत्त गेलें... आतां बाप्पुचो एक हात अक्कणिच्या मात्या वयल्या चिलार आसल्लो तर, दुसरो हात एक खिणां ताचें पेंकट पोशेवन पाशार जालो तें म्हज्या दोळ्यांक घुसलें. अक्कणी निर्विकार आसल्लें.

हांव अक्कणिचे हात आनी पेंकट पळेतालों .. व्हय .. चरब नासचें पेंकट .. सदृढ हात च्यार मैलां चलल्ल्यान कात घामान उजळताली

"नायका, चील खंय देंवंयां?"

"थंय अट्टणगिच्या वयर घाल. सकयल दवरल्यार कुंकडां पोकोरतात"

अट्टणगी, (ल्हान माळय) चडूंक निसण नातली. एक देड वांव लांबायेचो पणसा रुकाचो खांदो दवरललो, ताचेर काबें कातरल्लीं. अक्कणीन पांय काब्यार दवरलो आनी वयर चडूंक सुरवातलें.

"जागरूत अक्कणी... राव हांव तुका धरतां" बाप्पू काब्या फाटीं गेलो आनी ताका हात दिलो. तकलेर वजें आसल्ल्यान अक्कणीनयी हात धरलो आनी त्या आधारान वयर चडलें. पेंडिचें चील अट्टणगे वयर घालें. चील सारकें करन दवरुंक तें आन्येक काबें वयर चडलें.

एकाच्छाणें बाप्पूय काब्यार चडलो "अक्कणी... चील इल्लें मुकार मुकार लोट..." आतां अक्कणी बाप्पू आनी चिलां मधें शिरकल्लें. बाप्पुचे हात अक्कणिच्ये फाटीर चडले. म्हजो तरनो उसवास हून जालो.

"इल्लेशें मुकार केल्यार पुरो, फाल्यां कशेंय काडिजे" बाप्पुच्या ताळ्यांत मात्र कितेंच आयब नातलें. पयशिल्यान मायन आयकल्यार नितळ उतरां. दोळ्यांनी पळेल्यार मात्र बाप्पुचीं कामां कळचीं. कुम्मणमंत्री बाप्पू... हांव मतींत चिंत्तालों.

अक्कणी शिणलें आतां... "तुवें भेश्टें भेश्टें काम दिंवचें म्हाका, सतावंक... पुरो यास तुजे... देंव सकल आतां..." रागान उलयलें तरी आवाज व्हड केलोना ताणें. भोवशा मांयक आयकनाये म्हण. मांयक आयकल्यार बरें न्हय? बाप्पुचे उपद्र उणें जांवचे नांत–गी? पूण तें कित्याक बोबाटना? हां... बाप्पू कामाक आपोंवचें रावयत म्हण–गी... या आनी दुसरें कांय...? मिशियो फुटून येवन आसच्या म्हाका बाप्पुचें हें रूप नवेंच.

"वोगो राव नायका तूं" अक्कणीन बाप्पुचो हात पयस लोटलो, बाप्पू बेप्प बेप्प हासतालो... पूण भियेल्ल्या बरीं दिसूंक ना. अक्कणी कित्याक गलाटो करिना? कित्याक पुस पुस उलयता?

हांव आसां म्हण बाप्पूक कळयजे... "बाप्पू... हांगा उंदीर येतात न्हय–गी?" हांव मधें पडलों.

"हेय... तूं कितें करतायरे हांगा?" बाप्पू एक खिणाक इल्लो कालूबुलो जालो. तरी तोंडार चड कितेंच दाकयनासतां, तो काब्या थावन सकयल देंवलो आनी म्हजे कडें घुंवलो... "तुका म्हज्या फाटल्यान भोंवचेंच काम–रे. वच... घरा वचून तीन रुपय हाड... अक्कणीक दीजे"

हांव वचूंक घुंवलों... बाप्पू परत म्हणालो "तीन नाका... च्यार रुपय हाड..."

"त्या चेड्याक काल्याक धांवडायतताय नायका... हांवच वचून बायम्मा लागीं घेतां." अक्कणी म्हजे तेवशीं घुंवून म्हणालें. "तूं राव बाबा. म्हाका इल्लें गोड उदकयी पियेजे. इल्ली पेज आसा–गी विचारिजे" अक्कणीन चील लोटून कोनशाक केलें. "उंद्रांक मारुंक वकत पुणी दवरतात–गी नायका. लूट चड जाल्यार सोडूंक जायना न्हय..?"

बाप्पुची मत खंयगी आसल्ली. "पळेयां... पळेयां..." तो थंय थावन चल्लो.

तशें हांव त्या दीस अक्कणिचो राकणो जाल्लों. अक्कणी अक्कान म्हाका रावूंक सांगलें म्हणचेंच म्हाका विशेस खुशी दिताली. म्हाका अक्कणियक्का म्हळ्यार एका थराची खुशी. ताणें म्हाका ताचो राकणो जावन विंचलें म्हण-गी? अक्कणी पळेवंक आकर्शक म्हण-गी? तें जिवांत घटमूट म्हण-गी? एक सरशी भरशी भोगाप.

परत मंगळार... पावसाळ मुगदल्लो तरी, नंय, तोडांनी उदक कांय उणें जावंक नातलें. तेंय नासतां पुनव जाल्ल्यान नंयत भरती. तोडांनी अरधो मानाय भर उदक आसल्लें.

अक्कणी पेंड घेवन आयलें. तोडभर उदक. कशें उतरचें? एकच खीण. ताणें कापड घागऱ्या सांगाता उकलन वयर शिरकायलें आनी उदकांत देंवलेंच. पूण उदक ताणें चिंतल्ल्याच्याकी चड आसल्लें. तशें जावन उकलून बांदलें तरी कापड भिजलेंच.

अक्कणी गोट्या दिशेन चलूंक लागलें. हांवयी ताच्या फाटल्यान धांवलों. बाप्पू थंयच आसल्लो... आसल्लो म्हणच्याकी मुत्ते आसल्लो म्हणचें सारकें ... तेंय अक्कणीन येंवच्चे वाटेक तोंड करन.

अक्कणीन दीश्ट घुंवडायली. बाप्पू हाळू शिलोणी मारतालो.

बांयच्ये देगेन आसल्ल्या कणप्यांत हात धुवन बाप्पू अट्टणगे लागीं पावलो. अक्कणीन चील धरणीर घालन जाल्लें. बाप्पुचें चान्स चुकलें चिंतलें हांवें. "ह्या पावटीं पेंड अट्टणगेर घालूंक जायना नायका..." अक्कणी खंडीत निर्धारान म्हणालें.

"जायत सायबिणी... जायत... घालचें नाका..." बाप्पू पातळ उलयलो. "उदकांत भिजलांय. हांवच घालतां मागीर. तुका दुसरें कापड जायगी?"

"कापड-गी?"

"व्हय... वोनिये कडे विचारन एक पोरनें कापड मेळतागी पळयतां"

"तशें जाल्यार जायत."

बाप्पून कापड विचारन हाडन दिलेंच. अक्कणी गोट्या देगेन आसल्ल्ये न्हाणयेक गेलें कापड बदलूंक. बाप्पूय ताच्या फाटल्यान गेलो.

"तूं कालें नायका फाटल्यान फाटल्यान?"

"न्हावंक उदक आसागी पळेतां" दांत सोडन बाप्पू सांगलागलो. "वचरे... च्यार सुकीं मडला वोडन हाड. उदक हून करयां अक्कणीक"

“तें पूरा कांय नाका. तूं राव बाबा.” अक्कणी आतां रागान पेटलें. “तुजें कापडयी तुंच दवरन घे” ताणें कापड काडन बाप्पूक फाटीं दिलें. फाटीं साणसिलें म्हणचें सारकें.

अक्कणिचीं हून उतरां, तेंय म्हजे मुकार आयकताना बाप्पूक लज भोगली. तरयी मिशी वयरच. “चड हंकार नाकागो”

“दुबळ्यांक हंकार करुंक जायना नायका” ताणें भिजलले कापडामुले पिळ्ळे आनी सकयल सोडलें. “म्हजी कूल दितायगी? मुकल्या मंगळाराचीय सांगाता घालन दी. मांयक वकताक वरिजे...”

बाप्पून धा रुप्याचो नोट वोड्डायलो. बाप्पुची जीब वोंट लेंवताले. अक्कणिची दीष्ठ पयशे चोयताली.

*****

अक्कणीन पेंड वावोंवची रावयली ना. बाप्पून लाळ गळोंवची सोडली ना. हांव शिकपाक म्हण गांव सोडतानांय अक्कणियक्काच आयिल्लें म्हजी पेट व्हावोवंक. तोच उगडास आकरेचो. उपरांत अक्कणिची मांय सरली, भाव सरलो म्हण मांयन फोनार सांगल्लो उगडास सोडल्यार, अक्कणियक्काक भेटलोंच ना.

*****

आज म्हाका पळयिल्लेंच अक्कणियक्काक वळक मेळ्ळी.

“कसो आसाय नायका...?” अक्कणी उगत्यान हासलें. “केदळा आयलोय गांवाक? कितें पेंटेक?”

आतां हांव ताका नायका जाल्लों. एक पावटीं चुर्क जालें म्हाका.

“बरो आसां. च्या पियेवंक आयिल्लों. गांवचो मसाले दोसे खाव्यां म्हण जालें” हांव सदांच्ये सळगेन उलयलों. “च्या पियेतायगी?”

“आतां कोणेंय दिल्यारच पोटाक...”

“ये...”

होटलाक गेल्यांव तरी तें दुसऱ्याच बांकार बसलें. हांवयी ओत्ताय करुंक गेलोंना. तिंडी सांगली.

“आतांय पेंड व्हावयतायगी अक्कणी?”

“आतां तें पूरा ना नायका...” अक्कणी निर्विण्ण जावन म्हणालें “घरा घरांक रस्ते

पावल्यात; तें न्हय आसतां, म्हाकाय प्राय जाली... पन्नास उतरलीं."

"हं... तेंय व्हय" म्हाका मुकलीं उतरां मेळ्ळींनांत.

थोडो वेळ आमचे मधें मौन चल्लें.

हांवें परत उस्तिलें... "काम कितें तरी करताय?"

"करतां... पेंटेंतच दुकानां झाडतां; या आंगडी थावन आंगडीक भरे व्हावयतां... व्हड भरे जायनांत... हळताचे भरे. दीस कशेय वेतात. गाद्या कामाच्याकी हेंच बरें काम आनी कूलयी इल्ली चडच."

तेंच पोरनें अक्कणी... दादल्यांच्या संसारांत काम करुंक पेचाडचें अक्कणियक्का. हांवें सबार वरसां थावन विचारुंक बाकी आसा तें सवाल, विचारलें.

"तुका ह्या दादल्यां मधें काम करुंक कश्ट जायनांत?"

"तुजी बायल कॉलेजीक शिकूंक वेता खंयमू. बाप्पू सांगतालो"

"व्हय"

"ताणें काम करचे लागीं दादले आसात न्हय?" आपलें कापडा वोरल फापडून अक्कणी म्हणालें.

"हें कसलें सवाल? नासताना आसतातगी... सबार आसात."

"थंय... तुजे बाप्पू तसले नांच नांत म्हणताय बाबा?" अक्कणी म्हाकाच तुकून म्हणालें... "हांगा पेंड, थंय बूक..."

2017

धवे मोचे

आयलेवार प्रवीणाक आपल्या पांयांचीं बोटां नितळ करचें सदांचें काम जावन गेल्लें. इगर्जेक वेचो वेळ जाल्लोय ताच्या गुमानांत नातल्लें. ताच्या कुमगाराची शिकोवण सुरू जावन सुमार दोन हफ्ते जाल्ले. ताणें घरा मागणें करचें कोंकणेंत आनी इगर्जेंत दोतोर्न कोंकणेंत जाल्ल्यान ताका सर्व सुलभ जाल्लें. उरल्लीं चडावत भुरगीं इंगलीष मीडियमाचीं. प्रवीणाची सुडसुडीत कोंकणी पळेवन सिस्टरीन कुमगारा दिसाचें 'पयलें वाचप' य ताकाच दिल्लें. प्रवीण क्लाशिचो हीरो जाल्लो.

तरी प्रवीणाक बेजार बेजार. कारण मोचे.

प्रवीणाक कुमगाराची तयाराय सुरू जावन दोन हते जाल्ले. इतले दीस फकत आयतारा दोतोर्नी वेळार पळेवंक मेळचीं ताच्या प्रायेचीं इगंलीश इस्कोलाचीं भुरगीं, आतां ताका ईष्ठ आनी इश्टिण्यो जाल्लीं. सदां सकाळीं धांवून धांवून इगर्जेक वेचें, अर्जेंट एक दिंबी मारची आनी उपरांत क्लास सुरू जाता म्हणसर कबडी खेळचें. एकेक फावटीं कबडी इगर्जेच्या वेरांडाक पावताली आनी सिस्टरीचे धेंकणेय पडल्ले तरी तें सर्व एका कानांत आयकून आन्येका कानांत सोडचें, दुसऱ्या दिसा परत तेंच. कबडी पुरो जाल्यार आपालिपा, तें सोडल्यार चोर पोलीस. वाश्याबरीं 'तीर्र' आसचो प्रवीण, धांवून खेळून वाडल्लो प्रवीण, असल्या खेळांनींय चुरूक. प्रवीण क्लाशी भायर हीरो जाल्लो.

तरी प्रवीणाक बेजार बेजार. कारण मोचे.

हें 'बेजार बेजार' आरंभ जाल्लें पोयर कुमगाराक कितें न्हेसचें म्हण भुरग्यांचें उलोवणें सुरू जाताना. एकलो आपूण सूट न्हेसून येतां म्हणताना अन्येकलें हांव दोन हजारांचे बारबी शूज घेतां म्हण बडाय उलयतालें. पूण प्रवीणागेर फाटल्या नोव म्हयन्यां थावन पांच कुंकडां पोसल्लीं सोडल्यार, ताच्या वस्तुरा विश्यांत उलोवणें चलल्लें प्रवीण आयकून नेणां. मोच्या विश्यांत चिंतपयी नातल्लें.

प्रवीणान वेच्या सरकारी इस्कोलांत मोचे घालन वेचे नातलेच. तें नासतां इस्कोला वाटेर मेळची नंय, उडूंक आसचें जुंव्याचें उदका तोड, चलूंक आसच्यो गाद्या मेरो, तें पावना म्हण गिमांत सुकून येंवची नंय, हें चिंताना व्हाणो घालन इस्कोलाक वेचेंच अनकूल. केन्ना केन्ना फेस्तां वेळार या काजारा माटवांनी कोणे मोचे घालन येताना, हाकाय आशा जाताली तरी, घरा विचारन फायदो नातल्ल्यान ताणें मोच्या विश्यांत तोंड काडलेंच ना.

पूण दोतोर्नी क्लाशींत भुरगीं मोच्या विश्यांत उलोवन आसताना, प्रवीण वोगोच बसलो. बेंगळूरचो डॅरेल त्या दिसा हीरो जाल्लो. डॅरेलाचे मोचे ताच्या डॅडीन जर्मनी थावन हाडलेले खंय, तांतू उजळची 'शैनिंग सिलवर' देग खंय. त्या दीस प्रवीण हीरो

जावनातल्लो आनी 'बेजार बेजार' सुरू जाल्लें. दोतोर्न जाल्लीच खेळूंक रावूंक ना तो. झगर्जे दोरो उतरून, उपरांतले रस्ते धांवून धांवून, गाद्या मेरो एकाच दांपाक उडून उडून, फकत धा मिनुटान नंय तडीक पावलो.

हर्शें बापय ताका व्हरुकं दोण घेवन येतालो. त्या दीस आनिकी पावूंक नातल्लो. प्रवीणान पळेलें - नंयंत सुकती. ताणें चड्डी काडली आनी रेंवे-हाऱ्या वयल्यान चलूंक लागलो. खंय उदक गूंड आसता, खंय उणें आसता, सर्व कळीत ताका. इस्कोला थावन येताना, गिमे दिसांनी भुरयांनी चडावत नंय उतरची अशीच. पूण प्रवीणाक एकल्यानच चलून नंय उतरल्ली मात्र पयले फावटीं. आपल्या कुमगाराच्या न्हेसणां विश्यांत, मोच्या विश्यांत आजच समजाजे. ह्यो वोडींत नंयचेंय भ्यें दिसलें ना. नंयंच्ये आल्तडी पावल्लोच, वयर चडून चड्डी शिरकांवक लागलो.

तितल्यार लागशिल्या बोल्यांत 'सर्र' आवाज. पळेल्यार एक शिरलो (chameleon). प्रवीणाचें तोंड फुल्लें. शिरल्यान जेजू खुरसार आसताना आपली तकली हालोवन तुकलायिल्लें खंय. देकून शिरल्याक मारन खुरसायजे. तशें केल्यार 'गुडलक' खंय. 'नवे शूज जाय' प्रवीणान वेळ काडलोना. एक हळत मांड्ड्यापिडो घेतलो आनी दरब्या बोलीं मारूंक लागलो. इल्ल्या वेळान शिरल्याची शिमटी दिसली. अंदाज करन एकच मार. 'चींर्क, चींर्क' करन शिरलो पडलो. 'गुडलक, गुडलक' आतां खुरसायजे. खुरसार मारुकं हांगा खिळे नांतमू? घराच व्हरिजे हाका. एक जिव्या मडला हीर घेवन ताणें शिरल्याक लांबत घालें, गळपास दिल्लेबरीं. शिरल्याची शिमटी हालची आनिकी रावूंक नातली. फातरांत धाडांव? नाका आसूं. गळपास घाल्ल्यान सांजे भितर तरी मरतलोच. शिरल्याक वोडीत्त प्रवीण घरा तेवशीन धांवलागलो. आपणाक कुमगाराक कसली मुस्तायकी तयार केल्या म्हण समजुंच्या दर्वड्यान. आनी अदृष्ठ बरें जातलें म्हळ्ळ्ये आशेन.

"माम्मी... माम्मी..."

माम्मी दोनपारांची कडी वाटून आसली. "कालेंरे, जीव वयतागी तुजो?"

रगडो रावोवन भायर आयली.

"माम्मी म्हाका कुमगाराक ड्रेस कलो माम्मी?"

"कलो म्हळ्ळ्यार? कुमगारा ड्रेस धवो नैरे?"

"तें नंय हांवें इचारलें, केदळा हाडताय पँट, शर्ट, शूज?"

"हाडचें कालें ' पडुकोण मावशेन तिच्या पुताचें कुमगारा वस्तूर दितां म्हळां"

"हों जीवनाचेंगी?" प्रवीणान वोडलें. मावशेचो पूत हाच्याकी एक वर्स व्हड. तशें जाल्ल्यान

जीवनाचे इस्कोला बूक, ल्हान जांवचें वस्तूर प्रवीणाक मेळतालें, प्रवीणाचो पप्पा वचून हाडन येतालो म्हळ्यार सारकें. 'आपणाक नवें वस्तूर ना' म्हण इल्लें चिमटिल्ल्या बरीं जालें तरी वस्तूर पुणी मेळ्ळें न्हयगी तितलेंच पुरो, पोरनें म्हण सांगल्यार ने कळचें? समाधान करन घेतलें प्रवीणान.

तितल्यार ताका भायर चवकेर दवरून आयिल्ल्या शिरल्याचो उगडास जालो. ताका खुरसांवक खिळो सोदूंक लागलो तो. हातीक मारूंक दोन खिळे मेळ्ळे. पूण पांयांक मारूंक दोन जाय. व्हड जाल्यार एकच पावता – दोनी पांय सांगाता दवरून खिळाव्येत. पांय... शूज... तो परत भायर धांवून आयलो.

"माम्मी पँट, शर्ट समा. पूण शूज?"

"शूजगी?"

"व्हय माम्मी, बूट्रस, धवे बूट्रस तेय जीवनाचेचगी" नख्खी करूंक विचारलें प्रवीणान.

"तें गोत्तुना मुन्ना. तुज्या पप्पान कालें केलांगी? इचारुकं म्हज्ये मतीकयी येवना. सांजेर इचाऱ्यां."

प्रवीणाचीं चिंतनां घुस्पलीं. उरले दोन हफ्ते. 'शूज मेळनांत तर भारी कश्टमू. इगर्जेंत सक्कडयी शूज घालताना हांवें कशें शूज नासताना? ह्याच निबान सिस्टरीन म्हजें पयलें वाचप चुकयल्यार? डॅरेलाच्याकी सोभीत शूज मेळूंदी देवा' प्रवीणाचें मागणें चल्लें.

सांज आयली. बापय आयलो.

"पप्पा पप्पा जीवनाचे शूज दितां म्हळांगी म्हाका?"

"कुमगारा शूज तो इस्कोलाक घालता खंय, देकून ताचे दुसरे शूज आसात तेच दितां म्हणताली मावशी"

"कलर खंयचो?"

"तुजें कालें कर्कररे, तांणी दिंवचेंच व्हड... ताकाय आमी उणां बांदचींरे... हांवें कलर गिल्लर पूरा इचारुना. नाका जाल्यार चप्पल घालन वच"

"म्हाका शूज धवेच जाय... सक्कडयी धवे शूज घालतात. डॅरेलाचे 'शैनिंग' शूज गोत्तुगी" हळतार सुस्कारुकं सुरू केलें ताणें... ताच्या इष्टिण्यांनी किस्क करन हासचें चिंतून कडकडलो तो.

"म्हाका दिल्लें पयलें वाचप काडन भावाडताचीं मागणीं दिल्यार, कितलें शेम शेम... म्हाका शूज जाय"

“अळे फाल्यां या पोरवां तांगेर कुमगाराक हेळकी सांगूंक वयतां. तेदळा दिल्ले घेवन येतां. धवे काळे पूरा म्हाका गोत्तुना”

“फाल्यांच वोश्यांगी? हांवेंय येंवचेंय?” बोटांची नाक्षी किमचीत विचारलें प्रवीणान.

“तूं काल्याक? बस्सा खर्चाकगी? खंय नाका येंवचें, वोगो दोतोर्नीक वच” आनी मुकार उलोवणें ना म्हणचेबरीं तो न्हाण्येक गेलो.

दुसऱ्या दिसा प्रवीण वेग्गीं उटलो. त्या दिसा परत पयल्या वाचपाचें प्रॅक्टीस आसल्लें. ताच्याकी वरतें ताका भुरग्यांच्या मोच्यां विश्यांत समजूंक आसल्लें.

दोतोर्नी वेळार पयलें वाचप प्रॅक्टीस जातच तो डॅरेलालागीं बसलो. डॅरेल बेंगळूरचो. ताका गांवांत कुमगार. दोतोर्नी क्लाशीकयी मोचे घालन येंवचो कुळवार.

“तुका कुमगाराचे शूज हाडलेगी, या हेच घालताय?” सिस्टरीक आयकानातले बरीं हळू विचारलें प्रवीणान.

“हेगी... नो... नो... हे म्हजे खेळचे शूज. म्हाका डॅडीन जर्मनिचे शू हाडल्यात.” फुसपुसलो तो.

“हो... व्हयगी... तुजेलागीं कितले शू आसातरे?”

“म्हाका समा गोत्तुना, पांच-स आसूंक पुरो.”

“हं...”

तितल्यार डॅरेलाक सिश्टरीन ‘भावाडताचें प्रार्थन’ प्रॅक्टीस करूक आपयलें. तो मोचे काडन दवरन आल्तारीर चडलो. प्रवीण बोटांत बांकार गिच्चूंक लागलो. सकटांलागीं शूज आसात... धवे धवे, नवे नवे. म्हाका मात्र पोरने शूज.. तेय मेळ्ळ्यार मेळ्ळे. धवेगी? काळेगी तेंय गोत्तुना.

त्ये सांजेर घरा प्रवीणाक चड बरी खबर कांय मेळ्ळीना. मावशेन मोचे पुणी दिल्ले, पूण ते प्रवीणाच्या पांयांक अंर्दाताले. तेंय न्हय आसतां, वरसा थावन मुल्यार दवरल्ल्यान दिसता, थंय-थंय बुगटो जावन इल्ले बुर्शेय जाल्ले.

“बोटांक इल्लें तेल पुसून शिरकायल्यार समा जातारे, एक-दोन घंटे घालूंक न्हयगी? हाडूंक गेल्यार हजार दीजे” बापय मात्र एक तकली हून उणे जाल्ल्यान, बायलेलागीं कुमगाराच्या जेवणा-तयाराये विशीं उलोवंक लागलो. प्रवीण तोंड चेप्पें करन बसलो.

आतां प्रवीणान आपल्या पांयांच्यो नाक्षयो काडूंक आनी बोटांक तेल पुसूंक सुरू केलें...

सकाळीं आनी सांजेर. आतां सुरू केल्यार दोन हफत्यां उपरांत मोव जातीत म्हळ्ळ्या भर्वश्यान.

दुसऱ्या दिसाय परत डॅरेलालागींच बसलो आनी डॅरेलाचे मोचे पळेवन रावलो. ताच्ये मतींत हजार सवालां. कुमगारा दीस मावशेगेले शूज घालूंक जायनात तर? घाल्यारी सारकें चलूंक जायना तर? कोणे तरी म्हाका पळेवन हासल्यार? हीरो थावन जीरो जातांमू!

तितल्यार डॅरेलाक भावाडताचें प्रार्थन वाचूंक सिस्टरीन आपयलें. डॅरेल मोचे काडन आल्तारीर चडलो. डॅरेलाचे शूज नवेच आसल्ले. कितेंगी चिंतप येवन प्रवीणान ते मोचे हळू शिरकायले. समा फिट्ट जाताले. हे म्हाका मेळ्ळ्यार...? ताचेलागीं कशेंय मस्त शूज आसात. चड चिंतूंक वेळ नातलो. सिस्टरीक 'नं-1' म्हण बोट दाकोवन भायर धांवलो. मोचे, घांटीच्ये तोरी फाटल्यान लिपोवन दवरले आनी वयल्यान सुकीं पानां धांपलीं. सरारां फाटीं आयलो आनी पयलेंचे कडेच बसलो. आपल्या जाग्याक फाटीं आयिल्लो डॅरेल मोचे सोदताना, प्रवीणयी ताच्या सांगाता मेळ्ळो, मोचे सोदूंक. सिस्टरीकयी खबर गेली. पूण मोचे मेळ्ळे नांत. डॅरेल अरधें रडून, अरधें 'इट्स ओ.के. डॅडी मारीना' म्हण घरा गेलो.

आतां दुसरी खंत सुरू जाल्ली. मोचे घरा वरचे कशे? तें न्हय आसतां, शूज पुरते धवे न्हय, परत 'आयडिया'. सांजेर आवयलागीं झगडून मरुन म्हळ्ळेबरीं तीस रुपय घेतले आनी एक ल्हान कंरडो धवो पेंयट घेतलो. दोतोर्नीं उपरांत इगर्जेंत बसून दोनी मोचे धव्या रंगान रंगयले आनी सुकूंक दवरले. तीन दिसांची म्हिनत आनी धवे मोचे तयार जाल्ले.

"माम्मी पळे, सिस्टरीन म्हाका धवे शू दिल्यात"

"व्हयगी? तूं कितें विचारूंक गेल्लोयगी?"

"नाबा, हांवें पयलें वाचप वाचीजे न्हयगी; देकून सिस्टरीन हांव बरो दिसजे म्हण कोणगी अंकलालागीं विचारन दिवयले म्हाका..." मोचे वोड्डायले ताणें.

"हें कालेंरे पेंय्ट पेंय्ट लागता हातीक?"

"हांवें शू पेंय्ट केल्ले धवे करूंक?"

"तुजीं कर्मां... कितेंय कर" आवय भितर गेली. 'हाब्बा... कुमगारा दीस हांव हीरो' लांब स्वास सोडलो प्रवीणान.

*****

कुमगारा दीस प्रवेश गीत जालें, डॅरेलाचीं डॅडी-माम्मी फोटे, भेटोवणी अशें तांच्याच संसरांत आसल्लीं. ताचे शूज कोणेंय पळेवनांत.

‘हांव पात्की’ जालें. प्रवीण पयलें वाचप वाचूंक तयार जालो. मोचे काडन वेदीर चडलो आनी वाचपयी सोंपयलें. कुमगारयी जालो. बाकी आसचें फकत एक फोटो काडूंक. डॅरेला थावन इल्लें पयस रावल्यार जालें.

कुमगारा उपरांतलें मागणें म्हणूंक प्रवीणान दिंबी मारली – ‘काळजांत पयिल्ले फावटीं आयिल्ल्या जेजू, तुका अर्गां दितां. पात्कांत पडनाशें म्हाका...’ ताचीं पांयां बोटां खोरजूंक सुरू जालीं. सांगाता पांयांचें मांड्डुं बोट हळू सणसणतालें. ताणें मोचे निसरायले आनी बोटां खोरपिलीं. परत मागणें घुणगुणूंक लागलो. ताणे दोळे उबारन आल्तार पळेली. जेजू आपणाकच देखता तशें भोगून ताणें दीष्ठ सकयल केली. ताचे दोळे जेजुच्या पांयार खंचले. एका खिळ्याक खिळायिल्ले दोन पांय... पाज्राल्लें रगत... पांय... शिरल्याचे ते पांय... शिरल्याक घरा हाडन दवरल्या उपरांत, मोच्यांच्या वांद्या मधें, शिरल्याची विसरच पडल्ली प्रवीणाक. आतां कांय तो सुकून गेला आसतलो या मुयांनी खावन सोडलांगी? ताणें दोळे धांपले – मागणें परत सुर्वातलें. तरी मतींत परत एकच चिंतप खातालें ‘शिरल्याक खुरसांवक विसरलों’ देकूनच नवे शूज मेळूंक नांत? खुरसायिल्लें तर...? चुरचुरलो प्रवीण. शिरल्याची दडबडची शिमटी आनी रंगाळ तकली ताका तुकलायताली.

2017

धग

तो

जास्मिनान रागान बंध केल्लो पंखो म्हाकाच पळेवन आसल्लो. बेंगळूरचें थंड, ऊब वोल, नवीच गजडी हें सर्व आसल्यारी म्हाका नीद येनातल्ली. पूण जास्मीन मात्र येदोळच निदेक निसरल्लें. तरी गूंड नीद आयल्या या ना म्हळ्ळें खात्री करुंक हांवें जास्मिनाक हळू धोंकळायलें. ताचे बावळे म्हज्या पोटार इल्ले अंर्दाले शिवाय जागे आसचीं दुसरीं कसलींय खुणा ताणें दाकयलींनांत. हाकाच राकून आसल्ल्या हांवें ताचे हात हाळवायेन सोडयले आनी तेमेट्यांनी स्विच बोर्डाकडें गेलों. पंख्याचें नंबर पांचार आसल्लें. पांच नंबरारच पंखो चालू करची जब्बोर आशा जाली तरी, जास्मिनाच्या भिंयान हांवें नंबर दोनाक देंवयलो आनी स्विच दांबलो. हळू गरगर आवाज करन पंखो चालू जालो. पंख्याचें वारें कातीक आपटाताना एक सुशेगाचें भोगप जिवांत व्हाळून गेलें. वाऱ्याचो आवाज कानांत खेळताना एदोळ पयस उरलली नीद दोळ्यांनी भरून आयली.

तें

आलारामाच्या मात्यार मारन गजडे वयलें उटूंक आयतीं जालीं. कुजनांत सासुमांय एदोळच कामार पडल्ली. पांगूरल्ली वोल देगेन लोटूंक गेल्यार थंड थंड लागलें. तें न्हय आसतां गळ्याकडे आनी कानांत खोर्जाल्ल्याबरीं जातालें. कानांत बोट घालन हालयलें. इल्लो सुशेग. म्हजी सदांची शेळ. पंख्याच्या वाऱ्याक, धुळीक सुरू ज़ांवच्ये ऍलर्जिची शेळ. हाचींच कामां.

हांवें काजार जावन हांगा बेंगळुराक येवन जाल्ले च्यार दीस मात्र. काजारा पयलेंच हाणे भाड्याचें घर सोदून तयार दवरल्लें तरी, घराची नितळाय, घरा-सामाना विलेवारी, एलेट्रिकल काम जावंक काल म्हणसर जाल्लें. तशें जावन पयले तीन दीस रातीक फॅन नातल्लें. करावळे थावन आयिल्ल्या म्हाका ताची गर्जयी दिसनातल्ली. दिसाचें मोड आसतालें आनी सांजेर पावस वोत्तालो. तशें जावन रातीक निदताना, थंड थंड. पूण हाका मात्र कितेंगी, 'फॅन ना फॅन ना' म्हण हुळवुळतालो. विचारल्यार 'म्हाका फॅन नासताना नीद येना' म्हणतालो.

तीन दीस फाटोफाट धुळ पुसची, धरण धुंवचें काम केल्ल्यान दिसता, काल सांजेर शिंको सुरू जाल्ल्यो. हाका तें पळेवन आकांत. नाका नाका म्हळ्ळ्यारी दात्तेरा लागीं व्हरन गेल्लो. दात्तेरान सांगल्लें तेंच सदांचें 'तुका ऍलर्जी आसा. तें नासतां थंड हवो. आनी थोडे दीस धुळ, फॅन, धुंवर चुकया. पांयांक व्हाणो घालन चल.'

म्हाका सदांची तरी, हाका म्हज्यो शिंको, म्हजी शेळ नवीच. इल्लो चडच घाबरल्लो. घरा आयिल्लेंच सूप करन दिल्लो कितें, घरा भितर घालूंक म्हण नवींच व्हाणो हाडल्ल्यो कितें? रातीक जेवणा उपरांत वकता गुळी दिल्ली कितें? पूरा समा. पूण निदताना मात्र दुसरेंच.

"जस्सू, इल्लें फॅन घालचेंगी मां" म्हण विचारलें मात्र. हांवें जवाब दिंवच्या फुडेंच पंखो चालू करनयी जाल्लो हाणें, तेंय पुरतें पांच नंबराचेर दवरन. नवोच पंखो जाल्ल्यान दर्या देगेन रावल्लेबरीं वारें रुमू–रुमू मारतालें.

म्हाका पिंतेग चडलो.

"तुका कितें तकली समा नांगी" म्हजो आवाज इल्लो चडच वयर गेलो. "हांव हांगा शिंको काडन काडन थकल्यां आनी ह्या थंडांत तुका फॅनगी?"

ताच्या तोंडार विचित्र छारो एका खिणाक पाशार जालो.

पूण तक्षण म्हजेलागीं आयलो आनी वोंटार बोट दवरलें – मांय आयकात म्हण हिशारो दीवन.

हांव इल्लीं निवलीं. पूण परत विनतिलें "प्लीस –ने... आज फॅन नाका. शिंको काडन काडन हर्दें दूक."

"जायत जायत... काडतां काडतां" ताणें स्विच बंध केली. "फॅन नांतर नीद येना म्हाका. आसूं..पळयां"

काल रातीं इतलें पूरा जावन पंखो बंद जाल्लो. "हां, जायत, फॅन घालीना मां" म्हण मंगाणे केल्लो हो, मधें उटून फॅन घालन निदला.

शीण आयलो तरी निदल्ल्याचेर कितें शीण उचारचो. तें न्हय आसतां, म्हाका शिंको आयल्यारच गांव मात्यार पडल्ले बरीं करचो घोव. कितेंगी मोग भरून आयलो. पंख्याचो वेग तिनाक चड करन कुजना तेवशीन गेलीं.

ती

काल रातीं हांचें, पंख्याचें उलोवणें भायर आयकातालें. म्हज्या पुताचें हें पिशें सोडचें केदळागी? चेडो पूरा बरो. पूण केदळाय 'धग धग' म्हण सांगचें मात्र म्हाका समजना. केदळाय पंखो घालन निदचें. कुलकुलचें थंड आसल्यारी फॅन जाय या शिरांधारींचो पावस आसल्यारी फॅन जाय. कोणाक तरी राग हाडोंवचेंच.

काजार जावन दोन हफ्ते जाल्ले. पूण एदोळ गांवांत आसल्ल्यान आनी गांवांत वोत तशें

धग आसल्ल्यान हाचें 'फॅन नातर नीद येना' म्हणचें पिशेपण भायर येवनातलें. पूण आतां जिणी बेंगळुरांत. कालच उतरां हून जावंक सुरू जाल्यांत. त्या चेडवान पाप जीणभर सारिजे हाचे सांगाता. थोड्यो संगती मस्त ल्हान तरी, त्यो सदांच्यो जाताना, भोगल्ल्यांकच कळीत तांची करंदाय. हो... सून उटलें म्हण दिसता. पुतान उटच्या पयलें सुनेलागीं उलोवन सोडिजे. नांतर, शीत वचून पेज जायत.

तो

हांवें दोळे सोडले. जास्मीन खटल्यार नातल्लें. पेंकटाकडे वोलें वोलें– घाम घाम भोगलो. वयर पंखो वेगान घुंवून आसल्लो. बायलेन एदोळच वेग चडयिल्लो तरी, पावना म्हण भोगलें आनी हांवें वेग च्याराक वाडयलो.

आपुडन पळेल्यार घाम नातलो. मामा हांव ल्हान आसताना हांवें अशें करचें पळेल्यार "मुन्ना, मिट्टो भिजला म्हण पळेतायरे" म्हणता आसलो. ताका क्षीण हासो आयल्यो.

मामा...मिट्टो...घाम...गीम...

त्या दिसा आनिकी सारकें उगडास आसा. एप्रील म्हयनो. रजा मेळल्ली मात्र. हांव सातवी उतरून आटवेक पावलों. आकयगेर तिच्या नातवाक पाळण्यांत घालचें कार्न्यें म्हण हांव मांय सांगाता गेल्लों. म्हाका भारी हुमेद – सर्व बापूल भाव आनी भयणीं संगीं गम्मत करुंक मेळता म्हण; मामियेन दुबाय थावन हाडल्लीं चॉकलेटां खांवक मेळतात म्हण; मामागेल्या आंब्या तोटांत मेळचे थरावळ आंबे खाव्येत म्हण.

तें नासतां मामागेर वेचेंच एक फेस्त तशें. मामाक हांव म्हळ्यार भारी खायेस; भोवश्या हांव ताच्या निमाण्ये भयणिचो पूत देकून. आमगेर दोन म्हयन्यांक या तीन म्हयन्यांक एक फावटीं तरी येतालो. येताना भुंय–चण्या बजे, चाकली अशें कितें हाडतालोच. वेताना धा, वीस रुपय हातार घालनच वेतालो.

ताचो एक विशेस खेळ आसलो म्हजे सांगाता. मिट्टो खांवचो. हांव ल्हान आसताना खंय तरी चड्डी घालनासतां भायर आयलों म्हळ्यार पुरो, मुन्नान मिट्टो सुकत घाला, 'हांव खात्तां, हांव खात्तां' म्हण म्हज्ये फाटीक लागतालो. हांव किडकिड्यांनी हासून घरभर धांवतालों. तो म्हजे फाटल्यान... 'मुन्ना मिट्टो दी, मुन्ना मिट्टो दी...' म्हण. ताणें म्हजी फाट सोडची, ताणे म्हाका धरन मिट्ट्याचे उमे घेतल्या मागीरच. मांय पळेवन हासत्त रावताली... भावा आनी पुताचे खेळ पळेवन. भोव संतोसाचे दीस ते. आयिल्लो मामा उण्यार उणे दोन दीस रावतालो.

मामी दुबाय वेतेर मामाक ताच्या घराकडेन काम चड जाल्लें तरी आमगेर येंवचें उणें

करुंक नातलें. पयलेंचे बरीं सांजेचो रावनातलो तरी आमकां मेळूंक एका आदेसाक तरी येतालोच. त्या वेळार म्हज्या पप्पाचें काम गेल्लें. हितलाच्ये हुटवळेंत आमकां दीस काडूंक त्रास भोगच्या वेळार मामा थावन इल्ली पयशां कुमकयी मेळताली, मामियेक कळनासताना. जर म्हजें शिकप मुकार गेलें या घालूंक वस्तूर आसल्लें तर, तें मामा निमतींच.

तांचें नवेंच घर... कांय च्यार म्हयन्यां पयलें घर –ओकाल जाल्लें... नवीच धरण थंड थंड भोगताली चलताना. मामान घर सगळें धव्या रंगांत सजयिल्लें. धरण धवी, सीलिंग धवें, वयर धवेच पंखे...

आमी पावताना एदोळच मस्त भुरगीं एकटांय जाल्लीं–आकयगेलीं, मावशेगेलीं, बाप्पूगेलीं...मस्त भुरगीं ... भारी गम्मत...एका दोनपारां सुरू केल्लें खेळूंक ... सांज म्हणसर थिगडून थिगडून पुरो पुरो जाल्लें.

तितल्यार ल्हान आमोरी आनी उपरांत गम्मत जेवण. मामान मास भाजयिल्लें. सांगाता हून हून भुंयचण्या बजे, गल्फाचे बादाम, काजू बियो... सक्कड जाताना रातीक इकरा जाल्लीं. आतां निदूंक तयारी. जणां चड जाल्ल्यान बायल मनशां आनी भुरगीं भितर आनी दादले मनीस भायर म्हण माम्येन सांगलें. हांव 'भुरगीं भितर' म्हण सांगल्ल्यान वचून म्हज्या कज़न भयणीं सांगाता मांद्रेर आड पडलों. सुमार बारा भुरगीं आसल्लीं. इल्ली खातडशी जाल्ली तरी आमकां ताची पर्वा नातल्ली. पंख्याचें वारें रुमुरुमू करन मारतालें. तें नासतां सकयल थावन धरणिची शेळ. थंड थंड जातालें. दिवे पालवयिल्ल्या उपरांत, वोली भितर गुणूगुणू उलोवन, किडकिडून हासूंकय जाता. आमचो गलाटो परत सुरू जाल्लो.. मांद्रे भितर रिगचो, वोली वोडच्यो, चिमटे काडचो, भयणिंच्यो पांतियो वोडचो...

तितल्यार मामी भितर आयली. सांगाता मांययी आसली हातींत एक उशें घेवन.

"कसलो आवाज–रे तुमचो. कान केप्पे जाले. सगळें संतान सांगाता मेळ्ळां... गांव काडूंक पुरो तुमी."

ती म्हज्या मांय कुशीन घुंवली. "तू खंय निदतायगो, हांगा जागो नांमू... तिणें परत आमचेर एक दीष्ठ भोंवडायली. "हेय, तूं रेडो हांगा कालें करतायरे, बायल मनशां सांगाता?"

सर्वा हासलीं. म्हाका लज लज भोगली.

"वच भायर निदे" मामियेचें फर्माण.

"माम्ये भायर धग.. हांव हांगाच निदतां... फॅना वाऱ्याक."

“तूं भारी फॅनां मुळांत निदचो... एदोळ कितलो निदलायरे फॅना मुळा? निकळरे भायर पडपश्या” मामियेचो ताळो गर्जे भायर तीक आसलो. तेवशीन खंयगी बाप्पुच्ये धुवेन, डॉरान ‘किस्क’ करन हासचें आयकालें. लजेन मुदो जावन भायर गेलों.

भायर आंगणांत तर्पालाचेर घाल्ल्ये मांद्रेर इल्लो जागो आसल्लो. मामा बिडी वोडीत आसलो. ‘यो मुन्ना, निदे हांगा’ हांव मामा लागीं वचून आड पडलों. मामाची बिडी जाली दिसता, तोय निदलो. बिडियेचो घाट, ताणें सांजेर घाल्ल्या कंट्री सोऱ्याच्ये घाणींत भरसून, वोंकारे येंवचे बरीं जाल्लें. भितर थावन अकिला, सुनिता, अनिता, आशा, प्रियाच्यो किटकिट्यो... पंख्या मुळा मस्ती तांची. हांव हांगा मामालागीं, धगींत आनी घाणींत. मामा खंय तरी ‘मिट्टो खातां’ म्हण येतागी म्हण चिंतनां आयलीं तरयी, आयलेवार हांवें सातवेंत येतेर मामा तसो करीनातलो म्हळ्ळें धयर आसल्लें. दीसभर थिगडाल्ल्यान दिसता, त्ये धगिंतयी म्हाका नीद पडलीच.

कितेंगी चरल्ल्याबरी जाताना म्हाका जाग जाली. मामाचीं बोटां म्हज्या आंगार आनी पेंकटार चरतालीं. मामाच्या तोंडाची बिडी तशें सोरो भरसाल्ली मूर आतां म्हज्या तोंडाभर जाल्ली. ताचो घाम म्हज्या आंगार घश्टातालो आनी आंग सगळें भिजून गेल्लें. मामा जोर जोर स्वास सोडतालो आनी मुसमुसतालो. मामाचें तसलें विकारललें तोंड हांवें केदळाय पळयिल्लेंच ना. हांव इल्लें घाबरलों आनी मामा थावन चुकोवन घेवंक दडबडलों.

“निदेरे काय ना काय ना” मामा म्हणालो.

“सोड मामा कालें करताय मामा”

“तूं निदे... तूं निदे... फाल्यां मिसाक वचूंक आसा.. ना तर मिट्टो खातां पळे” ताणें तमाश्याक म्हळ्ळ्याबरीं सांगलें.

“वोगो राव मामा” म्हण हांवें सांगलें तरी, मिट्टो धांपूंक हांवें हात सकयल व्हेलो.

चड्डी नातल्ली?!

म्हाका आतां पुरती जाग जाल्ली. लजेन हांव सगळो मुदो जाल्लों. मामाचेर वोंक आयली म्हाका. तेदळा ताचे हात म्हजेर बळ घालन निदायताना, म्हाका मस्त भ्यें दिसलें.

“मामा...” हांवें रडूंक सुरू केलें. म्हजो आवाज व्हड जाल्लो आयकून मामान ताची वेंग सदीळ केली आनी म्हज्या तोंडार हात दवरलो. हांवें मामाचे हात सोडोवन घेतले आनी उट्टून मांयलागीं धांवलों.

मांय निदेंत आसली. हांव हळू तिच्ये वोली भितर रिगलों.

गूंड निदेंत आसलल्या तिणें कूस परतिली.

"कालेंरे... अरध्ये रातीक उटून भोंवताय"

"मामा मिट्टो खाता...म्हाका भ्यें दिसलें"

"कालें? तूं आनी तुजो मामा... ताका खेळोंकयी एक वेळ –काळ म्हण ना. तूंय मामा, मामा म्हण रीग मामाच्या बक्करा भितर..." हांवें उटयिल्ल्यान तिका राग आयिल्लो. "ह्ये रातीक कसलो खेळ तुमचो? नीद पाड करुंक. निदे आतां"

तिणें म्हाका पेंकटाक धरन लागीं वोडलें.

"हेय... तुजी चड्डी खंयरे?" ती कावजेली.

"मामान काडली..." हांवें रडून जाप दिली.

"व्हय, मामा चड्डी काल्याक काडता खंय तुजी" उटून बसली ती "म्हजीं कर्मा" तुमचो मामा–भाच्याचो खेळ म्हण म्हाका नीद नां."

पुरपुरोन ती भायर गेली. मामाक तिणें शिणचें आयकालें म्हाका. मामा पुसपुश्यांनी "कांय नागो? कांयना गो...वच...निदे...निदे... चेडो सांगता म्हणगी...तमाशेगो" म्हणतालो.

मांयन चड्डी हाडन दिली. घामाची घाणं येताली आनी आंगणाची माती लागल्ली, हळशीक जालें तरी निर्वोग नासताना चड्डी घाली आनी मांद्रेर आड पडलों. दोळ्यांत नीदयी भरल्ली, पोटांत भिंयान कुलकुलतालें. मांयक पोटलून धरून निदलों.

त्या उपरांत म्हाका उगडास दुसऱ्या दिसा सांजेरच. हांव मामियेगेल्या बेडरुमाच्या खटल्यार, पंख्या मुळांत आसलों. वयर पंखो घुंवतालो. हांव उटून बसूंक गेलों. जीव सगळो दुखतालो. माम्मी मात्यार वोलो कुडको दवरन आसली. सकाळीं थावन ताप खंय. कितें कितें बडबडतालों खंय.

मामाय केदना केदना येतालो म्हाका पळेवंक. म्हाका आनी मांयक दात्तेराकडे ताणेंच आपोवन व्हेल्लें. दात्तेरान उदक बदलिल्ल्यान ताप म्हण दोन दिसांक मातऱ्यो दिल्यो.

ती

सून आयली दिसता. नवी सून... रागाचें मांड्डेंगी या समाधानिगी गोत्तुना... सांगचें सांगाजायीच.

"हलो मांय..नीद पडलिगी"

समाधानान आसा म्हण दिसता.

“नीद इल्ली पडली पुता. नवो जागो न्हय. तशें जावन मधें मधें जाग जाताली. कशी आसा तुजी शेळ.”

“शेळ थोडी बरी जाल्या. पूण इल्लो गळो खोर्जता... फॅनाच्या वाऱ्याक म्हण दिसता.”

म्हजे कुशीन मार्मीक रितीन पळेवन सांगालें तें... ताणें फकत सांगलेंगी या म्हाका दाकोवन दीवंक सांगलेंगी? म्हाका कस्क जालें.

उतर काडचेंच... विशय उलोंवचोच... जाल्लें जाता.

“दात्तेरान फॅन, धूळ आडांवक सांगलां म्हणतालो तो. मागीर कितें फॅन घाल्लें? हेजेंच हट आसतलें... केदळा पळेल्यारी फॅन जाय फॅन जाय म्हण सांगचें... थंड म्हण ना, पावस म्हण ना. हाका मात्र केदळाय धगच.”

सुनेच्या तोंडार विचित्र हासो उदेल्यो. “हूं... व्हय मांय. काल पळेल्यार... इतलिशी शेळ जाल्ल्याक गांव सगळो वयर सकयल केलो दात्तेर, सूप म्हण. रातीक मात्र म्हाका नीद आयिल्ली पळेवन मागीर फॅन चालू करन निदला...तेंय ह्ये बेंगळूरच्ये थंडींत...”

“हूं... हांवें चिंतल्ल्या बरीच जालां. व्हय पुता, सुमार पंद्रा वरसां जालीं... हाका फॅनांचें पिशें लागून. ताच्या मामान हाका म्हण एक फॅन हाडन दिल्लेंच सय. केदळाय ताच्या मुळाच निदचें. मामा म्हळ्यार ताका तितलोय लाग्गीं...पूण?”

“तें कितें मामान फॅन हाडन दिल्लें..तुमगेर फॅन नातलेंगी”

“ना पुता तेदळा पूरा फॅनां खंय? तुज्या मांवाक कामयी समा नातलें. म्हज्या बाबान (भावान) हाडन दिल्लें” हांवें काणी सुर्वातली. त्या दिसा म्हज्या बाबान पुता सांगाता तमाशेक म्हण खेळल्लो खेळ... चड्डी काडल्ली... तो म्हजेकडे येवन निदल्लो... दुसऱ्या दिसा भिंयान ताप आयिल्लो... हाणें सपणांत ‘धग धग...फॅन फॅन... म्हण मणमणचें’ सगळी काणी सांगली.

सून म्हाकाच दीष्ठ जोकून पळेवन आसल्लें. “त्या दिसाच सांजेर म्हज्या बाबान हाका भोळांवक म्हण फॅनच हाडन घाल्लें आमच्या घरा.”

“मांय... तुज्या बाबाक तुवें जोर करुंनांयगी?”

“जोर करुंक कालें आसा? तो केदळाय असोच! भुरग्यां सांगाता मिट्टो मिट्टो म्हण खेळचें तें न्हय आसतां, ल्हान थावनय ताका म्हजो पूत म्हळ्यार भारी”

“पूण... प्रायेक येवन आसच्या भुरग्यां सांगाता तशें पूरा करचें?” ताच्या तोंडार मार खाल्ल्या गोरवाचो छारो आसलो. तें इतलेंय त्या विशयाक कित्याक वोडता कळनातलें.

इल्लें कर्करशें भोगलें. “कालें म्हणताय तूं? म्हजो बाबा तो... हाका ल्हान थावन खेळोवन आसलो ...”

“हं...मांय” उतरां सोदूंक तें असहायक जाल्लें.

“कितें चिंताय पुता”

“चिंतचें कितें? आतां म्हाका कळ्ळें हाका कित्याक अशें जालां म्हण. चिंतूंक कांय ना आनी... हांवेंय तुज्या पुता सांगाता थंडींत फॅन घालन निदूंक संवंय करून घेजे तितलेंच” कष्टांनी हासो हाडन सांगालें तें. एक घडी मौन आनी मागीर एकाच्चाणे ताचो तोंडा छारो फातरेलो “मामाच्या घरचो फोन नंबर आसागी”

“आसा ? पूण कित्याक?”

“मामालागीं उलयजे?”

“कितें? मामालागीं कितें म्हण उलयताय?”

“उलोंवचें न्हय. हांगा येवन आमचे सांगाता दोन म्हयने राव म्हण सांगिजे.”

“हांगा?”

“व्हय...हांगा... आमचे सांगाता... हाचें भ्यें वेता म्हणासर” ताच्या ताळ्यांत खारसाण आसली.

कितें उलोंवचें म्हण समजानासतां हांव ताकाच पळेवन रावलीं एक खीणभर. म्हज्या भावाचेर बदलाम घालता हें. उलोवणें चुकोंवक म्हण हांवें वाट सोदिजे आसली. “राव, म्हजो फोन हाडतां” हांव कुजना भायर गेलीं.

तें

मांयन सांगल्लें आयकून म्हजी मत विरार जाल्ली. च्या पियेत्त एक घडी थंयच बसलीं. तितल्यार मांयन तिचो फोन हाडन वोड्डायलो.

मामाचो फोन नंबर घेतलो. सुमार वेळ, तकली थंड जाता म्हणासर वोगो बसलीं.

मामाक फोन डायल केलो. एक रिंग जालें मात्र, पूण कितेंगी मन बदल्लें. म्हातारो तो... सुणें व्हय, पूण आतां दांत नातल्लें सुणें. उलोवन कितें फायदो? भेष्टेंच खद्रळ. हांवें फोन बंध केलो.

च्यायेचो लोटो सिंकांत घालो. मागीर धुवंक, आनी निदच्या कुडाक गेलीं. हो आनिकी गूंड निदेंत आसलो. वोल कांबरून घेतल्ली. धोंपरां पोटालागीं घेवन कोवळून निदल्लो बारा

वरसांचो भुरगोच तसो दिसलो म्हाका. काळीज उमाळून आयलें.

हांवें परत फोन हातीं घेतलो. पूण कितें करचें कळ्ळेंना.

उश्यालागीं बसलीं आनी ताच्या केसांनी बोटां खेळयलीं. 'मुन्ना' निरलिप्त हासो उदेल्यो. ऑफिसांत व्हड हुद्द्यार पावून फामाद जाल्लो मुन्ना... म्हाका मेचवोन लग्न जाल्लो मुन्ना... म्हाका शेळ जाल्यार घाबरन गांव सगळो एक करचो मुन्ना... आवयक आनी बायलेक दोगांयकी जोगासाणेन पळेवन घेवंक जाणा आसचो मुन्ना ... फॅन नासतां नीद येनातल्लो मुन्ना...

ऍलर्जिची मात्री थंयच मेजार आसली. हांवें सकाळीं घेंवच्या एक्ये मात्रे सांगाता आन्येक अरधी चडच घेतली. कुडाच्या बागलाची खिळकी बंध केली आनी पंख्याचो वेग च्यारा थावन पांचांक चडयलो.

सगळ्या कुडांत सकाळींचें थंड वारें खिळंच मारन धांवट काडीलागलें. हांवयी ताच्या सांगाता वोली भितर रिगलीं आनी ताका म्हज्ये वेंगेंत घेतलें.

2018

KONKANI BHASANI SANSKRITI PRATHISTAN (R)
World Konkani Centre
Lobo Prabhu Nagar,
Konkani Gaon,
Shakthinagar,
Mangaluru,
575 018.

8059
Short stories | DEV

ह्या पुस्तकांत तेरा काणयो आसात. एका परस एक अव्वल काणयो. कोंकणी मटव्या काणयांच्या संसारांत ऍंटनी बारकूराची ही ऍंट्री वादाळ उटयतली म्हणच्यांत नवल ना. ‘काकूस’ काणी, ऍंटनीक उचंल्ये पंगतेर बसयता म्हणून विमर्शकांनी येदोळच जाहीर केल्लें आसा. पुण म्हजे प्रकार ‘धग’ काणी – तिची ठरावण, आयच्या काळार विंचल्ल्या विशयाची प्रामुख्यता, इतलो नाजूक विशय हाताळ्ळली रीत, सगळी काणी नवेसांवान बांदून हाडल्ली गजाल – आनी जायत्या हेर कारणांक लागून कोंकणिंतली अप्रतीम कथा म्हण दाखल जातली.

दोन काणयो सोडल्यार (मासां आनी धवे मोचे) सरवय काणयो स्त्रीयेच्या भोंवतणी विणल्ल्यो आसात. तेय बोव नाजूक विशय. चडावत काणयांनी ऍंटनिचो कुद्रो (जुंवो) घडये घडये वयर पडता. जुंव्याच्या जिविताक रेवडल्ली कांय नवी सब्दांवळ ह्या काणयांनी आसा. थोड्यो काणयो विदेशी भोंवारांत रचल्ल्यो आसून, कोर्पोरेट संसाराचो वेगळोच अनभोग दितात.

मेल्विन रोड्रीगस
(केंद्र साहित्य अकाडेमी प्रशस्ती जिकपी कवी)

Picture Courtesy: Praveen Sudarshana

- ऍंटनी प्रकाश डिसोजा. ‘ऍंटनी बारकूर’ नांवान कोंकणी साहितीक संसारांत वळखीचो.
- बारकूर आनी गंगोळ्ळींत मुळावें शिकप. दावणगेरेंत इजिंनियरींग.
- बेंगळूर, चेन्नै, यू.के., सिंगापूर, आमेरिका आनी जर्मनींत सॉफ्टवेर शेतांत वावर.
- प्रस्तूत बेंगळुरांत पतीण सिंथिया, पूत ऍरन आनी धुव ऍन्सिया सवें वस्ती.
- २००० इसवेंत कविता बरोंवच्ये द्वारीं साहित्याची सुरवात.
- ‘काट तुटचो वेळ’ कविता पुंज्याक कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी थावन २०१०चो पुस्तक पुरस्कार.
- राकणो प्रकाशनान २०१० वरसा परगटलल्या ‘धाकड्याच्यो काणयो’ पुस्तकांत, ताची ‘काकूस’ काणी आसा.

ಕವಿತಾ ಟ್ರಸ್ಟ್ / कविता ट्रस्ट

₹ 200